
बांवरी राधिका

- अजय ज्यो. बुवा



बांवरी राधिका

कोंकणी कथा संग्रह

अजय बुवा (आप्पा)

बांवरी राधिका

कोंकणी कथा संग्रह

अजय ज्यो. बुवा (आप्पा बुवा)

प्रकाशन क्र. ३

२०१२

उजवाडावपी:

महारुद्र प्रकाशन

एस - ३, रिश्वा रॅजिर्डेन्सी,

कला मंदिरा फाटल्यान,

दुर्गाभाट, फोंडें - गोंय.

maharudrabooks@rediffmail.com

अक्षरजुळोवणी

सी. रुचा सुशांत नायक

शांताई अपार्टमॅण्ट

कवळें, फोंडें - गोंय.

9049599090

छापणावळ:

Dream Solution

No. 5, Second Floor,

Fonseca Arcade

Tisk, Ponda - Goa.

Phone No. 9637366757

मोलः २००/-

हें पुस्तक कला आनी संस्कृती खात्याचे 'लेखकां खातीर अनुदान' हे येवजणे खाला छापलां.

जांच्या साहित्यांतल्यान
म्हज्यांतलो साहित्यीक जागो जालो
त्या सगल्या कोंकणी साहित्यिकांक
नमळायेन

म्हजेय दोन शब्द....

म्हजो पयलो कथासंग्रह एसएमएस म्हजे खातीर एक खोशयेचें ल्हार कशें सिद्ध जालें. एक सादो एसएमएस म्हाका येदें व्हड जैत मेळोवन दीत अशें हांवें खऱ्यांनीच चिंतूंक नासलें. एकाच पुस्तकान हांव भारतीय पांवड्यार नामना जोडपी लेखक जातां हें म्हाका अजून लेगीत सपन कशेंच दिसता. साहित्य अकादमी म्हाका गुजराताक व्हरता. भारतीय भाषा परिषद म्हाका कलकत्ता व्हरता. साहित्य क्षेत्रांतल्यो ह्यो दोनूय म्हान संस्था म्हजो कथाकार म्हण भोवमान करतात. सगलेंच सूखदिणें. सगल्या सपनांचो कळस म्हणचे एसएमएस हो कथासंग्रह आता हिंदी भाशेंतूय प्रकाशीत जाता. भारतीय भाषा परिषदेन एसएमएस कथासंग्रहाचेर जो मोग दाखयला तो हांव केन्नाच विसरूंक शकचों ना. एसएमएस वाचले उपरांत खूबशे फोन आयले. खूब पत्रां आयलीं. तांतूतलेंच एक माधव सटवाणी सरांनी बरयिल्लें पत्र ह्या पुस्तकाचे अखेरेक मुद्दाम छापलां. खरें म्हणचे एसएमएस प्रकाशीत जाले उपरांत लेखनांत मात्शी सुस्तताय आयिल्ली. पूण जे दीस सटवाणी सरांचें पत्र आयलें ताचे वयल्यान समजून आयलें, लोकांक म्हजे कडल्यान कितल्यो आनी कसल्यो अपेक्षा आसात, वाचकांक दिसता हांवें बरयत रावचें, म्हजे बरप लोकांक आवडटा. मागीर मात हांवें आळस केलोना. व्यवसाय, राजकारण आनी तरीय लेगीत मेळटा तो वेळ हांव बरोवपाक दितां. नवे विशय सुचत आसात.

एसएमएस कथासंग्रहांतले म्हजे नवे नवे प्रयोग लोकांक आवडिल्ले. तेन्नाच हांवें थारायिल्लें, कोंकणी कथेंत जमता तितले नवे प्रयोग करप आनी कोंकणी कथा फुलोवप. अशाच प्रयोगांतल्यान कन्यादान आनी डार्लींग अबोड बरोवन जाल्यो. सुनापरान्ताचेर दोनूय कथा छापून येतकच, परबी दिवपाक खूबशे फोन आयले. चडशा वाचप्यांक म्हजी मांडणीच आवडिल्ल्या कारणान हांवूंय नवीन कथा आनी कथा विशय सोदचे परस नवीन प्रयोग पयलीं चिंतपाक लागलों. ते खातिरूच मागीर कथा येवच्या जाग्यार नवीन प्रयोगा खातीर कथा हें समीकरण म्हजे बाबतींत घडलें आनी घडत आसा.

बरो विशय हो कथेचो प्राण. खूब लोक म्हाका विचारतात, तुका कथा सुचता कशी? हांव विशय सोदपाक खंयच वचना. खूब फावटीं विशय म्हाका सोदीत म्हजे कडेन येतात. हांगा थंय भोंवतना खूबश्यो घडणुको घडटना

नदरेक पडटात. हांव प्रत्येक घडणुकेंत किदें कथा बीज आसा काय पळयतां. दिसाळ्यांत येवपी जण एके बातमेक हांव विचारतां. "तुजे भितर कथा आसा? खूबशो बातम्यो म्हाका एक एक फावट कथा दिवनूच वतात.

खूब फावट म्हजे इश्ट म्हाका म्हणटात, ह्या विशयाचेर किदेंय बरय मरे. पूण खूब फावटीं ते विशय साहित्यांत पोरणे जाल्ले आसतात. असोच एक दीस म्हजो इश्ट राजन केणी म्हाका म्हणपाक लागलो, "फकत एके नोटीचेर तूं कथा बरोवंक शकता? हांवें तें आव्हान स्विकारलें आनी काणी पांचशेंची ही सुंदर कथा म्हजे कडेन घडली.

एक लेखक ह्या नात्यान हांव हालींसाराक कोंकणीच्या मळा वयल्या विंगड विंगड कार्यावळींक वचपाक लागलों. खूबशा प्रतिभासंपन्न अशा लेखकांच्या सहवासांत तांचे सारखें जावपाचीं सपनां पडपाक लागलीं आनी त्या निमतान तांच्या साहित्याचें वाचन जावपाक लागलें. वचत थंय ह्या जेश्ठ साहित्यिकांनी फाटीर हात भोंवडावन उमेद वाडयली. म्हाका मेळ्ळे उपरांत जण एकलो म्हणपाक लागलो, असोच बरयत राव. बरो बरयता. आयज लेगीत हावेस दोट्टी करपाचें काम भोवमानेस्त पुडंलीक नायक, महाबळेश्वर सैल, दामोदर मावजो, उदय भेंब्रे, शिला कोळंबकर, मीना काकोडकर, दिलीप बोरकर, नागेश करमली, एन शिवदास, प्रकाश पर्येकार, वसंत भगवंत सावंत, प्रकाश पाडगांवकार, अल्का सिनाय असोल्डेंकार, नयना अडारकार, माया खरंगटे, माधव बोरकार, गुणाजी देसाय, प्रकाश वझरीकार, सुनिता काणेकार, माधवी सरदेसाय, प्रियदर्शनी तडकोडकार हांच्या सारके साहित्यीक करीत आसात.

दोन व्यक्तींचो उल्लेख ह्या वेळार म्हाका परत परत करीन दिसता, त्यो व्यक्ती म्हणल्यार प्रा. राजय पवार आनी प्रा. हनुमंत चोपडेकार. म्हजे भितरलो साहित्यीक जितो आनी तरूण दवरपाचें काम हे दोग करीत आसात. तांचो असोच जर म्हजेर हात रावत जाल्यार तो दीस पयस ना जे दिसा म्हजीं स्वताचीं शंबर पुस्तकां म्हजे आलमारींत आसतलीं.

"हल्ली काय नवीन वाचायला आणत नाहीस." अशें म्हणत प्रोत्साहीत करपी म्हजी घरकान्न मेनकाचें योगदान म्हजे साहित्यनिर्मणेंत मोलाचें आसा. केन्ना केन्ना म्हाका हांव ताचेच खातीर बरयतां अशें दिसता.

म्हजी गुरू प्रा. सुनीता काणेकर हिचे उपकार मानपाक उतरां उणीं पडटात. आयज कॉलेज सोडून सोळा वर्सां जालीं. पूण जेन्ना जेन्ना सुनीता टिचर म्हाका मेळटा तेन्ना म्हजे कडेन गर्वान आनी कवतुकान पळयता.

हांवें वदळ म्हजेर खूबशा वाचकांनी मोग केलो म्हणलां. पूण ह्या सगळ्यां वाचप्यां मदीं एका वाचकाचो मुद्दाम उल्लेख करीन दिसता तें म्हणल्यार नमिता कवळेकार. योगायोगान विमोचनाच्या पयल्या दिसाची आवृत्ती तांच्या हातांत पडली. वाचून मागीर ताणें ती आपल्या उशा कडेन दवरली. ती अजून थंयच आसा. ताका जेन्ना जेन्ना वाचन करीन दिसता तेन्ना तेन्ना तें पुस्तक हातांत घेता. आनी तें म्हणल्यार म्हजें एसएमएस. ह्या पुस्तकांतल्यो सगळ्यो कथा ताणें आठ आठ फावटीं वाचल्यात आसतल्यो. पूण ताचे भाशेन सांगचें जाल्यार म्हजी प्रत्येक कथा, पत्येक फावटीं वाचतना ताका खंय नवीन दिसता. मेळत थंय तें म्हाका विचारतलें, दुसरें पुस्तक केन्ना? आयज ताका उतर दितां, इतलीं पुस्तकां बरयतलों की ताका एक दीस न्हिदतना उशें घेवपाची कांयच गरज पडची ना.

जानेवारी म्हन्यात, म्हणजे म्हज्या वाडदिसा दीस म्हजी तिनूय पुस्तकां लोकार्पण करपाची म्हजी इत्सा आसली. पूण म्हजो इश्ट सुशांत नायक जाणें ह्या सग्रहाचें टायप सेटींग केलां, तो आपल्या कार्यालयीन कामांनी व्यस्त आशिल्यान पुस्तक चार म्हयने उसरा येता. तरी पूण ताचो उपकारी आसां. पुस्तकांत सुदारणा करपा खातीर म्हाका मात्सो वेळ मेळ्ळो. आनीक एके खास व्यक्तीचे आभार मानप गरजेचें आनी ती व्यक्ती म्हणल्यार म्हज्या कार्यालयांत म्हाका पालव दिवपी बाय मंजुषा खानोळकर. पयलो कथा झेलो आयले उपरांत खूबशा साहित्यीक कार्यावळींचीं आमंत्रणां येत आसतात. म्हजे गैरहजेरेंत म्हजो वेवसाय तें बरे तरेन सांबाळटा म्हणून म्हाका साहित्यनिर्मणेक वेळ मेळटा, आनी साहित्य कार्यावळींक वचपाक लेगीत मन हलकें जाता.

निमणें, प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्षपणान जांचो जांचो म्हज्यांतल्या साहित्यिकाक परीस स्पर्श जालां त्या सगळ्या ज्ञात, अज्ञात लोकांचो हांव उपकारी आसां. एसएमएस कथाझेल्याक जो मोग मेळ्ळो तोच मोग 'बांबरी राधिका'क मेळटलो अशी आस्त धरतां.

देव बरें करूं.

अजय बुवा (आप्पा)

अनुक्रम

बांवरी राधिका

सकाळीं फुडें उठून मनोज आनी तारा दोगांचीय भायर सरपाची तयारी चलिल्ली. आयज मंगळार. सिद्धी विनायकाक वचपाचो दीस. दर एका मंगळारा ताराक देवळांत सोडप आनी आपूण गाडी घेवन कामाक वचप हो मनोजालो नेम. तीं रावतात दादर आनी मनोजाचें कार्यालय नरीमन पॉयण्टाचेर.

देवळा लागीं पावपाक पयलीं हार-फुलां घेतिल्लीं भुरगीं आपलीं फुलां घेवचीं म्हूण फाटीक लागलीं. मनोजालो पुलिसाचो भेस पळोवन रोखडींच फाटीं सरलीं. ते मजगतीं एकट्या कडल्यान तारान दुरवांची पेंडी घेतली. मात्शें फुडें गेल्यार देवळा भायर घे भिकाऱ्यांची रांग. कांय अपंगूळ, काय अनाथ, कांय जाणटे, कांय दुयेंती सगळ्या तरांचे. पूण देवळाच्या वेवस्थापनान तांकां एक जागो दिला. थंयच बसून तांणी भीक मागपाची. भाविकांच्या फाटल्यान लागपाक जायना. तारा आनी मनोज, भिकाऱ्यांच्या थळा सावन मात्शीं फुडें गेल्यांत मात एक चार वर्सांचे चलयेन धांवत येवन मनोजाक वेंग मारली. हरशीं लोक पुलिसांचो भेस पळयलो की धांवतात. भुरग्यांक तर सामको धाकच आसता. पुलीसमामा तो म्हणल्यार पुरो. भुरग्यांची भियेवन गुळी जाता. मागीर हे चलयेन धाडस केलेंच कशें हाचें दोगांकूय अजाप दिसलें. निश्पाप पोर तें. मोन्यांनी मनोजालो पांय हालोवपाक लागलें. ताराक ते सान चलयेची काकळूट दिसली. आनी धाची नॉट फुडें केली. ताणें मोन्यांनीच मान हालयली. तुमचे पयशे नाका अशें म्हणपाची गवाय आसली ती. ताराक राग आयलो. दिल्ले पयशे घेयना. घडये ताका चड जाय दिसता. "पूण हाचे पयलीं आमी केन्नाच हाका पळयलें ना." तारा उलयलें. "साब, आज उसका पहला दिन है." एक जाणटेली भिकान्न उलयली. "तारा, बरोबर. कोणेतरी सराईत भिकारी नेटवर्क आशिल्ल्या मनशान हाका आयच्यान भिकेक लायलां आसतलें आनी सांगलां आसतलें येतना खूब पयशे घेवन यो. नाजाल्यार मारतां म्हूण."

"तुमी पुलीस तांकां ख्यास्त कित्याक करिनात. निश्पाप भुरग्यांक कामाक लायतात ते."

"तें एक वेगळेंच राजकारण आसा. सांगता तुका एकदीस." अशें म्हणत ताणें धा रुपयांच्यो धा नोटी काडून ताच्या हातार दवरल्यो. पूण तरिकूय ते चलयेन न्हयकारी मान हालयली आनी ताच्या कमरेच्या पिस्तुला कडेन बोट दाखोवन कितें तरी सांगपाक लागलें. पूण कुरवांनी. ताराक कांयच होलमना जाले. पूण मनोजाली पुलिसाची तकली धांवपाक लागली. ताका कळून आयलें हे चलयेचो आयज पयलोच दीस. हरशीं ल्हान भुरगीं बायलांक लागींचीं आसतात. पूण हाणें आपणाक वेंग मारली. हे चलयेक वाटावपाक जाय.

"बाय, तूं हांगा राव. आमी दोगांय देवळांत देवाक पांयां पडून येतांत. मागीर आमी खूब वेळ उलोवया."

हें आयकना फुडें तें चडूच भियेल्लेशें जालें. आपणाक हांगा दवरूं नाकांत आपल्याक मारतलो अशें कुरवांनी भिकाऱ्यांचे गर्दे कडेन बोट दाखोवन सांगपाक लागलें.

"मनोज, किते सांगता तें?" तारान विचारलें.

"तें म्हणटा, आमी ताका एकलें सोडून गेल्यार ताका कोण तरी येवन मारतलो. म्हणजेच ताचेर नदर दवरपाक कोणाक तरी सांगलां." ताणें ते ल्हान चलयेक आपलें बोट दिलें आनी धरपाक सांगलें. ते चलयेन आपलें मुठींत ताचें बोट घट धरले आनी तांचे वांगडा चलपाक लागलें. तारा त्या दोगांकूय कवतुकान पळयताले. ताचे कपडे म्हेळे आशिल्ले पूण रुपान बरें सोबीत आशिल्ले ताका खूब दीस उपाशीं दवरिल्ल्यान ताच्या मुखामळा वयली सया मातशी गेल्ली.

"भातकांडे, हे चलयेक मातशें तुजे वांगडा बसोवन दवर. आमी देवळांत भितर वचून येतांत आनी कंट्रोल रुमार फोन करून व्हॅन मागोवन घे. वांगडा सात आठ पुलीस धाडूंक सांग. ह्या सगळ्यांक कचेरेर व्हरपाक सांग. जाणट्यांक हांगाच आसू. कितें करपाचें मागीर सांगतां. पूण भिकाऱ्यांक हाची सुलूस लागपाक दिवं नाकात." देवळाचे सुरक्षे खातीर थंय खास पुलीस चौकी आसली. भातकांडे हवालदारा कडेन ते चलयेक बसोवन तीं दोगांय भितर गेलीं आनी कांय खिणां भितर भायर सरली. भायर भिकाऱ्यांचो बोवाळ चलिल्लो. पुलिसांनी सगल्यांक चवकशे खातीर कचेरेर व्हेले. मनोजान आपल्या पुलीस स्टेशनाचेर फोन करून उसरा येवपाची सुचोवणी केली आनी भिकाऱ्यांक प्रभादेवी पुलीस स्टेशनाचेर व्हरून चवकशेक सुरवात केली. माराच्या भंयान

युसूफ नांवाच्या भुरग्यान तें चलयेची सगळी काणी सांगली.

मझीद नांवाचो गोंयगांवचो मनीस ही निकाऱ्यांची टोळी चलयतालो. दिल्ली बाजारांतल्यान हें चलयेक ताणें अपहरण केल्लें. एका म्हयन्या पयलीं हे टोळयेंतले लोक भारतभर भोंवून [illegible] भुरग्यांक उखल्लताले आनी मुंबय हाडटाले. एका भुरग्या फाटल्यान तांकां एक लाख मेळटाले. भुरग्यांची पिराय [illegible] जाल. तांकां पयलीं दोन दीस उपाशीं दवरताले आनी मारीर मारून मारून [illegible] दवरताले. [illegible] भुरग्यांक [illegible] सरल्या उपरांत [illegible] कोणाक खबर [illegible] एक अमानुष कृत्य करताले. [illegible] भुरग्यांक [illegible] करतलेश [illegible] घालून जीव [illegible] निर्जीव करून उडयताले. [illegible] आदय [illegible] धगाडा [illegible] भुरगें पुराय जिवीतभर [illegible] जाताले. हे चलयेचेर [illegible] ती सगळें [illegible] तारांत [illegible] आनिल्ली.

[illegible] दुलीस [illegible] आसलो. [illegible] घरांत [illegible] ते [illegible] गेले. [illegible] आसले. [illegible] आनी [illegible]

"[illegible]" [illegible] रिगता [illegible] दिसतालो. [illegible] आनी [illegible] आसा. [illegible] आसा. [illegible] निर्दोष आनी [illegible]

"मम्मा, केलो गे असायण्टमॅण्ट पुराय?" सांजेचो क्लासाक गेल्लो बल्लव परत आयिल्लो. बल्लव सकाळीं जो भायर सरतालो तो दनपरां जेवपाक घरा पावतालो. जेवन जातकच रोखडोच ट्युशनाक आनी मागीर हेर क्लास. तो दनपरा आयिल्लो तेन्ना ल्हान चली न्हिदिल्ले ते ताच्या लक्षांत आयलें ना. पूण सांजेचे ते सोफार बसलां ते पळोवन ताची उमळशीक वाडली. "हें आनी कोण गे?"

"ती भयण तुजी. तूं म्हणटालो न्हय रे तुका एक भयण जाय म्हूण."

"खंय मेळ्ळी भयण ही?"

"भाटुगाच्या दी कॅपिटल मोलांत." तारान सांगलें.

"खरेंच?" बल्लवाक खोस जाल्ली ताच्या तोंडा वयल्यान कळटाली.

"नांव कितें गे हाचें?"

"नांव तुका जाय तें दवर."

"म्हजी दोन फ्रेण्डां आसात. एक बावरी आनी एक राधिका. हांव ताचे नांव बांवरी राधिका दवरतां ."

"शेंदे व्हडले म्हूण नाव आसता रे?" हाचेर मातशी चर्चा जाली. पूण ते घटकेच्यान ताचे नाव खऱ्यांनीच बावरी राधिका पडले. काल बल्लवाचे शाळेंत पर्यावरणाचेर एक असायण्टमेण्ट दिल्लो. तरा तरांचीं फुलां, फळां, जनावरां, झाडां हांची चित्रां वेगळ्या वेगळ्या पानाचेर दसोवपाची. पूण आयज सकाळच्यान बावरीच्या धांवाळान तारा सगळेंच विसरून गेल्ले.

"बल्लव मातसो राव. पयली रांदतां आनी मागीर सगळे काम करून दितां. तो मेरेन तूं एक काम कर. सगळीं चित्रां कापून दवर. जनावरांची वेगळी आनी झाडांची वेगळी कर. मागीर दसोवया पानाचेर." तारान सांगलें.

"हाय ना. म्हाका सम्स करपाक जाय." अशें म्हणून तो गणिताचें पुस्तक काडून आपल्या कामाक लागलो.

रातचो जेवतना मनोज बावरीक कवतुकान आनी काकुळटेन पळयतालो. ते जेवपांत गुल्ल आसा. खूब दीस अदगादीर आशिल्ल्याचें ताच्या जेवणा वयल्यान जाणवतालें.

"सगळ्याक फोटो धाडल्यात हाचे. फाल्या मेरेन माहिती मेळटली. सगळे कडेन मिसींग रिपोर्ट आसतालेच. दोन दिसां भितर बावरी आपल्या आवयबापाय कडेन आसतली." दोगांनीय ताचे कडेन पळयले. ल्हान जावनूय

ताचें मुखामळ खूब कितें उलोंवन गेल्लें. पोर शिट्टक आनी हुशार आसा हें ताच्या तोंडा वयल्यान कळटालें. देखुनूच ताणें एका पुलिसाच्या पांयांक वेंग मारिल्ली. ताची सुटका पोलिसूच करूंक शकतात हें ताका घडयं होलमल्लें. तें स्वता जावन पुलिसां कडेन वचप शक्य नासलें.

जवण जातकच टिवी पळयतां पळयतां बल्लव आनी बावरी साफाचेर केन्ना न्हिदलीं कांयच कळ्ळें ना. तिणें बल्लवाक भितर व्हेला आनी बावरीक साफाचेरूच सारकें न्हिदयलें आनी भितरली चादर हाडून घातली. रातभर कमीत कमी चार फावटीं तरी तारान भायर येवन ताची सुलूस घेतिल्ली.

फांतोडेर ताराक कसली तरी याद जाली. आनी तें बेगी बेगीन हांतरुणा वयलें उठलें.

“किते जालें गो, आयज बेगीन शी उठलें?” मनोजान विचारलें.

“अरे, बल्लवान असायनमेंट पुराय कर म्हणिल्लें. बावरीच्या बऱ्याळान विसरून गेलें. उठ्ठानी आनी शाळेक वचपाच्या पयलीं धुमशणा काडटलां. तूंय या म्हाका मदत करपाक.” ताणें जाप दिली.

दागाय जांवयो दोन बोलात आयलो. पळोव जाल्यार चार वर्सांच्या बावरीन सगळो पसारो मांडला. ताचे येट सफाई [illegible] पिंतूर काय [illegible] म्हूण पळयता तर हांगे बल्लवाची असायनमेंट लागीं लागीं पूर्ण [illegible] आनी हें ल्हानशें भुरगें [illegible] बाहेरी कल्पनांत गुल्ल जालां. “बाय, तुजे कडेन ह्या वयाचेर बरीच कल्पकताय आसा आनी मनोज, मुजेन गजाल म्हणल्यार ताची स्मरणशक्त बरीच जोरकस आसा.” तारान ताका उखलून आपले हाडांर घट्ट धरलें आनी ताच्या दोनांय गालांची उमी घेतली. “भुरग्याच्या पोटाक ताची घरच्या वयरीन मेकळ्यार पुरा.” अशें म्हणत ताणें तो पसारो आवरून घालो आनी किचना वटेन वळ्ळें.

बावरीक आयज मनाजानार [illegible] म्हजनी जायत आगिल्ली. सगळें पटेंतल्यान जशें तें ह्या घरचेंच जाल्लें. ताचो आपयबापूय मेळपाची आस खूब उणी जाल्ली. दिल्लीच्यान रिपोर्ट येयनाच आयिल्ली. बावरी ना जाल्ल्याची कागाळ तांणी दिल्लीच्या वसंतविहार भागांत नोंद केल्ली.

बावरीचो बापूय मूळ मंगळूरचो. ज्या दिसा बावरी दिल्लीच्यान ना जाल्लें त्याच दिसा ताच्या बापायची मंगळूरच्यान बदली जावन तो दिल्लीक पाविल्लो. तांचें घरचें सामान पावपाक एक दीस उशीर जाल्ल्या कारणान ती

रातचीं जेवपाक म्हूण भायर सरिल्लीं आनी थंय सावनूच अकस्मात बावरीक कोणे तरी उखलिल्लें. कागाळ करतना तांणी वसंतविहारांतल्या ज्या भागांत फ्लॅट घेतिल्लो थंयचो नामो दिल्लो.

"नव्या बिराडाक येवन रावूंदी दोन दीस, मागीर तांची महिती घेतलों." अशें फ्लॅटाच्या मालकान चिंतिल्ल्यान तीं खंय सावन आयल्यांत आनी खंयचे कंपनींत तो कामाक आसा हें कोणाकूच खबर नाशिल्लें. मिठारीन केल्लें भुरग्याची हत्या हें प्रकरण त्या दिसांनी बरेंच गांजतालें. तेन्ना पुलिसांक दिसलें घडयें हे चलयेचोय असोच घात केला आसतलो, हें येवजून थंयच्या पुलिसांनी लेगीत हे प्रकरण चड गंभीर घेवंक नाशिल्लें आनी पुलिसांच्यो फावटी मारून ती दोगांय खंय ना जाल्लीं हें कोणाकूच खबर नाशिल्लें. तांणी लेगीत घडये मिठारी प्रकरणांत आपलें चली गेलें असो गैरसमज करून घेतिल्लो.

ताच्या बापायक खंय चलयेच्या आकांतान पिशें लागलां आनी ताची खंतीन बायल ताका घेवन खंय गेल्या तेय पुलिसांक खबर नाशिल्ले अशें दिल्लीचो निरिक्षक सांगतालो. पूण मनोजान बावरीक कशेंय करून तांच्या आवयबापाय कडेन पावोवपाचे थारयिल्लें.

शेनवारा साजेचीं सगळीं शॉपिंगाक गेल्लीं. तांणी खूब कितें खरेदी केल्ले. बावरी आतां घरचेंच जाल्ल्यान ताकांय खूब खरेदी केल्ली. दोगांय ताका जपतालीं ते टोळयेतल्या कोणेंय ताका पळयल्यार संकट येवं येता. मनोजान भुरग्यांक पळोवन भिकेक लावपी खूबशा मनशांक अटक केल्ली. पूण तातूतले काय जाण अजून अटक जावपाचे उरिल्ले. आपली माहिती बावरीन पुलिसांक दिल्ल्या कारणान तांकां बावरीचो राग आशिल्लो.

हरशी म्हूण ते मुळातूंच हुशार आनी शिट्टूक भुरगें. ताका ती कशींच पातये नासली शॉपिंगेच्या बोवळान आपूण आवय-बापाय पासून शेणलां हें लेगीत ते विसरून गेल्ले. बल्लवाक तबले विकत घेतना ते चडूच खोशी जाल्ले.

आयतारा सकाळीच मनोजाच्या फ्लॅटाचेर 'धा तिरकीट तिरकीट था. था तिरकीट तिरकीट धा' असो आवाज घुमपाक लागलो. ती दोगांय कांचेवन उठलीं सकाळचीं सात जाल्लीं. तांणी कुशीक पळयलें. चादर तोंडार घेवन एक माणकुले न्हिदला. म्हणजे ते बावरीच आसतलें. बल्लव इतले सकाळीं उठून नव्या तबल्याचेर बसला काय कितें? पूण तो सादो मुळावो त्रिताल वाजयता. अजून हांगा मेरेन पावपाक ताका वरस वतलें अशें मनोजाक दिसलें. मनोज

लेगीत पयलीं तबलें वाजयतालो. ताणें हातरुणार कोण न्हिदला तें पळोवपा खातीर चादर ओडली. पळय जाल्यार ता बल्लव आशिल्ला. बल्लव आनी बावरी आता एकच खाटीर न्हिदतालीं. मनोज चिंतपाक पडलो. म्हणजे तबलें बावरी वाजयता तर. तो धांवत भायर आयलो. खऱ्यांनीच सकाळीं उठून बावरी त्रिताल वाजयतालें. ताचीं नाजूक बोटां नेटान तबल्यावेर पडटालीं. कितलो तरी वेळ मनोज आनी तारा ताका पळयतच रावलीं. ताका गुंगूस लागपाक दिनासतना. आनी जेन्ना ताचे हात थांबले तेन्ना दोगांनीय कितलोसोच वेळ ताळयो मारल्यो.

"तारा, हें भुरगें जिनीयस आसा. देवाचो वर घेवन तें जल्माक आयलां. ताचो जो कोण गुरू आसा ताका म्हजें नमन." मनोज भावूक जावन उलयलो.

"धडय आमची पूर्वपुण्याय म्हूण हें रत्न देवान आमगेर धाडलां. मनोज, आमी एक काम करुया?"

"सांग! कितें? ह्या भुरग्या खातीर हांव कितेंय करपाक तयार आसां. पयशे घालून हांव ताका जाकीर हुसेना कडेन तबलें शिकपाक दवरीन. सांग तूं."

"आमी ह्या भुरग्याक पोसकें घेतल्यार?"

"कशें शक्य आसा? एक म्हयन्या आदीं ताका हांगा दवरलां. तेंय बी बेकायदेशीर."

"मागून कितें जालें? ताका सुखी करून हरशी म्हूण अनाथआश्रमांत सोडल्ले. मागीर आमीच सरकारी कागदपत्रांचो सोपस्कार करून ताका पोसकें घेतल्यार जावचें ना तर?"

"आयडिया वायट ना. पोरा बापाक अंगवेर नाव जातलें."

"पूण सगळे सोपस्कार जाय मरेन तें आमगेंच उरतलें. कशें कितें करप तें तुमी पुलीस पळयात. आश्रमाचें दार लेगीत चडपाक दियें नाकात ताका."

"पळयतां, करतां कितें तरी." मनोजान म्हणलें आनी तो कामार वचपाक भायर सरलो.

•
•

आठ दिसा उपरांत तो ताका पंडीत राधेश्याम भट ह्या तबले शिकोवप्या कडेन घेवन गेलो. बावरीचो हात पळोवन ताणें रोखडेंच ताका आपलें शिश्य करून घेवपाचें उत्तर दिलें. बावरीचे शिकपी हेर शिश्य म्हणल्यार मुखडो, कायदो, पलटे ह्या प्रकारांचेर बरोवन पाठ करून तबल्यावेर वाजयताले. पूण

बावरीन एकदांच पळयल्यार ताचीं बोटां आपसूक तबल्याचेर पडटालीं. मुखडो मागीर कितलोय कठीण जावं एकदां शिकयल्यार पुरो.

"मनोजजी, आपकी लडकी तो चमत्कार है. मुझे तो आदमी के रूप में ये कोई गंधर्व मालूम पडता है. मेरे पास जो भी विद्या है वो सब ये लडकी शायद पांच साल मे पुरा करेगी. फीर मेरे गुरुजी के पास भेज देना लखनौ."

दोन वर्सा भितर बावरी राधिका हे नांव मुंबय भायर गांजपाक लागलें. वेगवेगळ्यो स्पर्धा ताणें गांजयल्यो. पंदरा पदरा वर्सा रियाज केल्ल्या विद्यार्थ्याक कायच न्हय कशे मात दिवपाक लागले. कांय लोकांनी ताका 'वंडर गर्ल' हें नांव लेगीत दिले. मजगतीं मनोजान पोसके घेवपाचे सगले सोपस्कर पुराय करून ताका ताचे नांव लावपी धूव करून घेतिल्लें. बल्लवा परस तें ताचे चड मोगाचे जाल्लें. तांचे सदनिकेत फकत तबल्याचोच गांज आयपाक येतालो.

"डिडी टिवीचेर 'इंडिया गॉट टॅलण्ट' कार्यावळ आसा. हांव आनी बावरी वतांत. टिवीचे लोक शाळेंत आयिल्ले. हे पळय तांणी फॉर्म दिल्यात." बल्लवान एक दीस शाळेंतेसून आयले बराबर बोटवो दवरीत सांगलें. मनोजान फॉर्म घेतलो. वाचलो आनी खंय तरी ताच्या काळजांत जोगूल पेटलें.

***

भारत भर पातळिल्ल्या अश्टतांसी कलाकारांची खाण ह्या चॅनला वरवीं लोकां सामकार उकती जाली. कोण गावपी, कोण वाजोवपी, कोण बरो नर्तक, कोण नकलांकार अशे वेगळे वेगळे कलाकार. बावरीन पयल्या दिसा सावन लोकांक आनी परिक्षकांक दिपकावन उडयले. एका मोन्या भुरग्याची तबल्यार शिरकपी बोटा लोकांक आपलीं बोटां तोडांत घालपाक प्रवृत्त करपाक लागली.

तें जेन्ना जेन्ना माचयेचेर आपलो पराक्रम दाखयतालें तेन्ना खूबश्या फावटीं कॅमेराचो 'क्लोजअप' मनोज आनी ताराचेर पडटालो. लोकांक ह्या असल्या तेजस्वी कलाकाराक जल्माक घालपी आवय बापायचो अभिमान दिसतालो. पयली दादर वाठारात जावपी चर्चा ल्हव ल्हव प्रभादेवी वयल्यान केन्ना वाशी पावली कळ्ळेंच ना. फायनली खातीर तीन नांवांची निवड जाली. हजार कलाकारां भितरल्यान निमणी तीन. गौरवाचो खीण. चॅनलान फायनलीचो प्रोमो करपा खातीर पुराय देशभर बॅनर्स, होर्डींग्स लायलीं. ज्या सिद्धीविनायका भायर बावरी भीक मागतालें त्याच जाग्यार आयज ताचो फोटो आशिल्लो. वानखेडे स्टडियमाचेर हजार लोकां सामकार फायनल. पुराय देश त्या वेळार

टिवी सामकार बसपाक जाय अशी जायरात त्या टिवी चॅनलान केल्ली.

निमणो तो दीस उदेलो. ज्या खिणाक सुत्रसंचालकान म्हणलें, "मैं आप सबका ईस अनोखे कार्यक्रम में स्वागत करता हूँ." सुमार तीन वरां कार्यावळ चालू आसली. कॅमेरा कलाकारांचेर, परिक्षकांचेर, प्रेक्षकांचेर आनी पालकांचेर आरत्या परत्यान घुंवताले. लोकांचो बोवाळ पुराय स्टेडियमाचेर पातळिल्लो. आनी तीन वरां उपरांत तो खीण आयलो. नांव घोशीत करपा खातीर देशाचो सांस्कृतीक मंत्री माचयेर चडलो आनी वांगडा राज्याचो पुलीस प्रमुख. निवेदकान एक लखोटो आनी मायक तांच्या हातान दिलो. कलाकार आनी पालक लगीत माचयेर हजर. सगळ्यांचो नदरो ताचेर.

"देवीयो और सज्जनो. तालियाँ बजाईये इन कलाकारों को. जोर से तालियाँ होनी चाहिए इनको माता पिता को. और सब लोक खडे हो कर तालियाँ बजायिए इन्स्पेक्टर मनोज और उनकी पत्नी तारा को. जिनकी बदौलत दुनिया को एक सितारा मिल गया." निवेदकान अशें म्हणलें आनी ताळयांचो शिवर जावपाक लागलो. ताळयांच्या गडगडाटान माचयेचेर ब्लॅक आवट जालो आनी एक फ्लॅश फकत दोग अनाथ जोडप्याचेर पडलो. ल्हव ल्हव तीं माचयेची पांयऱ्यो चडटालीं. एक पुलीस तांका आदार दितालो. हें आनी किते नवें प्रकरण म्हूण लोकांक कळना जालें. शिरोधार्यांनी 'ट्विस्ट' आसता, पूण ही तर लायव कार्यावळ. तीं दोगय माचयेर आयले बराबर पुराय लायट परत पेटली. ह्या जोडप्यान माचयेर येवन सरळ मनोज आनी ताराच्या पायांर धालुन घेतलें. दोगांय रडपाक लागलीं. पुराय स्टेडियमाचेर शांततायं. पुराय देशभर जे जे लोक टिवी पळयताले तें आस्सा त्याच जाग्यार तटस्थ जाले. सगळे स्तब्ध. मनोज, ताराक किते चल्ला तेंच कळना जालें. ताणें ताच्या पुलीस प्रमुखाचेर नदर धुंवडायली. पुलीस प्रमुखान मायक हातांत घेतलो. एकदा मान हालयली आनी उलोवपाक सुरवात केली.

"तुमकां हांवें यदीच इन्स्पेक्टर मनोजाक मोट्यान ताळयो मारात किल्याक म्हळ्ळें कळ्ळें? भिकारी करपा खातीर ल्हान भुरग्यांचेर अत्याचार करपी एका मोठ्या गिरोहाचो हाणें पर्दाफाश केलो. तीन वरां जीं बाटां तवल्याचेर शिरकल्लालीं तीं बाटां सांबाळपाचें काम हाणें केलां. आयज जे जैतपत पावन तुमचे मुखार उबे आसा त्या बाबरीक ताणेंच सांबाळ्ळे आपलें नाव दिलें. आयज तो नाशिल्लो जाल्यार घडये हें भुरगें पुराय शारांत भोंवून भीक मागत हिंडटा आसलें. घडये जुवान जातकच वायट मार्गाक लागता

आसलें. पूण ताका मनोजाच्या रुपान देव मेळ्ळो. ताचें एक मोटे सपन आसलें तें म्हणजे बावरीक ताचे आवय बापूय मेळोवन दिवपाचें..." ताचें भाशण चालू आसतनाच लोक विचार करपाक लागले. म्हणजे हें चली हाचें न्हय तर? प्रमुखान भाशण चालूच दवरिल्लें.

"पुराय देशभर लायिल्ल्या होर्डिंग्सां वयल्यान बावरीचो सोद लागलो. चेडवाचे यादीन पिसो जाल्लो ताचो बापूय एक दीस काळोख जालो तरी त्या होर्डिंग्क्सा कडेन नदर लावन उबो आसलो. आपल्या रक्ताक ताचे बायलेन लेगीत वळखल्लें. घरा येवन ताणें टिवी लायली. सेमी फायनल चालू आसली... बावरीच्या बोटांची नजाकत पळोवन ताच्या बापायन ताल धरलो. तो एक खांपो वाजोवपी आसलो. म्हणटां म्हणटां तो बरो जावन मनशां भितर येवपाक लागलो आनी स्वता तिकेट काडून बायले वांगडा मुंबय पावलो. दोन दिसां पयलींच तीं हांगा पावल्यांत. पूण आमी मुद्दाम तांकां बावरीची भेट घेवपाक दिलिना. तांकां सांगलें, तें भायर आसा. आमकां सगळ्यांक हें जगा मुखार जाहीर करपाचें आसलें... मनोज ताराचें कवतूक पुराय संवसारभर करपाचें आसलें. म्हूण आमी तांकां आयज थेट माचयेर चडल्यांत.... ताळयो वाजत रावुंदी."

येदो वगत निश्चल आशिल्ल्या बावरीन धांवत वचून आवयक वेंग मारली. कॅमेरा फकत तांचेर... तिगांयनी दुकांक मेकळी वाट करून दिल्ली. पांच वर्सां उपरांत एक भांगराळो खीण तीं अणभवतालीं... मदींच कॅमेरा मनोजाचेर पडलो. तोय बी रडटालो. एक घट काळजाचो पुलीस रडटालो... मोट्यान न्हय तर काळजांतल्यान... बावरीच्या आवय बापायचो विरह पांच वर्सांचो आसलो पूण मनोज मात आतां सासणा खातीर विरहाच्या कोंडांत... खूब जीव आसलो ताचो बावरीचेर. तांकां दिशिल्ले कन्यादान करी मेरेन तें तांचे.. खूब वेळ ताळयो वाजल्या उपरांत निवेदकान परत मायक घेतलो आनी सुरवात केली.

"सर, निकाल जाहीर करुया." निकाल फकत सोपस्कर म्हूण करपाचो आसलो पुराय देशाक जैतवंत कोण तो खबर आसलो... जैतिवंताचें नांव जाहीर जाले. माचयेर फुलां आनी चकचकपी कागदांच्या कुडक्यांचो पावस पडलो. आनी एकाच वेळार दोन जोडप्यांनी बावरीक उखलून वयर घेतले. बोवाळ वाडलो... कॅमेराचे फ्लॅश लिकलिकून पडपाक लागले.

***

ल्हव ल्हव लोक घरा परतुपाक लागले. कॅमेरे ऑफ जाले. बावरीच्या बापायच्या हातांत हात दिवन मनोजान म्हणले. "पारान जीव लायिल्लो. ताचे बगर रावप घडयें कठीण जातले. पूण जातली सवंय ल्हव ल्हव. एक चलो एक चली. घराची चवकट पूर्ण जाल्या कशें दिसताले. आतां परत त्रिकोण. बावरी वेटा. वाय म्हणुंया न्हीं?" मनोजान दाटिल्ल्या सुरान म्हणले.

"बावरी, आमकां विसरचें ना मगो?" तारान जड ताळ्यान ताकां प्रश्न केलो. बल्लवानूय ताका धांवत वचून वेंग मारिल्ली. "बावरी, तू म्हाका सोडून वचूं नाका हां!" अशें म्हणत बल्लव ताच्या पाल्यांक पोशेवपाक लागलो.

तीं तिगांय माचयें वयल्यान देंवून आपले वाटेन चलपाक लागिल्ली. मनोज, तारा आनी बल्लव ताचे फाटीक पळयत मानेक पडिल्ले भशेन माचयेचेरूच स्तब्ध आशिल्ली. बावरी राधिकाच्या उगडासाक घट्ट काळजांत सांठोवन.

"मनोज घरा या न्हीं. तुजो त्रिकोण सोडून चवकोन पुराय करपाक?" ताराच्या उतरानी तो भानार आयलो. एक शृंगारीक नदर ताणे ताराचेर मारली आनी तारान ल्हवूच आपले आंठ चाबले.



एक सपन सपनेंतना

सपन एक...

दमोदर आपले बायलेक म्हणजे मीनाक घेवन डॉक्टरा कडेन आयला. फामाद गायनॅक दोतोर बळवयकार मीनाक तपासता. स्टॅथोस्कोप मीनाच्या पोटाक लायता. दामोदराक दिसता दोतोराक सांगचें, मात्शे सांबाळून हां!. नाजूक तें मात्शें. तपासणी पुराय जाता आनी मीना दामोदराचे कुशीक येवन बसता. कांय वेळान दोतोर हात धुवन आपले कदेलेर येवन बसता आनी म्हणटा, "तुमचो अदमास बरोबर. तुमी आवय जावपा आसात आनी दामबाब, तुमी बापूय."

दामोदर आनी मीना खोसयेन चिप्प भिजतात.

"पधंरा दिसांनी एक फावट मारात म्हजे कडेन. तुमकां बऱ्याच तेंपान भुरगे जाता. मीनाची काळजी घेवची पडटली." दोतोर तांकां समजावन सांगता. दोंगाय भायर येतात.

***

"उठात बेगीन आतां सकाळच्यान मोबायल वाजत आसा. घडये नव्या वर्साचे परबेचे एसएमएस आसतले. वर्साच्या पयल्याच दिसा आळस बरो न्ही."

सपन दोन...

"दमोदर, आमकां सांगपच ना रे. कार्यालयांतल्या सगळ्या बायलांक कळ्ळें मरे. आयज पार्टी जाय हां। पांच-पांच बियरी मारतले आमी" दुसऱ्या म्हयन्यांत खबर पुराय ऑफीसभर फामाद जाली.

"मीना, आयज घरा मात्सो उसरा येतां हां! आमच्या सगळ्या तळीरामांक खबर पावली. तांकां जेवपाक व्हरतां." दामोदरान मुजरत घरा फोन करून

कळयले आनी ऑफिसांतल्या सगल्यांक एका बऱ्याश्या होटेलांत जेवणाक घेवन गेलो. पार्टेक सगल्यांनी घे धुमशणां कांडलीं.

"दामबाब, आतां दोन वर्सां उपास. खबर आसा मरे?"

"नाका जाल्ली आजनरी करशीत हां!"

"हय रे हय! फुडली पार्टी दोन वर्सां उपरांत दिल्यार चलता." अशें तरेच खूबश विनोद सोऱ्याच्या नेटार जाले.

***

"आतां उठात न्ही. फांतया पारार वचपाक जाय नवस फेडपाक." घोंवाच्या आगा वयली चादर ओडीत मीनान ताका सांगलें तसो तो सडमडीत जागो जालो.

सपन तीन.....

आयज दोतोराची अपॉयन्टमेंट आसा. दोतोरान ताका बाराक येयात म्हण सांगला. आयज दोगांयनी एक कार्यावळ आखल्या. दोतोरागेर वचपाचें मागीर जेवपाक खुयतरी बऱ्याशा हॉटेलांत आनी मागीर आयनॉक्सांत 'चिल्लर पार्टी' सिनेमा पळोवपाचो. तरेशी म्हूण ताची गूड न्यूज सगळ्यांनी गोड केल्ली. हाणीच एकलोकाक पार्टी दिवंक नाशिल्ली आनी मुखेल गजाल म्हणल्यार मीनाचें पोट मात्शें दिसपाक लागिल्लें. 'तिसरो म्हयनो चालू आसा. पोट पाडटकच भोवपाक मेळचें ना. दोतोरान सांगला, खूब पयसांनी भुरगें जाता. चड दगदग बरी न्हय. दोगांय दोतोरा सामकार बसल्यात. तपासून जाल्लें आसा.

"मीना, भुरग्याची वाड जावंक जाय तशी जायना. म्हाका गर्भ मात्सो अशक्त दिसता. ही पयली धेवन पळय. मात्शी म्हारग आसात. फुडल्या म्हयन्याक तपासून मागीर निर्णय घेवया." दोतोराची उलोवप आयकून दोगांय काळजांतूल जाली. बायर जेवप आनी सिनेमा दोनूय बेत नकळत रद्द जाले. दोगांय वोग्गी. वोग्गी.

***

"आरे, उठ मरे पुता. मीना केन्नाचे तयार जावन रावलां. न्हिदे फुडे तुका कांयच नाका." आईच्या धेगशान तो जागो जाता. सामकार टिव्ही चालूच आसा

आनी 'चिल्लर पार्टी'चो ट्रेलर चलता.

सपन चार.....

मीनाचें पोट आतां आकार घेवपाक लागलां. चडूच गोरेंपिट्ट दिसपाक लागलां. आयज दोगांय दोतोरागेर वचून येतकच तांचे आवडीच्या हॉटेलांत नुस्त्याचें जेवल्यांत. वेटराक ताणें आयज पन्नास रुपया टिप्स दवरली. मीना ताका पळयतूच रावलें. सिनेमाक बसला थंय काळखान दमोदर परत परत मीनाच्या पोटार ल्हव ल्हव हात भोंवडायता. हरशीं मीनाक एके वटेन लज दिसता पूण ताचें मन म्हणटा, काळखांत कोण पळयता. तें लेगीत चोरून चोरून ताका पळयता.

"मात्शे पिच्चर पळयतां आतां. म्हजें सीटी स्कॅन जालां तितलें पुरो." मीना.

तुजें स्कॅन कोण करता. म्हज्या भुरग्याक समजावन सांगता सिनेमाची स्टोरी."

जावपी भुरग्याक थंडी जायत म्हण मीनाक ताचे आवडीची कोक मदले सुटयेंत मेळ्ळी ना. ताणेंय मनार घेतलें ना. भुरग्याची भलायकी म्हत्वाची. दोतर म्हणटा, नाजूक आसा खंय गर्भ.

***

"मामी उठ मगे! आयज पोळे करता म्हणटाली न्ही गे"!

मीनाच्या भाच्यान दारार मारलें. सुटी पडिल्ल्यान दामोदराल्या भयणीचीं भुरगीं मामागेर आयल्यांत. दोगांय बेगीन बेगीन उठलीं.

सपन पांच.....

मे म्हयन्याचे सुटयेत घरचीं सगळीं भोंवपाक कश्मीर आयल्यांत. दामोदर, ताची भयण भावोजी, भाचरां, मीना आनी तांचो पूत 'अवरोह'. मे म्हयनो हो हरशी वर्साचो पांचवो म्हयनो पूण तो पाचवोचार मात नासता गोंयांत. पूण हांगा कश्मीराक मात तो खरोच पाचवो म्हयनो सोबता. सगळीं जाणां 'सोनमर्ग' आयल्यांत हो वाठार धव्याफुल्ल 'स्नोन' भरसता. एकामेकाचेर 'झेल' उडयत सगळी खेळटात पूण मीना 'अवरोहाक' घेवन एका फातराचे बसलां. नाजूक न्ही तो मीनाचे भाचे ताका खेळपाक आपयतात. तो खेळपाक तयार लेगीत जाता पूण मीना ताका धाडिना. गर्भ धरला तेन्ना सावन तो नाजूक भलायकेचो.

ता बाबडो हेरांचो खेळ पळयत आवय वांगडा ताळयो मारता आनी मोठ्या मोठ्यान हांसता. खेळटां खेळटां कोण तरी शेवटून मारिल्लो बर्फाचो गुळो ताच्या पाठीर पडटा. ताचें आंग शिरशिरता. आवयचें लक्ष ना तें पळोवन जीब वयर करून ता पाल्या वयलो झेल तोंडांत आडून घेता आनी नेटा नेटान ताळयो मारपाक लागता.

***

"साब, आपको नहीं जाना शिकार पे. सब लोग उतर गये."

गायडाच्या सांगण्यान तो जागो जालो. कंपनीच्या कामाक लागून तो हांगा आयलो. आयलो तशें थोडें काश्मीर पळोवचें म्हूण तो अशेंच काश्मीर दर्शनाक भायर सरलो.

सपन स ....

[illegible] शाळा सुरू. एक वटेन पावस आनी एक वटेन शाळा [illegible] सुरू जातात. आयज '[illegible]'लो शाळेंत पयलो दीस. कितलें सुंदर नांव 'नक्षी' [illegible] शिकतात तशेंच ह्या नक्षींत भुरग्यांचेर संस्कार जातात.

मीनाक [illegible] बसतलो [illegible] पळोवपाक लागलें. सगळीं भुरगीं पयल्या दिसा रडून [illegible] करतात 'आवय' [illegible] ताका [illegible] तीन वर्सां [illegible]

***

"मामा, [illegible] आतां [illegible] म्हजें [illegible] शिकूंक ना हां!"

[illegible] शाळा केन्ना पावली कळूंक ना ताका.

सपन सात....

"मीना, म्हाका दिसता तुवें आतां पुराय बेडरेस्ट घेतल्यार बरी. सातवो म्हयनो पूण तुज्या भुरग्याची वाडावळ खूबूच मंद आसा. म्हाका कसलीच रिस्क

घेवपाची ना. उसरा भुरगें जाल्ले कारणान जाता हें अशें. मनाचेर चड ताण येवपाक दिवं नाका."

"दोतोर, हांव तशे घटमूट आनी सशक्त आसां."

"ते बरोबर! पूण तूं घटमूट आसून कितें जावपाचें आसा. भुरगें सशक्त आसपाक जाय."

"दोतोर, नाजाल्यार आमी अशें करुया. आमी आतांच मीनाक हांगा ऍडमीट करुया. घरा रावल्यार तें विसव घेवचें ना. म्हाकाय काळजी आसाच न्ही!"

"नाका, आतांच नाका. हॉस्पीटलाचें वातावरण ताका तीन म्हयने सोंसपाक जावचें ना."

***

"दामोदर, तुजे चल्लां कितें ह्या दिसांनी. हांव वदळच्यान पेपर सोदतां वाचपा खातीर आनी तूं हांगा पेपर तोंडार दवरून न्हीद काडटा." आवयन पेपर काडून वाचपाक सुरवात केली.

सपन आठ....

ह्या वर्सा चवथ बरीच बेगीन आयली. दामोदरालें घर हे ताच्या कुटुंबाचें मुखेल घर सगळे चुलत, चुलतभाव दोन दीस पयली येवन बोवाळ सुरू जाला. दामोदराक मीनाचो हुस्को. नकळत किदे काम करपाक गेले आनी पांय बी घसरलो जाल्यार? माळ्या वयली देवाची आयदनां काडपाक वयर चडटना पडत काय अशे हजार प्रश्न ताका पडपाक लागले. पूण सगळ्या सोय-यांनी मीनाक ताकीद दिल्ली, बॅडरुमांतल्यान भायर सरप ना. सगळी कामां तीं करतली. हरशी म्हण सगळ्याक खोस जाल्ली. दामोदराक कितल्या वर्सानी भुरगे जाता. ताचे पुराय घर सजलां सवरलां. फुडल्या वर्सा ह्या बोवाळांत बोवाळ घालपाक आनी एक मनीस येतलो म्हणल्यार 'अवरोह'. सगळी ताका नाचयतलीं. घेवन खेळटलीं.

"दामोदरा, कितलो वगत न्हाता रे? अजून खूब जाणां न्हावपाचीं आसात. बेगीन भायर सर!

***

दामोदर सपनांतल्यान भायर सरलो. आनीक वेळ नाका म्हण साबण लावचे पयलीच तुवाल्यान आंग पुसले.

सपन णव...

मीनाच्या पोटांत दुखपाक सुरवात जाली. दोतार वळवयकाराले हॉस्पीटल सध्याक 'रिनोवेशनाच्या' नांवा खाला बंद आसा. मीनाक वणा सोसपाक जायनात. दोतारालो फोनूय लागना. सगळ्यांक खबर आसा. मीनाच भुरगें नाजूक आसा. वेळ काडप बरोबर न्हय. तांच्या घरा कडल्यान लागींचे अश हॉस्पीटल म्हणल्यार सरकारी हॉस्पीटल. तांका दिसता, दोतार वळवयकाराक वांगडा करचे. ताका मीनाची पुराय माहिती आसा. दामोदर फोन लागना म्हण एकल्याक दोतारा कडेन धाडटा लेगीत. आनी मीनाक घेवन तो हॉस्पीटलांत पावता. सरकारी कारभार पळोवन वजार जाता. नर्सीक तापावन काडचे कशें दिसता. पूण तो रागाक आवर घालता. "दोतार येवपाक अजून अर्द वर आसा." हे नर्सीचें उतर आयकना फुडें तो रागान फणफणटा आनी मीनाक गाडयेन घालता. ताचे वळवळ ताच्यान थंयच नाज जातात. गाडयेचो वेग वाडत आसा. कामत दोताराक फोन करून वळयता आनी मोबायल डॅशबोर्डार उडयता. इतल्यान डॉ. वळवयकार कॉलींग म्हण मोबायल वाजता. दोताराचो फोन म्हण तो खोशयेन फोनाक हात घालपाक भात लांब करता. यदळची कॉल घेवन ताणे अक्षरशा फोन शेवटिल्लो. फोनाक हात लागपाक आनी सामकार म्हस येवपाक एकूच गाठ.... एक किंकांळ.. काळोख... खूब तेपान दोळे उघडटात. भयणीच्या हातान अवरोह आसा. पूण कोणूच खूश ना. सगळ्यांच्या तोंडार काळसर सया. **सगळेंच थंड वातावरण.**

"मीना खंय?" अश विचारपाक तो तोंड उघडटा मात, वेदनेची सणक ताज तकलेक मारता. ताजो हात कपला कडेन वता. तकलेक बॅण्डेज आसा. तो मनांत म्हणटा, घडये हे लेगीत एक सपन आशिल्लें जाल्यार?"

ताजी नदर दारांतल्यान भायर वता. मीनाची आवय हड्डे बडयत रडत आसा. **कसलेंच भान ना.**

ताचे मन परत म्हणटा, 'आनीक एक सपन काय किंदे?'



तो जळार

जंय पेडणेंची शीम सोंपता आनी बांद्याची सुरू जाता थंयच धरमपालसींग ह्या सरदारान नविनूच एक धाबो सुरू केला. हे वटेनच्यान खूबशो गाडयो पासार जातात. मुखेल हायवे आशिल्ल्या कारणान चोवीस वरां येरादारी आसता. फकत गाडयांचे हॉर्न आनी ब्रेक हांचो आवाज सोडलो जाल्यार आनी कांयच ना. ह्याच वाठारांत जळारांच्या घोंग्यांचो आवाज मात कुंईईईई करून सगळे कडेन गांजतालो. केन्ना तरी गोरवां घेवन येवपी राखणे आयले म्हणटकच ह्या जळारांक मेजवानी मेळटाली. ना जाल्यार कसो तरी दीस सारतालीं. सरदारान हो धाबो सुरू करतकच मात तांकां बरे दीस आयले. पयलीं धाब्याचे उबारणे खातीर गंवडे, मेस्त आनी हेर लोक यो वच करताले. धाबो तयार जाय मेरेन जायतीं कामेरीं आनी मानाय येताले. तांचे रगत पियेवन सगळीं जळारां तट्टटीत जाल्लीं. ज्या दिसा त्या धाब्याचें उक्तावण जालें त्या दिसा तर तांकां मेजवानीच मेळ्ळी. घे चोंब्यांनी लोक. बायलोय ह्यो मोठ्यो-मोठ्यो आनी कसलेच भान नाशिल्ल्यो. कांय जुवान जळारां तर नाका थंय वचून रगत पियेवन आयलीं.

पूण ताचो हो आनंदोत्सव चड काळ तिगलो ना. उक्तावण जावन आयज पांच दीस जाले एकूय गाडी हांगा रावली ना. ना रातची ना दिसाची. पयलीं तेपार गोरवां आनी राखणे तरी येताले पूण सिंग सायबान चारूय कडेन वंय घातिल्ल्या कारणान पयसुल्ल्यानूच मेळटा तें तण खावन तीं पासार जावपाक लागली. धाब्यार मनशां तीन. एक रांदपी पूण तो सदांच रांदनीत. जंय फकत धुंवर आसतालो देखून थंय जळारां पावनासलीं. ताचे पोट पळोवन सगळ्यांक दिसताले एक चोच मारल्यार पुरो. म्हयनोभर कांयच नाका. दुसरो वेटर, तो सदाच सादूर आसतालो, दिसाक कमींत कमी धा जळारांचे खून करतालो. आनी तिसरो सरदार. पूण तो पांयां कडेनूच कॉयल लावन दवरतालो.

सगळ्या जळाराक दिसले आनी दोन दीस काण आयलो ना जाल्यार सगळी पिळगी ना जातली. सगळ्यांनी ताच्या म्हापुरुसाक नमन करून गाराण घाल आनी ख्र यांनीच गाराण्याचें निमण हंय सागच्या म्हणाच पयलीच धर्वीकुल्ल स्कोडा गाडी थंय येवन थांबल्ली. भुरग्या वाळाक धवन सगळ्यां जळारांनी वांगडाच धाव्या कडेन धांव मारल्ली. सगळ्या जळारा भितर 'ता' जळार आनी 'ती' जळार लेगीत आसली. आपल्या दोन धल्या वांगडा गाडयेतल्यान लोक देवले आनी धाव्यार भितर सरले.

"नया खुला है क्या?" एकल्यान विचारले.

"हा साब, चार दीन पाल्ले. आइये, बीठिये. ये जुगनी, साब को अच्छा सर्वीस देना." सरदाराक खास जाल्ली [illegible]. ताणे बगीन बगीन फॅन लायलो. फॅनाच्या वाऱ्या सरशी जळाराक तांचे वारी बसपाक जमना जाले. फॅन लेगीत नवोच आसलो आनी आपल्या [illegible] जागतालो. म्हातारे आनी भुरगी जळारा [illegible] रावले पुण तरणाटे जळारा [illegible] लागले. थोडो वेळांनी [illegible] कडेन [illegible] कमी एक घास मेळच्यार पुरो जाल्लो.

'ता' जळारान [illegible] कसले हाल्ली [illegible] अदमास घेतलो आनी तितल्यान ताणें पळ्यलें. गाडयेन एक बाइल्ल मनीस आपल्या [illegible] फुडें एकटीच बसल्ल्या. [illegible] आनीक [illegible] हेर जळाराक [illegible] धांव मारली. ताणे एक मोटी उडी मारली. पुण ती उडी आदळली गाडयेच्या ग्लासाचेर. [illegible] एक पाय [illegible]. [illegible] भितर रिगपाक हे आशेन ताणें [illegible] सुरवात केली. पुण [illegible] खयच नासली. ताणें [illegible] दार उगडटा बराबर भितर सरपाचें आनी रगत पिवून [illegible] भायर येवपाचें. अशें म्हणून तो थयच [illegible] लागलो.

जेवपाक [illegible] लागले. [illegible], कोण बावलें खावपाक [illegible]. आनी एकल्यो तर [illegible] 'ता' जळाराक कळ्ळें जुवान जळारा जी बेरिना कडेन दाणा [illegible] बसून आसल्ली ताणी पोट भरली तर? ताणी [illegible] लागी येतना [illegible] ते सरशी पिक–पोक म्हण आवाज आयलो 'ता' जळार [illegible] भितर. ताणीं दार काडले ते सरशी 'ता' जळार

भितर सरलो.

"जरा ग्लास निचे करो ना. बाहर की हवा खायेंगे. थोडा एसी बंद करते है." ते बायलेन आपल्या धोवाक म्हणले.

"नही रे बाबा, इधर मच्छर बहुत हे. चार पांच किलो मिटर जाने के बाद खोलेंगे." ताणें म्हणलें

तांचे हे संभाशण आयकून 'तो' जळारान पाड पडूं त्या रक्ताचें आनी भुकेचे म्हण भायर धांव मारपाचो यत्न केलो. पूण ताचे पयलींच पिक-पॉक आवाज करीत दारां केन्नाच बंद जालीं. एसीच्या शितळ वार्यान तो आपली भूक मात्शी विसरलो पूण चड वेळ न्हय.

ताणे आपल्या अन्नाची तयारी सुरू केली. ताका दिसले पयली ड्रायव्हराक चाबचें पूण ताचे दुसरें मन म्हणपाक लागलें ना. ड्रायव्हर गाडी चलयता म्हणजे तो शिटूक आसतलो. रोखडोच आपणाक चाबला थंयच किरमून उडयतलो. धोवाक चाबचे म्हणल्यार तो लेगीत गझल आयकुपाक जागो आसा. बेठोच मरतलो हो विचार येतकच मात तो भियेलो. आपूण हांगा मरप समा न्हय. थंय घरची म्हजी वाट पळयतात. हांगा मेलो जाल्यार आपले अत्यसंस्कार कोण करतलो. आपल्या वाठारांत कोणेय चिडडून मारल्यार त्या वाठारांतल्यो मुंयो आमची प्रेतां हाडून घरा सोडटात निमण्या संस्कारां खातीर. पूण हांगा परकी वाठारात मेलो जाल्यार आत्मो तळमळत रांवतलो. शी! शी!! नाकाच ते. मात्शी भूक आडोवया. ही मनशां परत येतलीच न्हय. तीं उलयतना हांवे आयकलां.

"खाना अच्छा है और धाबा भी नया है, वापस जाते वक्त इधर हि खाना खायेंगे."

तांचे उलोवणे खूब वेळ आयकत रावले उपरांत ताच्या लक्षात आयलें, तीं शिर्डी दर्शनाक वतात. दोन दिसानी परत पावपाचीं. चलीं जावची म्हण तांणी आगवण केल्ली. ती पुराय करपाक तीं वताली. गाडयेत एक ल्हान भुरगें आसा. हे तो इतलो वगत विसरुनूच गेल्लो. सिटा पोदच्यान ताणे ल्हवूच भायर नदर मारली. ड्रायवर गाडी चलयतालो. बाकी दोगांय सुस्त न्हिदिल्ली. वांगडा तांचें भुरगेंय. वदळच्यान सिटा पोदा बसून, पांखां मात्शीं आडखल्ली कशीं जाल्यांत म्हूण तो भायर आयलो आनी ताणे फाटल्या सिटाच्या फाटल्यान एक पासय मारली. पूण ताज्यान पासय मारपाक जायना जाले. अशक्तपणा जाणवतालो. ताणे थारायले. घडये उपाशीं रावल्यार मरतलो हांगाच. ते बायलेची कूड ताणें

पळयली. कितली सुंदर गोरीपिट्ट. आपूण पोल्यार बसल्यार तीळ कसो दिसतलो. तो तिचें आंग सांसपुपाक लागलो. चाबपा खातीर. बोंबलेच कुशीक गो-यापिट्ट पोटाक ताणें घास मारपाचें थारायलें. पूण रोखडीच ताका ताज्या वचनाची याद जाली.

"लग्नाचे पयले रातीक हांव जावपी भुरग्याची शपथ घेवन सांगता हांव केन्ना परस्त्री कडेन वाकडे नदरेन पळोवचो ना. हात लावचो ना. जळार जातूच न्हय तर मनीस, जनावर खयचेच मादी जातीक हांव चोंच मारचो ना."

ताणे आपली नदर ल्हान भुरग्या कडेन घुवडायली. तें पोर सुस्त न्हिदिल्लें. निरागस, निश्पाप. ताचें तें रूप पळोवन ताका आपल्या भुरग्यांची याद आयली. "न्हिदल्यात आसतली कांय आता? कांय आवयक वेग मारून म्हजी वाट पळयत बसल्यात आसतली." ताणें थारायलें, भुरग्याक चाबप ना. आसूं उपाशी. देवाचें पूण्य भुंयेर उपाशी वचत जाल्यार चड पुण्य मेळटा.

गाडी शिर्डीक पावली. हाका दिसलें मनशा वागडा वचून साईबाबाचें दर्शन घेवन येवचें. पूण आपलें ह्या वाठारांतलें जात-भाय आपणाक राखडेच ना करतले. भायलो जीव ताका चलना. सिटा पोंदा तो तशेंच बसून रावलो. एक मन म्हणटालें तिर्थक्षत्रार मरण आयल्यार स्वर्गाचीं दारां उकतीं जातलीं. आत्म्याक मोक्ष मेळटलो. पूण दुसरें मन म्हणटालें आपलो स्वर्ग म्हणल्यार म्हजी बायल आनी म्हजीं भुरगीं. ताच्या फुडयांत मरण आयल्यार तें पुण्यक्षेत्रा परस चड धा पटींनी आपल्या खातीर मोलाचें आसतलें. किदेंय जावं. मरप बायलेचे मांडयेर अशें येवजून तो लिपून रावलो.

"आई, आई, गाडी आयली. बाबाक घेवन गेल्ली गाडी आयली." तीच स्कोडा धाव्या मुखार उबी रावली. वचपा वाटेर भुरगें न्हिदिल्लें म्हूण ती बायल गाडयेंतल्यान भायर सरूंक नाशिल्ली. पूण वतना घोवान खाणाची तुस्त केल्ली म्हूण आयज ती भुरग्याक घेवन सकयल देंवली. दोन दीस पोटांत रक्ताचो एक कण लेगीत वचूंक नाशिल्यान 'तो' जळार अर्दमेल्लो जाल्लो. आपल्या वाठाराची सुलूस ताका लागली. ल्हव ल्हव तो सिटा पोंदल्यान भायर येवपाचो यत्न करपाक लागलो. पूण तो भायर येवचे पयलींच तें बायलेन बेगी-बेगीन गाडयेचें दार मारलें. ड्रायवर गाडयेंतल्यान अजून देंवूंक नाशिल्लो. उदक मारपा खातीर तो बाटली सोदतालो. सिटा पोंदा ताका बाटली दिश्टी पडली. बाटली काडपाक ताणे हात घातलो मात ताका 'तो' जळार थंय दिश्टी पडलो.

शिर्डी गाडी पार्क केल्या थंय ताका जळारांनी बरोच फोडून काडिल्लो.

“साले, रात भर उधर मुझे सताया और अब इधर मजे से सो रहा है. चल अब बदला लेता हुं.” अशें म्हणत ताणें दोन बोटांनी धरून ताका भायर काडलो. ‘ती’ जळार एकूच आकांत करपाक लागली. पूण कायच उपेग जालो ना. ड्रायव्हरान दोन चिमटींनी ताकां किरमिलो आनी सकयल उडयलो. ताणें आपल्या बोटाक पळयलें. जळार चिडिले उपरांत बोटाक मात्शें रगत लागपाक जाय आसलें. पूण आपल्या बोटाक दाग ना तें पळोवन ताकाय अजाप जालें. ‘ती’ जळारान आपल्या घोवाक उखल्लो. मात्सो जीव उरिल्लो. पूण मरतना लेगीत ताच्या चे-याचेर धादोसकायेचो अंश दिसतालो. ताणें इतलेच म्हणलें. “मोगा, तुजे मांडयेर मरपाचें सपन आशिल्लें. पुराय जालें...!”



कन्यादान

इंडो पेट्रोलियम कार्यालय

अमन अस्वस्थ आसा. सगळे अहवाल, व्यवसाय वृद्धी यवजण्यो हांचे पुराय पेपर ताणे आपल्या लॅपटॉपाचेर तयार करून दवरल्यात. आयज कॉर्पोरेट ऑफिसातल्यान कंपनीचे मुखेल अधिकारी आयल्यात. पुराय वर्सभर जाण एक अधिकाऱ्याच्या कामाची आयज मिमांसा जातली. खयच्या अधिकाऱ्यान कंपनीक चड फायदा करून दिलो, खयच्या अधिकाऱ्याची फुडली कार्यावळ आखणी कशी आसा हाच्या तोलामोलाच्या उपरांत आयज एकाक बढती मेळटली. फाटल्या वर्साचो निर्याळ घेतलो जाल्यार अमर आनी अविनाश फुडें आसात. पूण भविश्यांतल्यो यवजण्यो तितल्योच म्हत्वाच्यो. आयज वट्ट धा जाण सादरीकरण करतले. मागीर दनपार मेरेन कळटलें कोण जैतीवंत थारलो तो.

उमेशान वर्सभर त्रास काडल्यात. आयज निमणे घडयेर ताका पराभव सहन जावचो ना. देखून आयज तो एका म्हत्वाच्या वेळार ऑफिसात आसा. रक्षंदा, ताची बायल काल रातच्यान हॉस्पिटलांत आसात. दोतोरान आयजची तारीख दिल्या. काल तिनसांजेच्यान ताका अस्वस्थ दिसपाक लागलें देखून, ताणे रातचेच ताका हॉस्पिटलांत दाखल केलें. रातभर ताचे कुशीक बसून ताणे आपल्या सादरीकरणाचेर निमणो टच दिला.

इकरा वरांचेर सगळे कॉन्फरन्स रुमांत पावले. सामकार पावरपॉयंट प्रेझेंटेशनाची सगळी तयारी पुराय आसा. सगळ्यांचें काळजां धकधकपाक लागलीं. उंचेल्या पांवड्या वयले अधिकारी हे पूण मुलाखत म्हणल्यार हड्डे धडधडपाकूच जाय.

“गुड मॉर्निंग एव्हरीबडी” अशें म्हणत मोठे अधिकारी भितर सरले. प्रत्येकाची वळख आनी फाटल्या वर्साचो निर्याळ आयकतकच पयल्या तिगांक भेटवस्तू दिवपाची कार्यावळ जाली. इतल्यान अमराच्या मोबायलाचेर एसएमएसाचो

बीप वाजलो. मॅसेज वाचता आसतनाच ताच्या चेऱ्या वयलो भाव बदलत गेल्लो. ताका थंयचे थंयच डान्स करचो अशे दिसपाक लागलें. मॅसेज आसलो ताचे बायलेचो. "congratulations you are blessed with sweet daughter. All the best for your presentaton". आनंद कित्याक जावचो ना. लग्न जावन आठ वर्सांनी तांकां भुरगें जाल्लें. खूबश्या जाणांनी ताच्या चेऱ्या वयले भाव वाचून ताका नदरेंतल्यानूच परबीं भेटयलीं.

"सुरवातेक कोण येता. जाचें सादरीकरण जालें तो भायर वचपाक मेकळो. ताच्यान जाय जाल्यार बसपाक जाता." हरशीं सुरवातीक सादरीकरण कोणाक नाका आसता. पूण अमरान हात वयर केलो आनी मुखार आयलो. "ऑल द बॅस्ट अमर" अशें ताच्या बॉसान म्हणलें. आनी अमरान आपलें सादरीकरण सुरू केलें. ताच्यो दर येवजण्यो दोळे दिपकावपी आसल्यो. अधिकाऱ्याच्या चेऱ्याचेर तृप्ततायेची मिरी दिवन ताळयांच्या कडकडाटान ताणें आपलो लॅपटॉप बंद केलो.

"थॅंक यू व्हेरीमच सर. I am taking your leave. दोन वरां पयलीं म्हाका चली जालां" परत एक फावट ताचेर अभिनंदनाचो शिंवर जालो.

भगतसिंग हॉस्पिटल

शारांतलें एक नामनेचें आनी श्रीमंत लोकांचें हॉस्पिटल. गरीब फकत पयसुल्ल्यानूच हे हॉस्पिटल पळोवपाक शकतात. देशांतल्या नामनेच्या उद्येगपतीन ते बांदला. पूण नांव मात भगतसिंगाचें. अमर धांवतच भितर सरलो. मुखेल दारा कडेन आशिल्ले लिफ्टी कडेन लोक उबे आशिल्ले. लिफ्ट पांचव्या मजल्याचेर आसा ते वण्टीचेर कळटाले. रक्षंदा दुसऱ्या मजल्याचेर आसा. अमराक पासियेस ना. तो धांवपाक सुरवात करता. दोन सोंपणा एका धेंपात मारता आनी खर्शेत दारार मारता. रूम नं. २१०चें दार उकतें जाता. रक्षंदा खाटीर न्हिदलां. अमराची सुलूस लागली म्हूण ते दोळे उगडटा. बाळंतपणाचे त्रास चे याचेर दिसताले. पूण तेच बराबर आवय जाल्ल्याची धादोसकाय. "थॅंक यू रक्षंदा" अशें म्हणत धांवत वचून तो ताका वेंग मारता. "आवयस!" असो अस्पश्ट आवाज रक्षंदाच्या तोंडातल्यान भायर पडटा. "ओ आय एम सॉरी। म्हजे बाय खंय?" अशे म्हणत तो पाळण्या कडेन नदर मारता.

"ताका स्वास घेवपाक त्रास जाताले म्हणू आतांच नर्सीन व्हेलां. तुका

पळोवपाक जाय जाल्यार रूम नं. ५०१त चल. थंय दवरलां ताका ऑक्सिजन लावन. आनिकूय भुरगीं आसात". रक्षंदा ताका सांगता.

"वरें हांव वता थंय" अमर दारा वटेन पावलां मारता.

"पूण तूं ताका वळखतलो कसो? सगळीं भुरगीं सारकींच दिसतात.

"म्हजे बाय तें. म्हाका पळयना फुडे "पापा" म्हणटलें".

"पिसो रे पिसो" अशें रक्षंदान म्हणलें पूण आयकुपाक अमर खंय आसलो तर? ताणें कन्नाच धाव मारिल्ली.

रूम नं. ५०१

खुबशी ल्हान, निकतीच जल्माक आयिल्लीं भुरगीं हांगा सुस्त न्हिदिल्लीं. प्रत्येकाक कितें ना कितें जल्मदोश आसलो. त्या रुमान भितर सरपाक भायल्या मनशाक मनाय आसली. रुमाचे एके वटेन पुराय ग्लासाची वणट आसली. त्या ग्लासा कडेन उबे रावून खोंयूय आपलें भुरगें पळोवंक शकतात. तो पुराय रूम म्हणल्यार शब्दुलींचो बगीचो म्हणल्यार जाता. अमरान आपले चलयेक दोळे भरून पळयलें आनी ग्लासा कडेन आशिल्ल्या बाकड्याचेर खूब वेळ बसलो. आपले चलयेच्या फुडाराचीं सपनां रंगयत

रूम नं. २१०

रक्षंदाचे खाटीचेर अमर ताचो हात हातांत घेवन बसला. सांजची चार वरां जाल्यांत. "तुका खबर आसा, हांव आयज कितलो व्हड मनीस जालां. म्हज्या बायलेचो पायगूण पळय. आयज हांव यंग इंटरनॅशनल कंपनीचो, पुराय देशाचो उपाध्यक्ष." रक्षंदाचे हात चिडकेत अमर सांगतालो.

"बायलेचो पायगुण काय तुजें मेहनत आनी अभ्यास रे?" रक्षंदान विचारलें.

"म्हाका खबर ना, हांव आयज खुशालभरीत आसा." अमर.

इतल्यान दारा वयली बेल वाजली. एक नर्स मालशी फाचाबूल जावन भितर सरली. "मि. अमर, तुमका दोतोरान बगीन आयसीयूंत आपयल्यात." इतलें सांगून ती दार मारून भायर सरली.

आयसीयू

आयसीयू रुमाच्या भायर खासा विझिटिंग रूम आशिल्लो. लागसारच

एक कॉन्फरन्स रूम. थंय दोतोर गायतोंडे बशिल्ले. अमर बेगीन भितर सरलो.

"यो अमर, बस. आमी खूब यत्न केले. तुजे चलयेचे स्वासनलिकेची वाड पुराय जावंक नाशिल्ली. नाका कडल्या भागा कडेनूय मातशी नड आशिल्ली. वैजकी शास्त्रांन सांगल्या ते सगळे यत्न आमी केले. पूण तुजे चलयेक वाचोवपाक शकले नात. She is dead आमकां माफ कर" अमराच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवपाक लागलीं. ताणें खूब सपनां पळयल्लीं. तीं सगळीं मातयेभरवण जालीं. दोतोर गायतोंडे ताच्या खांदार हात दवरून ताका सांबाळपाचो यत्न करतालो. पूण अमर आंवडो आडावपाचे शिमे भायर गेल्लो. नर्सीन हाडून ताका उदक दिलें.

खूब वेळ रुमांत शांतताय आशिल्ली. अमराचो मदीं मदीं फोन वाजतालो आनी बंद जातालो. "अमर, तुज्या भुरग्याची कूड तूं व्हरूंक शकता निमणे संस्कार करपा खातीर. पूण आमची एक विनंती आसा. उंचेलें शिक्षण घेतिल्लो मनीस तूं म्हूण तुका सांगपाचें धाडस करतां. हिंदु संस्कृती प्रमाण जल्माक येत सावन वेगवेगळे धर्मीक संस्कार करतात देखून निमणे संस्कार गरजेचे. पूण तुज्या बाळकान दोळे उकते करून विश्व पळयलेंच ना वा कसले संस्कार करून घेतले नात. धाडस करून विचारतां. तुज्या भुरग्याची कूड आमकां मेळत? तुजी चली वाचली ना पूण ते कुडीचो अभ्यास करून फाल्यां जावपी दोतोर खुबशा भुरग्यांक जिवदान दिवपाक शकतले! म्हाका खबर आसा ते शक्य ना. पूण प्रयत्न करून पळय." दोतोर गायतोंडे उलयत राविल्लो आनी शुन्यांत नदर लावन अमर सगळे आयकतालो. घडयाळाची टीक-टीक तितलीच त्या रुमान आयकुपाक येताली. शांतपणान अमर उठलो.

"दोतोर, म्हजे धुवेचेर सगळे संस्कार हांव वांगडाच करतलों. कूड तुमकां मेळची ना. म्हाका माफ करात."

"तुका जाय तशें. सांजेचीं सात वरां जाल्यांत. रातचे निमणे संस्कार करनात. फाल्यां सकाळीं बॉडी तुचे सुवादीन करतां. नर्स, पेपर तयार करतली." अशे म्हूण दोतोर भायर सरलो. पूण वच्चे पयलीं अमराच्या खांद्याक थापटुपाक विसरलो ना.

रूम नं. २१०

दार उकतेच आशिल्लें. अमर भितर सरलो. दोळे तांबडेच जाल्ले. ताणें

दार लायलें आनी रक्षंदाक वेंग मारून मनसोक्त रडपाक लागलों. स्वत सावरपाचें सोडून ते ताका थारोवपाक लागले. "अमर म्हाका कितले वायट दिसलां आसतले. नर्सीन म्हाका वदळूच सांगित्लें. देव दिनलो आमकां. स्वताक सावर. खूब वेळ दोगांय हय न्हयशी रडत रावली. रातचें जेवण थंयच पडून उरिल्लें. दोगांकूय केन्ना दोळो लागलो कळ्ळेंच ना. मद्यान रातीर अमराक कसल्या तरी आवाजान जाग आयली. दोळे उकते करून पळयत जाल्यार ताचें चलयचें पाळणें हालतालें. ताच्या आंगाक धाम सुटलो. पाळण्यांतल्यान ताची चली खरेंच उठून उबी रावली आनी पाळण्यांतल्यान देवून ताचे कुशीक येवन बसली.

"पापा भियेला? म्हाका किते भियेवपाचें. हांव तुजे चली, तुज्या रक्ताचें घाम पूस पळोवया. तुका किते सांगपाचें आसा."

"किते सांगपाचें आसा?" धाम पुशीत ताणें विचारलें.

"म्हजी कूड तूं हॉस्पीटलाक दी. ताका म्हजेर अभ्यास करून खूबश सोद लावपाचे आसात."

"ना बाय. ते तुका अभ्यासाच्या नांवान चिरतले. तुज्या शरिरांतल्या दर एका अवयवाचें कुडकें कुशीक काडून परत बसयतले. परत शिवतले, परत कातरतले. हांव ना. तुजेर अत्याचार जावपाक दिवचो ना. पापा हांव तुजो."

"पापा! हांव समजा जल्माक आयिल्लें तर म्हजेर थोडे अत्याचार जावपाचे? कडल्ले जाल्यार हांव तुजे सारकें सादीत दिसतलें. मागीर समाजांत वावुरपी खूबश राक्षस म्हाका वासनेच्या नदरेन पळयतले. कॉलेजीत, ऑफिसांत म्हज्या आंगाक निमीत मेळटा तेन्ना हात लागतले. आयज कितले बलात्कार जातात तुका खबर आसा मू? त्या अत्याचारा परस हो अत्याचार परवडलो. जल्मल्या उपरांत शारिरीक आनी मानसीक दोनूय अत्याचार सोसचे पडटात."

"तुका उलोवपाक किते! तुका तशें ते कवचाच्या डब्यांत सासणाचें बंद पळोवन म्हाका किते दिसतलें हाचो विचार केला तुवें?" दुकां पुशीत अमर उलयतालो.

"हांव भौसाच्या कल्याणा खातिरूच त्या कवचांचें फास्केत बंद उरतलें. कडल्या गोंयचो सायब लोकाच्या कल्याणा खातीर आपली कूड दवरून गेला ते पळयलां न्हय तुवें? मान्य! तुका मातशा वेदना जातल्यो. पूण म्हज्या लग्नाक म्हजें जेन्ना कन्यादान तूं करतलो तेन्ना तुका कितल्यो वेदना जातल्यो हाचो विचार केला

तुवें? आयज ना फाल्यां म्हजी कूड तुका कोणाक ना कोणाक सोंपोवपाचीच आसा लग्नां निमतान. म्हज्या शरिराचो अभ्यास करून जर फाल्यां एक खांपो दोतोर तयार जालो जाल्यार म्हज्या आत्म्याक कितली शांतताय मेळटली. आनी तुज्याय लेगीत. आयकता न्ही पापा?"

अमराक रातची उलयतां उलयतां केन्ना न्हीद आयली कांयच कळ्ळेंच ना. उठून पळयत जाल्यार रक्षंदा जाग्यार नासलें. ताका बेठीच भिरांत दिसली. तो नर्सीक आपोवपा खातीर बेल मारपाचो इतल्यान दोतोर आनी नर्स भितर आयली.

"नर्स रक्षंदा खंय?" अमरान विचारलें.

"तुजी बायल सत्कर्म करपाक गेल्या. काल ती लेगीत ना म्हणटाली. पूण सकाळीं स्वता जावन आयली. आपलें दूद दान करपा खातीर. ह्या सगळ्या कागदपत्रांचेर सायन कर. तुजे चलयेची बॉडी तुका मेळ्ळी म्हण? पूण परत निमणे विचारतां, Can you donate?" अशें दोतोरान म्हणलें.

"No way" अशे उद्गार ताच्या तोंडांतल्यान भायर सरचे पयलींच पाळण्यांतल्यान आवाज आयलो, "पापा करता न्ही म्हजें कन्यादान!"



काणी पांचशेंची

"फायनल प्रूफ रिडींग जावन हांव थोड्याच वेळा भितर जल्मांक तयार. मनात भोव उत्कंठा आसा. भायरचें जग पळोवपाची आसा. वांगडचे उलयतात आमची पावर खंय 'सॉलीड' आमी किदेंय करूं शकतात. संवसार जाय जाल्यार कावार करूंक शकतात खंय आमी. पूण आमी तो मुद्दामूच कावार करिनात. संवसार कावार जाल्यार आमकां मोल खंय आसा मागीर. संवसार आसा म्हण आमचें अस्तित्व आसा. पूण आमी खंय 'पावरफूल'. जालें कटींग सुरू जालें... थोड्याच खिणा भितर म्हाका म्हज्या... आयगो! केदो कडक ब्लेड तो... देवा आतां तूं सोडय... म्हणजे मनशाच्या जल्माक प्रसव वेदना आनी आमकां हें कटींग... आयय! आयय! दांत बंद करतां हांव... फटाक... खट ...टूं... एक हांव तयार... अरकदीन... म्हजें नांव पांचशेंची नोट. थोड्याच वेळान सगळे आपल्याक पुराय करून एक वंडल बांदलें आनी मागीर जनतेच्या हातान... लाखसानांचेर शेक गाजोवपाक.

"टोकन नं." बँकेच्या कॅशियरान म्हणलें आनी गिरायकाचो धनी कॅशियरा सामकार उबो रावलो. दोगांय हांसले. "आसाप किदेंय भायर करात... म्हाका संवसार पळोवचो आसा... म्हजी उमळशीक समजून घेयात." हांवें म्हणलें. पूण तें ताका समजलें ना. म्हजी गजाल उरली, ताची वेगळी.

"घेयात सर, तुमचे पन्नास हजार." कॅशियरान म्हणलें आनी हांव ज्या वंडलांत आसां तें वंडल त्या मनशाच्या हातांत दिलें. तागेलें हें वटेन तें वटेन वळेंच तळ्ळें आनी आमकां आपल्या धामकेच्या वॅगेंत घालें. आशान घुसमटलों. जीव नाका जालो. आमकां आपलें गाडयेन घेवन तो बरोच भोंवलो जावं येत. हे कमरेक बसपी धगाशा वयल्यान फुडारलें सूर्य अस्तमतेक पावलो आनी तागें आमचें वंडल भायर काडलें. हा खिणा सावन आमचो प्रवास खरपणान सुरू जालो. वंडला भितरले प्रत्येक नोटीन वेगळे ही आमचा निमणी सांगात. आता

थोड्या वेळान आमची सासणाची ताटातूट... परत केन्नाच न मेळपा खातीर. शंबर नोटींनी एकामेकाच्या गळ्यांत गळो घालून दुकांक वाट करून दिली. एकामेकाक दोळे भरून पळोवन घेतलें.

"कल्लाप्पा बा रे?"

"अम्माव्वा इल बा रे?"

"बा रे लगू ... लगू."

असो संवाद सुरू जालो. एकटो एकटो येतालो. आमच्या भितरल्यो कांय नोटी घेवन मेजत बसतालो. हे सगळे मजूर वर्गातले लोक. पुराय सप्तकभर सकाळ ते सांज मेरेन मरसर काम करप. कोणाचीं गटारां मारप, कोणाचे दुरीग बांदप. आठ-आठ माळयांच्या बिल्डिंगांचेर कायली वयर-सकयल करप. केन्ना केन्ना लोकाच्यो एसी गाडयो धांवपा खातीर घामा वांगडा, रस्त्याचेर दांबर ओतप, शेनवारा सांजेचे मुकादमा कडल्यान पयशे घेवप आनी आठवडोभर धुकलपा इतलो बाजार करप. दिसभराचो शीण घालोवपा खातीर रियल व्हिस्केचो कॉटर उदका वांगडा एका घोंटान नाच्च करप. सपन एकूच, फाल्यां मुकादमान म्हाकाच व्हेल्यार पुरो. दुर्गाप्पाचो हिशोब पुराय जाल्लो आनी चार नोटी वांगडा हांव लेगीत ताच्या हातांत पडली. आमकां पळोवन ताच्या दोळ्यांतली चमक खूब किते सांगताली. जसो काय ताका ताच्या पुर्वजांनी लिपोवन दवरिल्लो दुडवांचो कळसोच मेळिल्लो.

भायल्या जगांत आयज म्हजी पयली रात. नशीब पळयात. खोंपींत आमची पयली रात. चारां भितरली एक नोट दुर्गाप्पा आयज सांजचो घेवन गेल्लो. रातचो आयलो तो हालत हालत. आयज ताचे बायलेन येतना मटण हाडिल्ले. भाकऱ्यो थापून ती ताचीच वाट पळयताली. तांचीं दोन भुरगीं केन्नाचीं न्हिदिल्लीं. ताणें सुमार पांच भाकऱ्यो कांयच न्हय कश्यो खाल्यो. बायल आयदनां घासपाक भायर गेल्या मात. ताणें तिका ओडीत खोपींत हाडली.

"पयलीं आयदनां घासून येतां. फाल्यां मागीर बरें पडटलें." अशें तिणें लजत लजत म्हणले. पूण तिचीं उतरां सोपचे पयलींच दुर्गाप्पान तिच्या पोलक्याची बुतांवां सोडून मेकळीं केल्लीं.

***

आयज आयतार. फोंडें बाजारांत आयज खास मजुरां खातीर बाजार

भरता. सगळे विकपी कन्नड उलोवपी. दुर्गाप्पान आपले, खाकी रंगाचें कालसांव आंगार चडयले आनी कालसावांच्या त्या खोल खोल बोलसा भितर आमकां दवरल्यो. वांगडा कांय शंबरांच्यो नोटी आसल्यो. ताकां सो-याचो वास मारतालो आमकां परत परत ओंकारी यवपाक लागलो.

“ह लोक खर. खर घामाचे पयश घेवन येतात.” पत्तरकार कोणाक तरी सांगतालो. म्हाका अभिमान दिसलो. आमची सुरवात बरी जाली. एका कश्टकाराच्या हातान आमची [illegible] जाता. [illegible] मानले ते खातीर. दुर्गाप्पा आनी ताची बायल [illegible] वस्तू घेवंक पयली [illegible] वस्तूंचो दर विचारताली. पूण [illegible] घेताली. [illegible] घेतना [illegible] पूण [illegible] 555 [illegible] सावणूक पडटालो. [illegible] सामानाचें पत्तरकारान बील केलें [illegible] आमी तीनूय नोटांनी एकामेकाक बाय केलें. [illegible] खातीर [illegible]. [illegible] आमच्या [illegible] मेळटाली.

[illegible] आसली.

[illegible] आपले [illegible] पाट आयलें [illegible]. एक [illegible].

“[illegible]” [illegible] दिसालें.

“[illegible] दवर.” पत्तरकार आपल्या [illegible] सांगतालो. [illegible] आनी लायटी

“[illegible] आनी निमणी रात. [illegible] खबर.” जाणटे नोटीन म्हणलें.

पत्तरकार [illegible] पाचशांची

बंडलां वेगळीं आनी चिल्लर वेगळी. ही चिल्लर म्हणल्यार एक मजाच कशी. आयज दीसभर हांणी आमची मनरिजवण केल्या. तांचो खळ, खळ. टण टण आवाज आयकत रावन दिसता. हांवें थारायल्लें दुकान बंद जाल्या उपरांत रातभर हे चिल्लरी कडेन खेळत बसपाचें. सगळ्या नोटींचीं बंडलां तयार जाल्लीं. एकामेकाचे उबेन सगळीं खूश जाल्लीं. चुळबूळ फकत वयल्या आनी निमण्यां नोटींची आशिल्ली. तांकां खंय तो रबरबॅण्ड लागतालो. पूण म्हाका कळना जाले म्हाकाच कित्याक वेगळी दवरल्या. हांवें पसरकारा कडेन नदर भारली. तो नोटी मेजतालो आनी एका दोळ्यान म्हाका पळयतालो आनी गालांतल्या गालांत मुमुरख्यां हांसतालो. हिशोब पुराय करून पसरकारान देवाक नमस्कार केलो आनी पयशांचें पास्त हातांत घेतलें. म्हाका दिसलें म्हाका व्हरना दिसता. बरें जालें. रातभर चिल्लरी वांगडा खेळपाक मेळटलें. पूण ताणें म्हाका घेतली आनी वयल्या बोलसांत घाली. पसरकारान पास्त घरा व्हेलें आनी तिजोरेत दवरलें. कांय वेळान म्हाका घेवन पद गुणगुणत येवन आपले गाडयेंत बसलो. गाडयेचे एसींत म्हाका मातशे बरें दिसलें. “रेशमाच्या रेघांनी, लाल काळ्या धाग्यांनी...” पसरकार पद गुणगुणटालो. आयकुपाक मजाशी येवपाक लागली. गाडी थारली थंय पळय जाल्यार जात्रा भरल्या. खूबश्यो बायलो साजश्रृंगार करून आपापल्या जनेला कडेन उब्यो रावून दादल्यांक आव्हान दीत आसात. किते समजुपाचें तें हांव समजलें. घडये हीच आसत रेड लायट एरिया. म्हाका घेवन आयलो पसरकार. घडये सदांचोच हांगा येवपी आसतलो. ताणे गाडी एका जाग्यार पार्क केली. बोल्स उगडून म्हजे कडेन एकदा पळयलें आनी तो माळी चडपाक लागलो.

“आजा सावकार, आज देर हो गई.” एके बायलेन म्हणलें.

“हा चमेली, थोडा जादा कमाया आज. चल अदर चल.” दोगांय एके कुडींत आयलीं. थंय फकत एक खाट कशीबशी आंग चोरून बशिल्ली. ते काळखे कुडींत म्हजो जीव घुसमटपाक लागलो. पसरकारान आंगा वयलो शर्ट काडून खुटयेक लायलो. तो मेरेन चमेलीन आपलीं सगळीं वस्त्रां आंगा वयल्यान देवयिल्लीं. जशीं कांय तीं वस्त्रां तिका पुराय दीस तोपतालीं. काल रातीय हांवें दुर्गाप्पाचो श्रृंगार पळयिल्लो आनी आयज ह्या दोगांचो. पूण फरक केदो. दुर्गाप्पाचे कपडे ल्हव ल्हव काडटना दुर्गाप्पाची बायल कितली लजताली आनी हांगा फकत सोपस्काराची भावना दिश्टी पडटाली. काल राती मोगाचो

वेव्हार चलिल्लो जाल्यार आयज म्हज्या नेटार वेवसायाचो वेव्हार चल्ला पसरकार पयशान पयशे वसूल करतालो तें म्हाका स्पश्ट दिसतालें. मागीर आनी हांवें मुखार पळयलें ना. दोळे बंद केले आनी शर्टाच्या बोल्सांत पडून रावलीं.

"आज क्या खाकर आये थे. पुरा नोच डाला. तुम में कुछ बात है. तुम्हारे पहले तीन के साथ साई मगर मजा नहीं आया." ती बडबडटाली आनी कापडां आंगार चडयताली. पसरकारान म्हज गामटेक हात घालो आनी चमेलीक दाखयली. चमेलीन म्हाका पळयली आनी आपल्या पोलक्यांत रिगयली. तिच्या हडड्या वयल्यान अजून घामाचे थेंब देंवताले. म्हाका तो घाम सोसपाक जायना जाला. पूण उपाय नासलो. म्हजें खरखरीतपण त्या घामाक लागून मातशें मोव पडलें म्हणल्यार जाता. पसरकार केन्ना गेलो कळ्ळेंच ना.

***

फांतोडर चारांक हो बाजार कमी जालो. गिरायकां कोणूच दिश्टी पडना जालीं. पुराय रात धंदो करपी बायलो आता निवांत दिसपाक लागल्यो. तोंडा वयलो साजश्रृंगार केन्नाच ना जाल्लो. आतां त्यो सगळ्यो बसून पयशे मेजताल्यो. कांय खूश जाल्यार कांय अशी नाखूश आसाल्यो.

"हां चलो निकालो आज का हफ्ता. जल्दी करो." एक आवाज आयलो. हांवें त्या दादल्याच्या आवाजा कडेन पळयलें. खाकी वर्देदलो तो पुलीस आसलो. प्रत्येक बायलेन भितरल्या भितर गाळी घालीत पांचशे पांचशे काडून ताच्या हातार दवरले.

"आमी लज भीड सोडून पोटा खातीर शरीर दादल्यांक आमचे कुडीचेर घेवन निदपाचें आनी पयशे हाच्या मकव्यावेर घालपाचे." एक बायलेन दुसरेक म्हणलें. पूण मल्ल्याळी भाशेंत. त्या पुलिसाक तें कळ्ळें ना. चमेली आयज खूश आसलें. ताणे म्हाका दोन बोटांचे चिमटेन धरलें आनी त्या पुलिसाच्या ताब्यांत दिलें. म्हाका दिसलें कांयच गुन्यांव करचे पयलीं हांव गुन्यांवकार जालीं. सगळे पयशे एकठांय करून पोलीस आमकां पुलीस स्टेशनाचेर घेवन आयले. थंय पयशांच्यो राशीच राशी. मटककाराचे हफ्ते, रातची उसरा बारां चलोवपी बारकारांचे हफ्ते. एकें म्हातारे नोटीक कळ्ळें हांव नविनूच आसा म्हूण.

"हे घडयेच्यान आमचें नांव ब्लॅक मनी म्हणजे आमी आतां अपवित्र

लोक." तिणें म्हाका सगळें विस्तारान सांगलें आनी म्हाका रडपाक येवपाक लागलें. कोणें तरी म्हजे शंबर कुडके करून म्हाका उडोवन दिवंचें अशें म्हाका दिसपाक लागलें. नाका हो जल्म. म्हज्या रडपा कडेन सगळ्या नोटींचें लक्ष गेलें. आमचीं बंडलां तयार जावपाक लागलीं. रबर बॅण्डाचो फांस गळ्याक लागपाक लागलो.

"आरे! राणे ती सुटकेस हाड. दवर ह्यो सगळ्यो नोटी." पुलीस निरिक्षकान हवालदाराक सांगलें. आनी दोन वरां खातीर कांय आसना सुटकेसीन हांवें हेर नोटीं वांगडा बरी न्हीद काडली. सपनां बी कांयच पळयलीं नात.

फांत्यापारार कोगळाचो आवाज आयकलो आनी मातशें प्रसन्न दिसलें. सिवील ड्रेसांतल्या दोन पुलिसांनी आमकां उबारून जिपींत घालीं. आनी गाडयो चलपाक लागल्यो. खंय व्हरताले देवाक खबर. सुटकेशी बंद आशिल्ल्यान आमकां भायले कांयच दिश्टी पडनासलें. "येऊन येऊन येणार कोण? पतंगा शिवाय दुसरा कोण... ताई माई अक्का... विचार करा पक्का." सारके आवाज कानार दणदण करून आदळपाक लागले. सुटकेशींतल्यान आमकां मेकळीं केली तेन्ना कळ्ळें आमी एका राजकी फुडाऱ्याच्या बंगल्याचेर आसांत. कार्यकर्त्याचो बोवाळ आनी गर्दी कोण केस खाजयता, कोण च्या दिता जाल्यार कोण एकटो बेठोच बॅनर्स उगडटा आनी परत गुंठलावन दवरता. पुलिसांच्यो सुटकेसी त्या फुडाऱ्या कडेन गेल्यो.

"कितले आसात रे?" ताणें पुलिसाक विचारलें.

"पांच लाख सायब." पुलिसान म्हणलें.

"आरे! मतदानाक दोन दीस उरल्यात. इतल्यान भागचें ना. मातशें काम करात. वाडयात आंकडो."

"हय सायब!" अशे म्हणत ते तडक गेले आनी सगळ्यो नोटी सुटकेसींत रडपाक लागल्यो. सगळ्यांक म्हजी काकळूटशी येवपाक लागली. काल पयर आयल्या हांव आनी नवी आसतनाच म्हजो प्रवास नाका थंय जाता तें पळोवन तांकां वायट दिसपाक लागलें. खूबश्यो नोटी म्हेळिल्ल्यो, कांय घामाक लागून काळश्यो पडिल्ल्यो. पूण हांव करकरीत आसतनाच भ्रश्टाचाराच्या धुल्लान लडबडटां हे पळोवन तांकां कशेशेंच जातालें.

"पोरा तुजी सुरवात बरी जावंक ना हां. अजून मुखार कितें कितें भोगचें

पडटलें देवाक खबर. आता तितल बर्गीन तूं देवाच्या पांयार पडपाक जाय. मातशें पवित्र जातलें." एक जाणटी नोट उलयली. आता म्हाकाय कळ्ळें म्हजी सुरवात जाय तशी जावंक ना. हांवें थारायलें. आतां फकत देवाचें नांव घेत रावपाचें.

"आरे मोहन, हागा या. हे सगळे पयशे सरपंचा कडेन आनी पंचां कडेन धाडून दी. तांकां सांग वाटांत म्हूण तीच्या भंडारांत. मतां कशीं पडपाक जायनात. कितलोय खर्च येवंदी." त्या राजकारण्यान म्हणलें.

जालें. म्हजो प्रवास परत सुरू जालो. सुटकेसींतली सगळीं भावंडां आमी वेगवेगळ्या हातांनी पडलीं. [illegible] आनी [illegible] पयशे घेवन आपले वाटेक लागले. हांवूय एकाच्या [illegible] आसलें. [illegible] बसून रावलें. देवा कडेन मागलें. [illegible] तशी प्रवास बरो जावंदी. [illegible] हांव बॅगांतून असलीं. रात जाली तशी तो पण [illegible] आमकां घेवन [illegible] तें कळ्ळें

"तुम्हारे घर में कितना नोट है ?"

"चार पात्रांव."

"हां ठीक है जी. और मत किसी पर मारना पता है ना." अशें म्हणत [illegible] एकल्याक [illegible] पत्रकां आनी नोटी [illegible]. [illegible] हातांत पडली. [illegible] दिसपाक लागली. [illegible] दुसऱ्या वास. [illegible] परत दुगोण्या कडेन पावली. पूण [illegible] खुशी ना. [illegible] दुगोण्या कडेन आविलेनी तेन्ना [illegible] म्हाका [illegible] कशें दिसलें. दुगोण्याच्या [illegible] अभिमान दिसतालो आनी [illegible] तांच्या [illegible] लागलो. [illegible] दुगोण्याक काय [illegible] प्रश्न [illegible] सालांच्या प्रवासा खातीर [illegible] आतां कळ्ळें नोटी [illegible] ? नोटी [illegible] आसात ? [illegible] नोटी तेन्ना आत्महत्या करतात.

काणी एका आनंदाची

सैमाची अपुरबायेची धूव 'सकाळ' निकतीच न्हावन तयार जाताली. सोबीत चली न्हावन भायर सरतकच तिच्या केंसातल्यान जशे उदकाचे थेंबे सकयल पडटात तशेच दवाकण तणाच्या पातयांचेर अळंग पडटाले. सैमीक वातावरण आनंदी आनी प्रसन्न आशिल्ले. काळजांत माग रिगयताले. सवण्यांचो किलबिलाट कानामनाक रिजयतालो. विश्वनाथ गुरूजीचो रेडिओ सुरान गितां गायतालो. पुराय वाड्याचेर हो एकूच रेडिओ नेमान गायतालो. लोकांक लेगीत रेडियोचो आवाज आयकले बगर सकाळ जाली अशे दिसनाशिल्ले. नगरपलिकेच्या नळाचेर कळशांचो घणघण चालू आसलो. घरांत उदक भरपा खातीर बायलांची सर्त लागिल्ली. पेपरवाल्या भुरग्यान निकतोच पेपर घातिल्लो.

"बाबा, तुमचो पेपर आयलो." नमीन गुरूजींक सांगलें. नमी हें गुरूजींचें पोसकें चली.

"आयलो गो पेपर? काडून वयर दवर" अशे म्हणत गुरूजी ऑल्तेर घेवन भायर बल्कावांत आयले.

'आगो, उदका खातीर किद्याक झगडटात. सकाळीं नळाचेर झगडप आनी दनपरां वांगडा बसून सासू-सुनेच्यो खबरी करप." झगडपी बायलांक धेगसो घालीत गुरूजीन ऑल्तेर उकते केलें आनी पेपर उगडो केलो. इतल्यान नमीन च्या हाडून स्टूलाचेर दवरली. गुरूजीक पेपरा वांगडा च्या लागताली. हो ताचो सदाचोच नेम. तांका क्रिकेट खूब आवडटाली देखून सदांच ते निमणे पान पयली वाचताले आनी मागीर सगळ्यांत निमणे, पयले पान. राजकारण आनी गुन्हेगारी खबरो पयल्या पानाचेर आसताल्यो. देखून सकाळी फुडें असले वाचप बरें न्हय असो ताचो भावार्थ आसलो. दोळे क्षीण जाल्ल्या कारणान पेपर वाचपाक तांका वेळ लेगीत चड लागतालो.

"बाबा आनीक च्या जाय?"

"हय, हाडल्यार चलता. आयज आयतार. पुरवणी वाचपाक वेळ चड लागतलो."

नमीन बेगीन हाडून च्यायेचो कप स्टुलाचेर दवरलो आनी पयलींचो कप घेवन भितर गेले. गुरूजींनी पुरवणी काडून कुशीक दवरली आनी पयल्या पाना वयल्यो खबरो वाचपाक सुरूवात केली. पयली पुराय खबराच्यो हेडलायन्स वाचप आनी मागीर त्यो विस्तारान परत वाचप ही तांची सवंय. आयचो पेपर वाचतां वाचतां तांचे दोळे एके खबरेचेर थिरावले. गुन्हेगाराचें नाव वळखीचें दिसतालें. 'आनंद वाघमारे' "सराईत घरफोड्या आनंद वाघमारे अखेर जेरबंद" खबरेन ताच्या कुकर्मांची पुराय माहिती दिल्ली. खूब दिस पुलिस ताका सोदताले खय! तांची नदर फोटोचेर गेली. हय! ताच तो! पूण कशें आसूं येता? अशें खूबशे प्रश्न ताका पडपाक लागले. घडशे फाप्टी असल्या लोकांची पुराय माहिती दुसर्‍या दिसा दिसाळ्यांनी येता. पूण गुरूजींक दोन दीस रावपाचें पासियेन्स नाशिल्ले. ताणी थारायले दिसाळ्याच्या संपादकाक फोन करप आनी माहिती घेवप.

"बाबा, च्या थंड जाली. इतली कसली खास बातमी आयल्या आज?"

"खास नासल्यार पुरो. तूं एक काम कर. ती थंड च्या व्हरून भितर दवर आनी ह्या पेपराच्या संपादकाक म्हाका मातशी फोन लावन दी." दिसाळें घेवन नमी भितर सरलें.

"बाबा रींग वाजता. बेगीन येयात."

गुरूजी बेगाबेग भितर गेले. तें बेट्यान 'हॅलो' म्हणपाक आनी हें वटेन गुरूजींनी फोन कानाक लावपाक गांठ पडली.

"हॅलो! हांव विश्वनाथ गुरूजी. हय हय! तेंच तें.

तुकाय नमस्कार! ... काम म्हणजे ... ! आयज तुमच्या पेपरार वाघमारे बद्दल जी खबर आयल्या ताची मातशी म्हाका माहिती जाय आसली... अशें? ना... मागीर फोन करतां" गुरूजींचो तर्क खरो जाल्लो. तो आनंद. ताचोच एक हुशार विद्यार्थी... सदांच गुरूजींचें आयकुपी. जाणट्यांक मान दिवपी. आनी आयज गुंड... घरफोड्या कशें शक्य आसा...? गुरूजींक सगळी भूंय गोल घुंवता अशी दिसपाक लागली. पांगातलें शक्त कोणेंतरी ओडून व्हेल्ले भशेन दिसपाक लागले. पंचवीस वर्सां फाटलो म्हजो आनंद कितलो वेगळो आसलो. घडये हो तो नासतूय बी. पूण संपादक निश्चीत करून सांगतलो. तांच्या दोळ्यांतल्यान दुकां

रकपाक लागिल्लीं. सुरकुत्यो पडिल्या पोल्यां वयल्यान दुकां वाट काडीत सकयल देंवतालीं. तांकां दिसलें, आनंद हांगा पावपाक तेच जापसालदार आसात. तांणीच एका हुशार भुरग्याचो गळो अंदिल्लो. पूण गुरूजी ह्या नात्यान तांणी फकत आपलें कर्तव्य केल्लें. तेन्ना तांचो विवेक तांच्या ताब्यांत नाशिल्लो. जें कितें घडलें ताका नियती जबाबदार आसा. गांवगिरे जिणेच्यो अपेक्षा हांका जबाबदार जांव येतात. पूण कितेंय जावं, मळबाक वेंग मारपाक सोदपी एक जीण मळबाकूच बुराक करताली. गुरुजींच्या दोळ्या सामकार इतिहासाचीं पानां फडफडपाक लागलीं.

मिर्गाच्या पावसाक सुरवात जाल्ली. गिमाच्या दिसांनी, उगडे बोडके जाल्ले दोंगर आतां नवेताल्ल खोमीस घातिलेवरी दिसताले. हरयाळी आंकरेल्ली. सगळे कडेन उदकाचेच व्हाळ दिसताले. इतले दीस झाडांच्या पांयां कडेन खातकुतल्यो करपी वाली झांडाच्या हड्डयां कडेन खेळटाल्यो. त्यो लेगीत जुंवान जाल्ल्यो. सगळी झाडां-पेडां न्हावन धुवन एकामेकाक वेंग मारपाचो यत्न करतालीं. शेताची कामां नेटान चलिल्लीं. जण एकलो धांवपळ करतालो. पावसाचें व्हांवपी उदक आनी मनीस हांचे मदीं सर्त लागिल्लेवरी वातावरण आशिल्लें.

सैमीक गिरेस्तकायेन भरसिल्ल्या अशा मेळावले गांवांत विश्वनाथ आयज गुरूजी म्हण प्रवेश करतालो. सावंतवाडी - बेळगांव हांगाचे खूबशे लोक मेट्रीक जाले उपरांत गोंय सरकारचे सेवेत शिक्षक म्हूण रुजू जाताले. विश्वनाथूय असोच मेट्रीक जाले उपरांत शिक्षक जाल्लो. गोंय सरकारान ताची नेमणूक मेळावले गांवांत केल्ली. राजकारणाक लागून शिक्षक हांगा चड वेळ राव नासले. पूण आव्हान म्हूण विश्वनाथान हो गांव वेंचिल्लो. सैमीक गिरेस्तकाय तोखेत विश्वनाथ गांवांत पावलां मारतालो. पयल्या पावसाक लागून सगळे कडेन उदक आनी चिखल आशिल्लो. विश्वनाथाचे भुरगेपण खेड्यांत गेल्या कारणान ताका असल्या रस्त्याचेर चलतना चड त्रास पडले नात. “शाळा खंय आसा?” अशें विचारीत तो पावलां मारतालो. लोकूय हो कोण तिरायत म्हण ताचे कडेन अनवळखे नदरेन पळयताले. ल्हान गांवांनी परकी मनीस रोखडोच वळखुपाक येता. लोकाचो तो चर्चेचो विशय जाता. विश्वनाथ शाळे कडेन पावलो. सरकारी शाळा ती. बांधकाम हलक्या दर्जाचे म्हूण कळटाले. पोरण्या वाड्याचें स्वरूप आशिल्ले. दोन वर्गांची शाळा, शाळा ल्हान पूण खेळामळ व्हड. शाळा बंद आसली. पयलींचो गुरुजी परत येवक नाशिल्लो. दाराक फाट तेकोवंन दोन-तीन म्हशी थंय रवंथ करताल्यो. पडवेचेर बरेच शेण मातिल्ले. शाळेची जनेलां उकतीं आसली. तातूंतल्यान

भुरग्यांनी भितर शेवटिल्लें फातर नदरेक पडटाले. खेळामळार खूबशीं भुरगीं चिखलांत फोंडकुलां मारून गड्ड्यानी खेळटालीं. इतल्या मजगती एक ल्हानसो भुरगो, पिराय सादारण सात वर्सां, धांवत शाळे कडेन आयलो. शाळेन भितर सरना फुडें नाल्लाच्या सोणकुल्लानीं ताणें शर्ट निवळ केलें.

"सगळें शाळेचो गोंटो करून दवरला ह्या गारव्यांनी." अशें म्हणत कुर्शीची बडी घेवन तो गारवांक हामुडपाक लागलो.

"सख्या, शाळे कडेन पळय, आनंद तुज्या गारवाक बडी घेवन मारता." दाव्या हातान शेवूड पुशीत एका भुरग्यान म्हणलें. विश्वनाथाक कागाळ करपी त्या भुरग्याचो मात्सो राग आयलो. तशें पळोवपाक गेल्यार आनंद बरें काम करतालो. आपल्या गारवांक मारता तें पळोवन सख्याक धडय राग आयलो आसतलो. तावूय आनंदा इतलेच पिरायेचो. पूण आंगलोटान घटमूट दिसतालो. "आनंदा, म्हज्या गारवाक हात लाय नाका. हात मोडून गळ्यान बांदतलों." अशें म्हणत एक पाझरी गाळ ताणें आनंदाचेर शेंपडिली.

"आरे! पूण तुज्या गायांनी पुराय शाळा घाण केल्या मरे. सगळे कडेन शेणाची आनी मुताची खातखाण जाल्या." विश्वनाथाक दिशिल्लें, आनंदूय ताचे गाळीक गाळिन्नूच जाप दितलो. पूण अशें जालें ना. ताच्या आवाजान एक तरेचें समजूतदारपण आशिल्लें. ताचीं उतरां आयकल्यागमी आसलीं. विश्वनाथ ताचे लागीं गेलो.

'आनंदा' म्हूण ताणें ताका उलो मारलो. आनंदाक अजाप दिसपाक लागलें. एक अनवळखी मनीस लागसार येवन ताच्या खांद्यार हात दवरता आनी ताका नांवान उलो मारता हें ताका अपूर्व दिसपाक लागलें.

"कोण तूं?" आनंदान ताका विचारलें.

"आरे, हांव तुजो इश्ट समज. चल आमी दोगूय मेळून शाळा निवळ करुया. म्हाका कडेन एक बडी दी, हांव हामुडटां ताकां. तूं शेण एकटांय कर."

"नाका. तो सखो धड न्हय. तुका पाझरच्यो गाळी घालतलो. ताची आवय सुद्धा रोखडीच झगडपाक येता."

"तूं भियेव नाका. तो म्हजे वाटेक वच्चो ना. ताची आवय लेगीत म्हाका जाप विचारची ना." अशें म्हणत ताणें गारवां हामुडपाक सुरवात केली. सख्यान हें पळयलें आनी खेळ सोडून धांवत तो गारवां सरी आयलो.

"कोण तूं? म्हज्या गोरवाक कित्याक मारता?" सख्यान विश्वनाथाक

विचारलें.

"हांव हे शाळेचो नवीन शिक्षक. हांव आतां हे शाळेंत तुमकां शिकोवपाक आयलां."

"काय? गुरूजी?" अशें म्हणत सखो आनी ताचे हेर वांगडी खिणा भितर थंयच्यान नाच्च जाले.

"आनंदा, शाळेची चावी कोणा कडेन आसता?"

"शाळेची चावी सरपंचागेर आसता. गांवचो राजा तो."

"चल, या आमी तागेर, म्हाका दाखयता घर ताचे?"

"चलात हांव दाखयतां तुमकां." तणाक हात पुशीत आनंदा म्हणपाक लागलो. गांवांतले लोक परिस्थिती कडेन जूळोवन घेतात.

आनंदाच्या हाताक शेण लागिल्लें. पूण धुवपाक तो उदक सोदीत बसलो ना. तणाचेर सांठिल्या पावसाच्या थेंब्यांक हात पुसले. सैमाच्या प्रत्येक कणांकणांत मनशाच्यो गरजो पुराय करपाची तांक आसता. चेड्डेक हात पुसीत आनंद उबो आसलो.

"आरे तुका त्रास कित्याक? तूं म्हाका रस्तो दाखय, हांव वतां."

"त्रास जावचे नात म्हाका. म्हाजे घर सरपंचाच्या वाड्या फाटल्यान आसा. तेजेच जमिनीर घर बांधलां आमी. म्हाजी आई तेगेरच वावराडी म्हण काम करता." आपले म्हण्णें विस्तारान सांगपाची ताची पद्दत विश्वनाथाक आवडली.

"अशें? चल या तर. तुज्या वांगडा गजाली करपाक मजा येतली." गोरवांक हामुडपाक हाडिल्यो बड्यो आनंदान शाळे फाटल्यान व्हरून दवरल्यो.

"बड्यो सांबाळूनशो दवरल्यो रे? आतां शाळा सुरू जातली. आतां गोरवां येवचीं नात हांगा. आतां हांगा आमी आसतले न्हय?"

"ना गुरूजी, आमचे शाळेंत भुरगे सगळे तवनास. तांकां मारपाक त्यो. हांव खूबशो बडयो एकठांय करून दवरतां. फाटले सगळे गुरूजी म्हाकाच धांवडायताले बडी हाड म्हूण. तुमकां लागतल्यो त्यो म्हूणो सांबाळून दवरल्यात." आनंदा गालांतल्या गालांत हांसता अशे विश्वनाथाक दिसपाक लागलें. ते एके आळीतल्यान मुखेल रस्त्यार पाविल्ले. सामकार सातेरीचे सोबीत देवूळ आशिल्ले. सवंये प्रमाणें विश्वनाथान देवाक हात जोडले.

"पूण आनंदा, तुजे बडयेन तुकाच केन्ना मार पडलो ना?"

"छट्ट! केन्नाच ना. हांव अभ्यास करतां न्हय म्हुणा म्हाका हाचें पयलें खंयच्याच गुरूजीन मारूंक ना. फाटलो गुरूजी तर म्हाका आपलें वांगडा शारां व्हरपाक तयार जाल्लो. पूण आईन धाडूंक ना."

"पूण हांव शिकयतना बडी घवंचो ना. भुरग्यांक मायें-मागान शिकयतलो हांव." विश्वनाथान म्हणलें.

रस्त्या वयल्यान वतना दर एका घराची तो विश्वनाथाक वळख करून दितालो. त्या घरांत कोण रावता, कितलीं मनशां, तांचो सभाव, तांतूतलीं ताका कोण आवडटात, सगळें. ताचें तोंड चालूच आसलें. उलयतां उलयतां तें सरपंचाच्या घरा पावलें. बरो मोठो वाडो. दोन माळ्यांचें घर. मुखेल दरवट्याचेर दोनूय वटांनी शिवाच्या प्रतिमा आसल्यो. म्हजो पांय हुब-यार पडला मात.

"नाना! ए नाना!! नवीन गुरूजी आयल्या तुका मेळपाक." नाना यवंचे पयलीं खूबश लोक जनेलांतल्यान तकलें भायर काडून नव्या मास्तराक पळोवपाक लागले. इतल्यान मदल्या दारांतल्यान पन्नास वर्सां पिरायेची एक व्यक्ती भायर आयली. आंगार धवेंलाल्ल खामीस. बरें भिरगाचें धोतर पुडवें. चलपांत एक डौलदारपण. मिशी रूपाक एके तरेचो मरदस्तपण हाडटाल्यो. चलपांत राजशी थाट. दोळे आकर्शक. हांव नाना हें समजूपाक वेळ लागलो ना. नाना भायर येवन फुडें जनेलांतल्यान भायर सरिल्ल्यो तकल्यो नाच जाल्यो. मनशाच्या पावलांचो सुलूस लागतकच फुल्ल्यो नाच जातात तशी.

"बसात मास्तर. उदक पियतात? आरे रगल्या! उदक घेवन यो. त्या कस्तुर्यांक व्यायक उदक म्हूण सांग."

ताच्या आवाजांत एक तरेचो शेप आसलो. हासत हासत तो विश्वनाथा लागीं बसलो.

"गांवान खंयचे?" नानान विचारलें.

"हांव सावंतवाडीचो. शारा पसून बारा किलोमिटराचेर गांव म्हजो. अदूच मॅट्रीक जालां." इतल्यान रगल्यान च्या हाडून दवरलो.

"घेयात, च्या घेयात. पावसाचे दीस. तुमी थंडावल्यात आसतले."

"हंय. घेतां. हें म्हजें नेमणूकपत्र." अशें म्हणत ताणें आपलें पत्र नाना कडेन दिलें. "बरें आसा." म्हणत नानान तें पत्र नदरे खाला घालून विश्वनाथाक परत केलें.

"रगल्या, सुनेक सांग. आयज मास्तर आमगेर जेवणाक आसतले. मात्शी

घोस्ताचें रांदपाक सांग. शिकिल्ले मनीस जेवपाक आसात." नानाचो स्वभाव विश्वनाथाक खूब आवडलो. घडये ताच्या ह्याच स्वभावाक लागून तो इतलीं वर्सा सरपंच म्हूण निवडून येता आसूं येत.

"मास्तर, दोन दीस तुमी वाड्यार रावात. शाळेचे कुशीक तुमची खोली आसा. मानाय घालून निवळ करून घेतां. खूब दिस जाले बंद आसा ती. शाळेचें लेगीत काम करपाचें आसा. भुरग्यांनी फातरावन वाट लायला आसतली. मात्शें रंगकाम करून घेवया. तुमी प्रवासान थकल्यात आसतले. मात्सो विसव घेयात. हो सगळे तुमकां जाय नाका तें पळयतलो.

"तुमचें सामान खंय?"

"बस स्टोपार च्यायेचो गाडो आसा थंय दवरलां."

"रगल्या, मानायाक धाड आनी मास्तराचें सामान हाडून घे. आयज वयर माळयेर दवर. तांचे कुडीचें काम जातकच सामान परत थंय पावय." नानान फर्मायलें.

"बरें नाना." असो भितरल्यान आवाज आयलो.

"मास्तर, हांव मात्सों पंचायतींत वचून येतां. तुमी माळयेर विसव घेयात. दनपरां जेवपाक मेळुया. रगल्या, चल रे पंचायतींत या. जिपीची चावी घे. सगळे कडेन चिखल जाला आसतलो." रगलो तांचो खास घरगडी. नानाक दर कामाक रगलो लागतालो. दोगूय जाण वाड्या भायर सरले. इतल्यान नानाची सून फुडें सरली.

"चलात मास्तर, वयर वचून बसात. कितें जाय जाल्यार म्हाका उलो मारात."

"तो आनंदा हांगाच रावता न्हय?"

"हय, हांगाच फाटल्यान. तुमच्या जनेलांतल्यान उलो मारात. धांवत येतलो."

"तशे जाल्यार म्हाका कितें जाय पडल्यार हांव ताकाच उलो मारतां. तुमकां बेठोच त्रास नाका."

"तुमका जाय तशें." अशें म्हणत नानाची सून भितर गेली आनी विश्वनाथ माळयेर वचपाक वळ्ळो.

***

आयजची सकाळ विश्वनाथाच्या जिवितांत नवीन चित्र घेवन आयिल्ली इतले दीस तो विद्यार्थी आसलो. आयच्यान तो शिक्षक जाल्लो. पयल्या दिसाची सुरवात बरी जावची म्हूण विश्वनाथ कोंब्या सादारूच उठलो. बांयचेर वचून घसघशीत पांच-स कळश्यो आगांर रकयल्यो. पावसाळे वातावरणात, मात्शी शी आशिल्ले, पूण परक्या गांवांत ताका उदक कोण तापोवन दितलो. रगल्याक सांगल्यार जातालें पूण फांतोडेर ताका त्रास करप बरें न्हय अशें म्हणून विश्वनाथान स्वताचेर थंड उदकाचो अभिषेक घातलो. काळ्या कुपां खातीर भायर अजून काळोख आसलो. हातान दिवो घेवन विश्वनाथ भायर सरलो तो बरो देवळाच्या रस्त्यार. नव्या जिविताची सुरवात सातेरीक एकवीस प्रदक्षिणा घालून करची अशें ताणें चिंतलें. सातेरीच्या देवळांत कोणूच नाशिल्लो. गर्भकुडीक कुलूप आशिल्ल्या कारणान भायरूच ताणें कापूर जळयलो आनी प्रदक्षिणा मारपाक सुरवात केली. प्रत्येक प्रदक्षीण जाले उपरांत तो एक कापराचो कुडको जाळटालो. देखून पुराय देवळांत उजवाड जाल्लो. सातेरीचे आशिर्वाद घेवन तो व्हड उमेदीन वाड्यार पावलो. चडश्या लोक उठून कामाक लागिल्ले. वचना फुडें रगल्यान ताका च्या हाडून दिलो. फांतोडेर देवळांत वयतना हें ताणें रगल्याक कालूच सांगिल्लें.

"मास्तर, तुमची शाळा तयार आसा. आनंदान काल सगळ्या भुरग्याक वचून सांगलां आयच्यान शाळा सुरू म्हण. तुमची रावपाची कूड लेगीत तयार आसा. तुमी दोनूय जाग्यांचो तांवो आयच्यान घेवपाक कांयच हरकत ना. पंचायत शाळे लागसार आसा. पंचायतींत तुमी जाय तेन्ना वचचें आनी दर आयतारा जेवपाक आमगेर येवपाचें. रगल्या, मास्तराचें सामान जिपींत घाल." नानान तांकां सांगलें.

सगळ्याक 'देव बरें करूं' म्हणून विश्वनाथ जिपींन येवन बसलो. धांवत फाटल्यान वटून आनंदा येवन बसलो. आयज तोय शाळेंत गाडयेन वचपाचो. शाळेच्या पयल्या दिसाची उमेद विश्वनाथाच्या तोंडावेर चड परजळटाली. आनंदा आतां दुसरेंत वचपाचो. सवय प्रमाण ताची गाडयेंत बडबड चालू आशिल्ली. शाळेंत पावल दवरिना फुडें विश्वनाथाचें हृदय भरून आयलें. किते तरी करून दाखोवप ह्या विश्वासान तो भितर सरलो. शाळा रंगोवन चकचकीत केल्ली. पावसाक लागून रंग अजून वलोच आसलो. पुराय शाळा नितळ जाल्ली. शाळा म्हणल्यार दोन कुडी. एके कुडींत दोन वर्ग. शाळेची सगळी कागदपत्रां पंचायतींत आसतालीं. बसपाक जण एक भुरगो आपापलो साक घेवन आयिल्लो. बांकडे ही संकल्पना ह्या ल्हानशा गांवांत अजून येवक नाशिल्ली.

शिक्षक म्हूण विश्वनाथाचो पयलो दीस, ना म्हणल्यार तोवूय मात्सो कांचाबूल जाल्लो. वेळ जालो म्हूण खूबशीं भुरगीं धांवत-धांवत येतालीं. दरेकाच्या एका हातान साक आनी दुसर्या हातान पाटयेची पिशवी. पुस्तकां पंचायतींत मेळपाचीं. भुरग्यांनी भितर येवन आपली बसका घेतली. विश्वनाथाक सगळें समजावन रगलो थंयच्यान कडसरलो. दोळे बंद करून विश्वनाथान देवाचें नांव घेतले आनी वर्गांत प्रवेश केलो. "गुरुजी नमस्कार" एका सुरांतलो भुरग्यांचो आवाज कानार पडलो आनी ताणें दोळे उघडले. काळजाच्या कुपांनी खोल-खोल सांठोवन दवरपा सारखो खीण. भुरग्यांची चुळबूळ सुरु जाली. भुरगीं अजून सुटयेच्या मुडांत आसलीं. पयलेच फावट शाळेंत आयिल्ल्या भुरग्यांच्या चेर्याचेर मातशी भंयाची सया दिसताली. मानसीक ताण घेवन तीं भितर सरिल्लीं. कांय पोरांच्या नाकांतल्यान शेंबूड अजून व्हांवतालो. शेंबडाचो सर्रर्र असो आवाज लक्ष ओडून घेतालो. भुरग्यांक शिस्त नासली. विश्वनाथान थारायलें ह्या भुरग्यांक अभ्यासा वांगडा समाजांत कशें वावरप हें लेगीत शिकोवचें पडटलें.

***

पळयतां पळयतां दोन म्हयने केन्ना गेले कांयच कळ्ळें ना. विश्वनाथ आतां गुरुजी जाल्लो. पुराय गांव ताका गुरूजी म्हण उलो मारतालो. गांवांत एक मान आसलो. परिस्थिती कडेन ताणें जुळोवन घेतिल्लें. भुरग्यांनी लेगीत सुटयेचो मूड मात्सो पयस केल्लो. खूबशीं भुरगीं बेशिस्त आसलीं.

आनंदा मात अभ्यासान खरेंच हुशार आसलो. खूबशे फावट विश्वनाथ दुसरी आनी तिसरीचे वर्ग घेतालो जाल्यार आनंदाक पयली आनी दुसरीची उजळणी घेवपाक लायतालो. ह्या गांवगि-या वाठारांत असल्या हुशार भुरग्याक देवान कित्याक धाडलो काय हो प्रश्न विश्वनाथाक पडटालो. शारांत हो भुरगो फाकिवंत जावपाचो. वर्गा परस हेर भुरग्यांचें लक्ष खेळामळार सांचिल्ल्या चिखलाचेर चड आसतालें. पाडे पाठ करचे परस गाळी तांकां रोखड्यो पाठ जाताल्यो. शिक्षक म्हूण विश्वनाथाचें पयलेंच वर्स. हांकां कशें शिकोवप हो ताका प्रश्न पडटालो. अजून मेरेन तरी विश्वनाथ तांकां माये-मोगान लागीं घेवन सांगतालो. भुरग्यांक मारप म्हणल्यार पाप अशें ताका दिसतालें. तो दर भुरग्याक आनंदाची देख दितालो. तो हुशार आसा. फाल्यां ताका सरपंच शारांत शिकपाक धाडटलो. तो मागीर व्हड मनीस जातलो. शारांत घर बांदतलो. तुमी हांगाच गोरवां हामडीत रावतले. काय भुरग्यांक ताची समजावणी पट्टाली. तीं अभ्यासांत लक्ष घालपाचो

यत्न करताली. चडशीं भुरगीं आनंदाची गणितां तश्याक तशीं कॉपी करून दाखयताली. पूण स्वता मेहनत घेवपाक तांकां जमनासलें.

दिवाळेची सुटी सोंपून शाळा परत सुरू जाल्ली. विश्वनाथ चवथेच्या भुरग्यांचो अभ्यास घेतालो. हेर वर्गांनी भुरग्यांचो बोवाळ सुरू आसलो. एक मनीस कोणा-कोणाक म्हूण सांबाळटलो. तरी आनंदाचो ताका मातसो आदार जातालो. पयले दुसरेच्या भुरग्यांची उजळणी वा पाडे पाठ करून घेवपाचें काम तो व्यवस्थित करतालो. वर्ग चालू आसतनाच रगलो शाळेंत आयलो. भुरग्यांचो बोवाळ आयकून रगल्यान कानांनी बोटां घातलीं आनी विश्वनाथाक उलो मारलो.

"गुरूजी, तुमकां नानान आत्ताच्या आत्तां पंचायतींत आपयला. ह्या तवनास भुरग्यांचे बापूय एकठांय जाल्यात पंचायतींत. तुमी सुटयेक घरा गेल्ले तेन्ना ह्या गावका-यांनी तुमच्या नांवान बरोच शंख वाजयला. येयात तुमी बेगीन. हांव वतां फुडें."

आपलें किते चुकलां तें विश्वनाथाक कळना जालें. ताचे खातीर गांवांत लोक एकठांय जावप हें ताच्या मनाक पटना जालें. खंयच्या भुरग्यान कागाळ वो केली काय म्हूण विरुद्ध असो प्रश्नूय ताका पडलो. पूण काटल्या पाच म्हयन्यांनी एकाय भुरग्याक ताणें हात लावंक नाशिल्लो. किते जालां तें तरी पळोवया म्हूण ताणें पंचायतींत वचपाचें थारायलें. दुसरेच्या वर्गांत आनंदा भुरग्याक पाड्यांची उजळणी दितालो. विश्वनाथान ताका भायर आपयलो. "हे पळय आनंदा, हांव मात्सो पंचायतींत वता. तूं तीं बेगीन भुरग्याक पाडे शिकय. पयलीच्या भुरग्यांक कवितां म्हणून दाखय."

भुरग्यांचो बोवाळ चालूच आसलो. दोळे मोठे करून ताणें तांकां वांग्गी रावपाक सांगलें. हाताक खडूच्या रंग लागिल्ले हात झाडीत तो पंचायती कडेन चलपाक लागलो. काळीज दुबावान आनी मातशें भयान बरेंच धडधडटालें.

पंचायत कार्यालय शाळे कुशीक आशिल्ल्या कारणान दोन धेपांनीच तो थंय पावलो. सरपंचाचे मुखांत सगळे जमिल्ले. वयर खुर्सेर नाना बशिल्लो. हेर पंच वागडीय आशिल्ले. लोकूय खूब जमिल्ले. विश्वनाथ थंय पावना फुडें लोकांची पुळबूळ सुरू जाली. हेर विशय कुशीक पडले आनी शाळेची चर्चा सुरू जाली.

"मास्तर, येयात हांगा, अशें लागीं बसात." अशें म्हणत नानान विश्वनाथाक उपसरपंचाचे कुशीक बसपाक सांगलें. हेर पचां परस विश्वनाथाक तो भोवमान पळोवन बरें दिसलें.

“मास्तर, आयज आमची ग्रामसभा. आमचे पचांयतींत ग्रामसभेक हरशीं लोक येनात. आयज पयलेच फावट इतलो लोक आयला. विशय फकत एकूच 'शाळा'. गांवांतल्यांच्यो तुमचे बद्दल खूब कागाळी आसात. तांच्यो कागाळी वैयत्तीक नात. तुमचो स्वभाव तसो बरो. लोकांच्यो कागाळी तुमींच आयकात. सांगात रे!”

अशे म्हण नानान जमिल्ल्या लोकां कडेन पळयलें. लोक घडये ह्याच खिणाची वाट पळयताले.

“म्हजो मधू पयलेक वचून स म्हयने जाले. ताका अजून श्री काडपाक येना.”

“पोरूंचो मास्तर आसतना म्हजो झील सांजचो अभ्यासाक बसतालो. पूण आतां दनपारां दफ्तर दवरून वता तो एकदम रातचो घरा परत येता. परत दफ्तराक हात लायना. अभ्यासाक बस म्हणल्यार बापायक पोझड्यो गाळी घालता.”

“म्हजें मंगला म्हणटा, रातचो घरा करपाक मास्तर अभ्यासूच दिना.” लोक खूब कितें उलयताले. आयकून विश्वनाथाची तकली घुंवपाक लागली. नाना उबो रावलो तशे लोक बोवाळ घालपाचे बंद जाले.

“मास्तर, आयकलें तुमी लोक कितें म्हणटात ते. हाचेर तुमचें म्हण्णें कितें तेंवूय लोकांक कळपाक जाय.” नानान ताका मात्सो आदार दिलो.

“हांव म्हजे परीन भुरग्यांक बरे तरेन शिकोवपाचो यत्न करतां. दर भुरग्याक घरा कडेन अभ्यास कर म्हूण सांगतां. पूण भुरगीं अभ्यास करिनात हातूंत म्हजो दोश कितें. नानाच्या वाड्यः फाटल्यान रावपी आनंदाक लेगीत हांवूंच शिकयतां. ताका सगळें येता, शारांतल्या भुरग्यां परस ताची तकली वेंगान धांवता. तो दुसरेंक आसा पूण चवथेचो अभ्यास ताका पाठ आसा. पालक म्हूण तुमचेय कितें तरी कर्तव्य आसा. हें तुमी कशे विसरतात. तुमचे भितरले चडशे रातचो सोरो पियेवन घरा वतात. मागीर तुमचीं भुरगीं तुमकां मान कशीं दितलीं. तुमचे कित्याक म्हूण आयकतलीं तीं.” विश्वनाथाचीं उतरां सगळ्यांक भाल्या सारखीं तोपलीं. खूबशा लोकांक तो अपमान कसो जाणवलो. भावनेचे भिरकेन विश्वनाथ उलोवन गेल्लो. पूण ताकाय कळून आयले आपूण कितें तरी स्फोटक उलयलां.

तिसरेंत शिकपी म्हादेवाचो बापूय उठलो. तो पंच आसलो. “मास्तर, तुमी

बरोबर उलयले नात. तुमचे चुर्कीचें खापर तुमी आमचेर फोडूंक सोदतात. सरपंच, हांव तरी म्हणटां, पारूच्या मास्तराक परत हाडुया. त्या मास्तरान भुरग्यांक शिस्त लायिल्ली."

"आरे, त्या मास्तराक शारांतल शाळेंत बरी नोकरी लागली. तो आतां येवपाचो ना." नानान सगळ्याक समजायलें. लोकांची फुतफूत चालूच आशिल्ली. विश्वानाथ मात निश्चल जावन सगळ्यां कडेन तटास नदरेन पळयत राविल्लो. कायद्या प्रमाणे तो अजून नोकरेंत कायम जावंक नासलो. पंचायतीन आपल्या विरूध्द कागाळ केल्यार नोकरी वचपाचो भंय आसा. धाडस केलें आनी तो परत उबो रावलो.

"म्हजे कडसून तुमच्यो किते अपेक्षा आसात सांगात. हांवें भुरग्यांक कशे तरेन शिकावचें अशें तुमकां दिसता, तुमकां जाय तसो हांव वागतां." मास्तर लागी लागी ह्या गांवगि-या निरक्षर लोकांक शरण आयिल्लो. इतले मजगतीं शाळेंतलीं चडशीं भुरगीं शाळा सोडून पंचायतींत पावलीं. तांका हांगा पळोवन गांवका-यांक चडूच राग आयलो.

"मास्तर, हो पळयात तुमचो धाक. पयलींचो मास्तर भुरग्यांक शाळेंत बसयतालो आनी शारांत वचून नुस्तें घेवन येतालो. भुरगीं जाग्या वयल्यान हालपाचें नांव काडिनासलीं. आयतारा, सुटयेच्या दिसा लेगीत मास्तर रस्त्यार दिसत जाल्यार गडड्यानी खळशीं भुरगीं चडडी ओली करतालीं. तसो धाक आसल्लो ताजो." उपसरपंच उलयलो.

विश्वनाथाक वाटावपा खातीर नाना उबो रावलो. आनंदा कडल्यान मास्तर कसो बरो हाची माहिती ताका मेळिल्ली. भुरग्यांक तो प्रेमान शिकयतालो. पूण मास्तराचो हो प्रेमळ स्वभावूच ताका म्हारग पडलो म्हणपाचें ताका कळून आयलें.

"मास्तर, हीं शारांतलीं भुरगीं न्हय. तीं भुरगीं वेगळ्या संस्कारान वाडटात. हीं आमचीं भुरगीं रानटी. ताणीं तुमची ती मोगाची भास समजुपाची ना. हांका फकत धाक जाय. हांका फकत माराची भास समजता. फाल्याच्यान शाळेंत बरी वेताची बडी व्हरात."

"हय! हय! सारख नानाचें. हांकां बरो पट घालात." गर्देतल्यान आवाज आयलो.

"मास्तर, आमगेले मू. गांवचो सरपंच ह्या नात्यान म्हाका लोकांचे

ायकुचें पडटा. तांच्या भुरग्यांचो फुडार तांकां बरो जाल्लो जाय. आपल्या ुरग्यांनी शिकचें अशें प्रत्येकाक दिसता. तालुक्याच्या एडिआयक आमकां रिर्पोट ेवचो पडटा. अजून स म्हयने आसात. नोकरी सांबाळप काय ना तें तुमीच ारायात."

सगळो लोक मात्सो वोग्गी जालो. "चलात, आतां मिटींग सोंपली. हे ुरग्यांनो चलात शाळेंत. मास्तर येतलो." रगल्यान सगळ्या भुरग्यांक धांवडावन ाले. "चलात, वचात आतां. 'छडी लागे छम् छम् विद्या येयी घम घम' सुरू ुमकां आतां." रगल्यान भुरग्याक भंय घालो तशीं सगळीं भुरगीं जिवाच्या ाकांतान शाळे वटेन धांवलीं.

लोकूय आपापल्या घरा गेले. फकत पंच वागडी आनी नाना आसलो. रगल्यान सगळ्यांक च्या हाडून दिली. विश्वनाथाची चायेची वासनाच गेल्ली. ेरांचो मान राखपा खातीर तो दोन घोंट पिलो. बसकेंत एका वरा भितर ताणें कितलेशेच अपमान पियेल्ले. अपमानाचे घोंट अजुनूय ताच्या ताळ्यांत अंदून उरिल्ले. पुराय शिरंतरांनी उजो पेटिल्लो. भुरग्यां सामकार गांवक-यांनी ताका नागडो केल्लो. उजो पेटतकच जसो पालो जळटा तसोच गावक-यांच्या शाब्दीक उज्यान ताचे भितरली माया, ममता लासून गोबर जाल्ली. ताचे कुडींतल्यान कितेतरी भायर पडटालें. पूण कितें? हाची जाप ताचे कडेन नाशिल्ली.

ताची पावलां शाळे कडेन वतालीं. वाटेर एका झाडाचो खांदो बागोवन वा-याच्या झेतार वयर सकयल जाताल. विश्वनाथाक बेठेंच दिसलें, झाडाचो खादो ताका चाळयता. वा-याच्या नेटार झाडाचो जितो पालो सळसळटालो. सगळे झाड आपल्याक हांसता, ताच्यो बकछायो करता अशें ताका दिसतालें. रागानूच ताणें त्या झाडाची शिपटी तोडली. पयलेच फावट ताच्या हातान बडी दिसपाक लागली. कांय खीण ताका ती तरसाद कशी दिसपाक लागली. घडये बडयेचो परिणाम जावं येत.

"नमस्कार गुरूजी." भुरग्यांनी म्हणलें. पूण भुरग्यां कडेन ताचे लक्ष नाशिल्लें मेजा वयल्या तांबयांतले ताणे दोन घोट उदक पियेलें आनी नदर भुरग्यांचेर थीर केली.

"आनंदा, सगळे एके ओळीन उबे रावात. तुमकां हांवें संगिल्लें हाव, पचायतींत वचून येतां. तुमी अभ्यास करात, पूण म्हजे फाटल्यान तुमी सगळे थय पावले. आतां तुमका शिक्षा करचीच पडटली. आयज ख्यास्त दिल्यार फाल्या

सुदरतलें. चला येयात. एक एकलो."

"गुरुजी, पयली म्हजेर मारात. तुमी म्हाका वर्ग सांबाळपाक सांगिल्ला हांवूंय भुरग्यांक थांबोवपाक शकलो ना." आनंदान हात फुडें केलो. चपाचप बडयो ताच्या हातार पडल्यो. सगळ्या भुरग्यां भितर फुसफूस सुरू जाल्ली. काय जाणाच्या पांयांक भंयान कापरी भरली. आनंदाच्या दोळ्यातल्यान दुकां आयलीं. मागीर दरेका भुरग्याच्या हातार बडयो पडल्यो. खूब तेपान शाळेंत बडयेचो वापर जाल्लो.

"आनंदा कोण कोण गैरहजर आसात पळय."

आनंदान वर्गाचेर नदर भोंवडायली. तुकाराम, रघुनाथ आनी बाबलो पंचायतीतल्यान घरा कडेन गेल्ले. दफ्तरां शाळेंतूच आशिल्लीं.

"आनंदा, तू त्या चौथीच्या धा भुरग्यांक घे आनी तांका आसा थंय सावन उखलून हाड. ऊठ बेगीन." काय खिणा भितर सगळी सेना भायर पडली.

"कालचीं गणितां कोणें कोणें केल्यांत, हात वयर करात." एकूय हात वयर आयलो ना. विश्वनाथाक आनिकूय राग आयलो. "चलात, एक एक करून फुडें सरात. पांच-पांच बडयो आताच्यो आनी दवाळचो एक अशा स बडयो खावन भुरग्यांचे हात तावडेच जाल्ले. सगळेच जाण हात चोळीत बशिल्ले. खूबशा भुरग्यांच्या दोळ्यातल्यान दुकां फुटताली. तांच्या तोंडा वयलो भंय नदरेक पडटालो. बावाळ खबरेच खंय नाचे आनी शाळेक सुतक लागिल्लेवरी जाल्लें. इतले मजगती यदाक भायर गेल्ले धा जाण गैरहजर आशिल्ल्या तिगांकूय मारया करून घेवन आयले. तिगूय जाण किंचाळ्यो मारताले आनी त्या धाय जाणाक पाझड्या-पाझड्या गाळी घालताले. तिगांचोय अवतार पळोवन विश्वनाथान बडयेक हात घालो. "गाळी सांगतात सुण्यानो..." अशें म्हणात तो तिगांच्याय पायांचेर बडयो मारीत सुटलो. तिगांच्याय किंचाळ्यो आनी रडपांत पुराय शाळा भरून गेल्ली. खूब तेपान शाळेच्या वण्टींनी रडप आयकल्लें.

त्या दिसा उपरांत मारप आनी रडप हे सदांचेच जाले. भुरग्यांच्यो ल्हान-सान चुकी लगीत ताची फाट सोलून उडोवपाक लागल्यो. माराच्या भयान शाळा चुकयली जाल्यार विश्वनाथ तांका मारया करून शाळेंत हाडटालो आनी तांका खूब बडयतालो. गांवकारी मात्शे सुखापल्ले. भुरगीं नेमान शाळेक वतात ते पळोवन ते धादोशी जावपाक लागले. आनंदाकूय मजगती दोन-तीन फावटीं मार पडिल्लो.

आनंदाची भयण आनी भावोजी काल ताच्या घरा आयिल्ले. घरांत ताची उपस्थिती पळोवन कालचो दिस तो भारावन गेल्लो. पुराय आयतार भयणीची उठ-बस करपाक गेलो. आयतार, सुटयेचो दीस म्हूण गुरुजीन तांका बरोच धरपाठ दिल्लो. पूण भावोजीच्या बोवाळान मागीर करुया म्हूण तो तसोच उरलो. आयची सकाळ जावची न्हय अशें आनंदाक दिसतालें. पूण सैम कोणाक रावता. कोंब्यान साद घालीच, वांगडा आवयन ताका साद घालो. हरशीं शाळे खातीर नेटान उठपी आनंदा आयज आपखोशयेन उठलो ना. तोंडार मरगळीची सया मारताली. च्या-भाकरी खावन दफ्तर घेवन तो भायर सरलो. पूण शाळेचो रस्तो धरपाच्या जाग्यार ताणें शेताचो रस्तो धरलो. विश्वनाथ ताचेर मोग करतालो. देखून ताका दिसलें, शाळेंत गेल्यार मार पडटलो. फाल्यां मास्तराक सांगचें, दुयेत आसलो म्हूण. फटींगपणा केल्यारूय गुरूजीक तें खरेंच दिसतलें असो ताचो भावार्थ आसलो. नानाच्या शेतांत मळणी जावन जाग्या-जाग्यार कड्डाचे दोगर केल्ले. आंब्या पोंदचे राशीचेर बसून ताणें कविता पाठ करपाक सुरवात केली. ताणें थारायल्लें, शाळा चुकयला पूण अभ्यास चुकोवपाचो ना. ताचो अभ्यास चालू आसतनाच शेतांत पयस ताका शाळेच्या भुरग्यांचो चोंबो येतना दिश्टी पडलो. ताच्या काळजांत धस्स जालें. पांय कलकलपाक लागले. शेतान येतना ताका दोन तीन लोकांनी पळयल्लो. घडये तांचे कडल्यान खबर पावली जावं येत. शेतान भुरगीं तांकां सोदपाक लागलीं.

"आनंदा, बेगीन भायर यो. आयज तुका गुरूजी कुटलायता. चड वेळ करशीत जाल्यार चड मार पडटलो." भुरग्यांनी आनंदाक फर्मायलें. माराची उतरां आयकून आनंदा चडूच भंयभीत जालो. आपूण ह्या भुरग्याक दिसचो न्हय म्हूण तो देवाचें नांव घेवपाक लागलो.

"आरे! हें पळयात आनंदाचें चप्पल. आनंदा हे राशीचेर आसा. बेगीन येयात. धांव मारचे पयलीं." आनंदाच्या चपलान ताचो घात केलो. भुरग्यांनी ताचो निमणो मोरया केलोच.

शाळा चालू आसली. रडत आनी हुयेल मारत आनंदाचो मोरया शाळेंत पावलो. भुरग्यांनी व्हरून ताका विश्वनाथा सामकार देवयलो. आतां ल्हव ल्हव आनंदाक कापरी सुटिल्ली. गुरुजीची बडी तितलीच ताका दिसताली.

"आनंदा, शाळेक दांडी कित्याक मारली. तूं एक हुशार भुरगो. आयज मुखेल कार्यालयांतल्यान इन्सपेक्टर आयिल्ले. सगळ्या भुरग्यांनी म्हजे नांव

घाणायलें. तूं आसल्यार म्हजें हड्डें मात्शें फुलपाचे पूण दळडि-या तुवें आयजूच दांडी मारची?" विश्वनाथाच्या मुखामळाचेर ताच्या अपमानाची सया मारताली.

"कारण नासतना तूं आयज शाळेक येवंक ना. आतां तुका ख्यास्त दिवचीच पडटली."

"चूक जाली गुरुजी. परत अशें केन्नाच करचो ना. हांवें काल घरपाठ केलोना, देखून शाळेक दांडी मारली."

"म्हणच! एकाच वळार तुवें दोन चुकी केल्यो. म्हणचे डबल ख्यास्त. तुज्या कानांनी घडय वारें वचपाक लागलां. तुका आताच मारको करपाक जाय. नाजल्यार तूं लगीत हाता भायर वतलो." अशें म्हणत मच्च करून एक बडी ताणें आनंदाच्या उकत्या पांयार मारली. एकेच बडयेन आनंदा वळवळ्ळो.

"मारूं नाकात गुरुजी. परत अशें करचो ना," रडत रडत बडी मारलां तो जागो चोंळीत आनंदान विश्वनाथाक विनवणी केली पूण विश्वनाथ आयकुपाच तंद्रेंत नाशिल्लो.

"हात फुडें कर."

"ना, गुरुजी ना."

"हांव म्हणटां, हात फुडें कर."

"नाका गुरुजी, मारूं नाकात." अशें म्हणत आनंद लांब लांब फाटीं सरपाक लागलो आनी [illegible] पयलीं [illegible] झेंगून [illegible] शाळेंतल्यान नाच्च जालो. "धरून हाडात रे ताका, सोडून [illegible]." विश्वनाथान दादल्या भुरग्यांक फर्मायलें. आनंद धांवलो ते दिशेन ते भुरगें [illegible] धांवत सुटले.

आनंदा परत केन्नाच [illegible] दिसलो ना. ताची धांवडी खूब पयसुल्ली थारली. पुराय गांव [illegible] [illegible]. पुराय [illegible] तो [illegible] आसलो. लोकांक दिसले थोड्या दिसांनी [illegible] परत. लोकांनी खूब [illegible] सोदलो ताका पूण तो केन्नाच [illegible] दिश्टी पडलो ना. ताणें [illegible] करून एकूच आकांत केल्लो. हे घडनेन विश्वनाथाच्या [illegible] [illegible] भेटना जाल्लो. ते दिसाच्यान ताणें शाळेंत वचप सोडून दिलें. लोकांनी ताका खूब समजायलें, पूण ताचें उत्तर एकूच "देवळांत वचून फायदो कितें? मुखार [illegible] आसा [illegible]! शाळा म्हूय मसणभूंय तीं." अशें म्हणत फातरा सारखो मनीस [illegible] [illegible] रडटालो. आपल्या [illegible] भुरग्यांचें लुकसाण [illegible] [illegible] मात्सोची परिक्षा [illegible] फुडें ताणें [illegible] सगळो संसार [illegible] तो [illegible] सोडलो आनी तो गांव लेगीत

ासणाचो सोडलो.

ताका दिसतालें गांव सोडून गेलों म्हूण कितें जालें? जंय आसा थंय ानंदा सरस्वतीची पुजा करतालो. हॉटेलान काम करीत पूण शिकतलो. पूण ायज वस्तुस्थिती वेगळीच आसली.

“बाबा, तुमच्या दोळ्यांनी दुकां कित्याक. कितें जालें?

“काय ना बाय, दोळ्यांतलीं दुकां पिशीं तीं. मनशाक चड दुख्ख जालें ह्णटकच ते दुख्ख व्हांवोवपा खातीर धांवत येतात. मनशाचें मन ल्हव करपा ख्रातीर.”

“पूण तुमकां कसलें दुख्ख जालें तर?”

“ती मोठी कथा आसा. हांव मात्सो मुबंय वचून येतां.” नमीच्या तोंडार ोठे प्रश्नचिन्न.

“बाबा, मुबंय लागी ना. आनी अशें कितें घडलें तर अकस्मात मुबंय वचपा ारखें?”

“तुका सगळें येवन सांगतां. म्हाका जाता तितले बेगीन वचपाक जाय. चल बेगीन, म्हजें बॅग भर.”

नमीन एके नदरेन ताका पळयलें आनी दुसरे नदरेन दिसाळ्याक.

***

फांत्यापारार ते मुबंय पावले. रिक्षा करून तडक जेली कडेन. जेलीच्यो त्यो मोठ्यो वणटी पळोवन कोणाच्याय काळजांत धस्स जावपाचें. वणटीं परस भंयानक ते दार आसलें. दारा भायर बशिल्ल्या गार्डाक तांणी आपूण कित्याक आयला ते सांगलें. पधंरा मिनटांनी तांकां फकत धा मिनटां उलोवपाची संद मेळ्ळी. वांगडा एक गार्ड घेंवन विश्वनाथ गुरुजी आनंदाचे कुडी कडेन पावलां मारपाक लागले.

“नंबर ३१३, तुका मेळपाक कोण आयला.” कुडीच्या गजां कडेन उबो रावून गार्डान आंनदाक उलो मारलो. गजां कडेन उजवाड आशिल्लो. पूण भितर काळोख पातळिल्लो. ३१३ ल्हव ल्हव पावलां घालीत गजां कडेन येवपाक लागलो. एक जाणटो आपणाक मेळपाक उबो आसा. कोण काय? म्हाकासो मेळपाक आयला? असले असंख्य प्रश्न ताच्या कपला वयल्या मिरयांक गुंथिल्ले. कितल्या तरी वर्सानी दोगूय जाण मेळटाले. दोगायच्या चेर्याचेर, आंगलोटाचेर

बदलाची ल्हारां आसलीं.

मुखामळ बदल्लें तरी दोळे खंय केन्नाच बदलनात. हय, तेंच दोळे "आंनदाऽऽऽ" म्हूण गुरुजीन मोठ्यान उलो मारलो. आवाजांत कंप आशिल्लो पूण आवेग जागलाचो आसलो. आनंदाकूय आवाज वळखीचो दिसलो.

“आनंदा, हांव, आरे पळयता किते असो? हांव गुरुजी, तुजो विश्वनाथ गुरूजी.”

गुरुजीन इतलें म्हणलां मात आनंदान आपली फाट भोंवडायली आनी गजांक फाट तेंकयली

“आनंदा, अजून राग वचूंक ना रे पुता?”

“ना मास्तर, तुमका तोंड दाखोवपाक लज दिसता.” अशें म्हणत ताणें आपली फाट परत घुंवडायली आनी गुरुजींक नदरेक नदर दिवन रडपाक लागलो. गुरुजींच्या दोळ्यांतल्यान लेगीत दुकां झरतालीं. आपल्या गुरुजींक वेंग मारची म्हूण आनंदान हात लांब केले पूण दोगांच्याय मदीं दोन गजां आसलीं आनी दोन गजां मदीं एका हाताचें अंतर आसलें. वेंग मारपा खातीर फुडें केल्ले हात दोगायनी एकमेकांच्या हातांत धरले. दोगायनी एकमेकाचे हात कुरवाळपाक सुरवात केली.

“गुरुजी, म्हजी आई कशी आसा? खूब मायेस्त आसली ती. म्हजे ताणें भरकटलें गुरुजी. आई, म्हाका माफ कर. गुरुजी म्हजी शाळा? हांव सगळ्यांचो गुन्यापकारी. गुरुजी! शाळेचो अपमान केलो आनी दोगूय निशब्द जाले.

“आनंदा, खरो गुन्यापकारी हांव. तू न्हय पुता. जमता आसत तर म्हाका गुन्यांव भोगस. शिक्षकाचें काम आसता फातरांतल्यान मुर्ती घडोवप. पूण हांवें मुर्तीतल्यान फातर घडयलो.” अशें म्हणून गुरुजी ताच्या पायाक हात लावपा खातीर वागवलो. त्याच खिणाक गुरुजीचे पवित्र हात आपल्या पायाक लागत म्हूण आनंदान पाय फाटीं काडले. ह्या धांवपळीन नेटान ताची तकली लोखंडाच्या गजांचेर आदळ्ळी आनी गरम रगताचे दोन थेंब गुरुजीच्या हातार पडले आनी इतल्यान “चल, चल भायर सर. तुजो वेळ जालो.” असो गार्डांचो आवाज दोगांच्याय कानार पडलो. गुरुजीचे पाय [illegible] जाले.

“आरे पापया, मात्सो राव. ताचे तकलेंतल्यान रगत येता. मात्शी जखम बांदतां तरी.”

“ते आमचे काम. आमी पळोवन घेतात. येदिशी जखम ती. मरचो ना तो.

वल बेगीन." अशें म्हणून गार्डान विश्वनाथ गुरुजीक ओडून कुशीक काडलो.

"आरे! देवान तुमकां काळीज बसयलां काय त्या जाग्यार फातर बसयला ?. मात्तूय मनीसपण ना मरे तुमकां. अशे कशे रे तुमी इतले निबर?" हीं उतरां गुरुजीच्या मनांत आयलीं पूण ओंठार आयलीं नात. कारण तांचें अतंर्मन तांकां वेचारतालें हे लोक फातरा काळजाचे मागीर तुमी कसल्या काळजाचे?

परत परत मान घुंवडावन ते आनंदा कडेन पळयताले आनी हुंडको आवरपाचो यत्न करताले. कादयेच्या दरवट्याचें दार खप्प करून मोठ्या आवाजान बंद जालें आनी एक आर्त स्वर गुरुजींच्या कानार पडलो, "मारूं नाकात गुरूजी!"



आमी कंत्राटदार

जुलै सोंपून ऑगस्ट सुरू जालो. मळब्यांत पावसाची कांयच सुलूस लागनासली. विधवा बायलचें कपल धवें फटक दिसता तशेंच मळब दिसतालें. शेकान शेक रितें मळब. नदर पावता थंय मेरेन कुपा खयच दिसनासली. पोरूं नेमके अशेंच घडिल्लें. शेतकामत्यांनी वाट पळयली. भूंयमूग, जोंधळा हांचें बीं पेरपाक तयार केल्लें तें शेवटाक शिजोवन खावचें पडलें. सगळ्यांक काळ्या कुपांची आस लागिल्ली. पूण पावसान किते थारायिल्लें कोणाकूच खबर नासली. विजापूरच्या देवनहळ्ळी गांवच खुबश शेतकार ह्या वर्सा आस लावन बशिल्ले. पोरूं नागरिल्ली शेतां तशींच आसात. फकत पावसाचो थेंबो रकल्यार पुरो. उशें हाडिल्लें बीं घालून भांगर पिकोवपाक शेतकार तयार आसात. पूण सैमान किते तरी वेगळेंच थारायलां.

"गंगळ्या, घडय अदूक पावस ना दिसता. आतां कितें करचें?" नागराज आपले बायले कडेन उलयतालो. रांदीत जालो घालून आनी पीठ कालोवन ती भाकरी भाजपाक चुली म्हऱ्यांत थापटूल मारून बशिल्ली.

"रांदपाक लागपी नग लेगीत सोपल आयल्यात. कुळ्ळारान दिल्लें भांगरा कुडके केन्नाच सोंपले." पीठ थापतां थापतां ती उलयताली.

"फकत पावसाचे दोन शितोडे पडुंदी. पळय कसो रोपो वयर काडटां तो. घर-दार भरून काडटा वरव गोटयान." नागराज उलयलो.

पोरूं पावसान दड मारली. देखून खुबश गरीब शेतकार गांवांत रावलेनात. साटली-पाटली घेवन ते गोंया गेल्ले. गोंया मजुरेक मनशाक खूब मागणी आसा. दिसवडोय बरो मेळटा. गोंयांत गेल्ल्या शेतकाराची शेतां नागराजान कसोवपाक घेतिल्लीं. तेंच खातीर ताणे गंगळाचें भांगर विकून बीं हाडिल्लें.

नागराज तसो खानदानी. पेझाद शेतकार. येणावळ बरी. स्वभावान सादो.

ताणें ताची बेगमी जर स्वताकूच खर्च केल्ली जाल्यार ताचो वरवगोटो तीन वर्सां तरी पावपाचो. पूण फाटल्या पुराय वर्सभर तो लोकांक सदळ हातान मजत करतालो. कोण एक साक, कोण अर्दो साक अशें करून ताचें कोणर सोंपिल्लें. सगळें सोंपता तें उकत्या दोळ्यांनी पळयत आसतना ताणें कोणाकूच परत धाडले ना. गंगळाचें कुळार लेगीत मोटे शेतका-याचें. शेतांत कमींत कमी पन्नास मानाय काम करपी. एकलेंच चली. देखून लाडान वाडिल्लें. दोग भाव. लग्ना उपरांत लेगीत ताका चड कश्ट करचें पडलें ना. फकत ह्या वर्सा पावसान दड मारिल्ली म्हूण मातशें सगळेंच हालिल्लें. भुरग्यांक शिकपाक तांणी बिजापूर दवरिल्ले. पावसा खातीर घरांत कितें चल्लां हाची तांणी त्या दोगाय भुरग्यांक सुलूस लागूंक दिली ना.

ऑगस्ट सोंपलो आनी नागराजाची चिंता वाडपाक लागली. घरांत फकत पेरपा खातीर हाडिल्लें धान्य आसलें. चूल पेटपाक जाय जाल्यार आतां बियाकूय हात लावप गरजेचें. पुराय देड वरस जालें तो शेतांत वतालो आनी परत येतालो. काम कांयच नासतालें. हेर लोक लागींच्या गांवांनी दिसावड्याक वताले. कांय लोक विटांचे भट्टेर कामाक वताले. पूण नागराज मात घरांत बसून आसतालो. ताका दिसतालें आपूण गांवांतलो गिरेस्त शेतकार. तेन्ना लोकांच्या कामाक मानाय म्हूण कशें वचप. बियाचें अर्दे अदीक धान्य सोंपपाक पाविल्लें. पावसाक अजून स म्हयने आसात. पूण बियाक पयसो जाय. रीण काडप ताका मान्य नासलें. एकदां रीण काडलें म्हणटकच तें वाडत वता आनी जाणट्यांवी मिरास सांवकाराचे भकीक पडटा. हातान वळिल्ली विडी ओडटना तो सारको विचार करपाक लागिल्लो. लोकांक उश्णें म्हूण दिल्लें धान्य परत मागप शक्य नासलें. शेतां पिकलींच ना जाल्यार ते लोक तरी कशे आनी खंयच्यान दितले? ताची खाणा-जेवणा वयली वानसा वचपाक लागली. फुडल्या मिर्गार पेरतलो जाल्यार बीं जाय. घरांत जे कितें चार पयशे आसात ते अडी अडचणीक सांबाळून दवरपाक जाय. तातूंत भुरग्यांचें शिकप. गोरवांची खावड. ह्या सगल्या गजालींचो नागराज विचार करपाक लागलो. पंप मारून मारून बोरींगेचें उदक लेगीत आटपाक लागलां म्हणपाचे उदाकचे धारे वयल्यान कळटालें. विचार करपाक वेळ कमी आसलो. चिंतना वाडिल्लीं. गंगळाक घोवाचो घुसमटमार दिसतालो. राजा कसो ताठ मानेन भोंवपी नागराज खचपाक लागला हे तिका होलमतालें.

"गंगळा, हांव कामाक वतां."

“मजुरी करपाक?”

“हय, आनी उपायच ना.”

“शी! लोक कितें म्हणटले? जो स्वता मानाय दवरून शेत रोयतालो ताच त्या मानायां वांगडा कामाक वता? म्हाका पटना.”

“हांव गांवांत खंय कामाक वतां तर? हांव गोंयां वतां. थंय कोण वळखता म्हाका? चुकून कोण मेळ्ळोच तर काय हरकत ना. पावसान कितें केलां तें सगळ्यांकूच खबर आसा.” तो निश्चयान उलयलो.

“नाका, तें परस हांव भावा कडल्यान मागून हाडटां थोडे पयशे.” तिणें म्हळें.

“अजिबात नाका. तुजे भाव ना म्हणचे नात, हांसत हांसत पांचांक धा दितले. पूण मागीर स्वाभिमान ना जातालो. ताचे सामकार तकली ताठ उरची ना. तें परस गोंया वतां. मिर्ग मरेन काम करतां. जोडिल्ल्या पयशांनी बीं हाडटां आनी भांगर पिकयतां.”

“हांव लगीत येतां तुमचे वांगडा. दोगांय मेळून मजुरी करुया.” गाठ्यांत गोरवांक तण घालतां घालतां गंगा उलोवंक लागले.

“तूं म्हजे वांगडा आयल्यार हांव म्हयने म्हयने ह्या गाठ्यांतल्या भुरग्यांक कोण पळयतालो? आनी तुवें केन्ना कश्टाचें काम केलां हांव पयली?” दिडी पुरकायत नागराज उलयलो.

“आमी शेजाऱ्या पाजाऱ्यांचे कितले उपकार कल्यांत. सांगूया तांकां आमच्या बैलांक तण उडोवपा खातीर आनी शेण-मूत काडपा खातीर. जाय जाल्यार म्हयन्या कोतार पयशे दिवया तांकां.” काळ्या बैलाचेर हात भोंवडायत ती उलयली.

***

मजूरे खातीर गोंया वचपाचो शेवटाक दोगांयचो निर्णय जालो. पांच म्हयने काम करून पयशे एकठांय करपाचो. गोंया फोंड्या शारांत नागराजचो पयसुल्लो मावशभाव मजुरी करतालो. नागराज पयलो एकटोच फोंड्यां आयलो. मावशेभावाक वांगडा घेवन तो रावपाक खोली सोदपाक भायर पडलो. धा कुडींच्या घरात रावपी नागराज एके कुडी खातीर बरोच भोंवलो. चड म्हारग कुड ताका परवडची नासली. पयशे एकठांय करून परत शेत रोवपाची आसली. शेवटाक हजार

ंवया म्हयन्याक भाडें असो एक रूम ताका मेळ्ळो. झोपडपट्टीचो वाठार ंगळो. तडजोड म्हूण नागराजान थारायलें पांच म्हयने रावपाचें कशेंय करून.

दिसाक तिनशें रुपया दिसवडो. म्हणजे म्हयन्याक णव हजार मेळटले. ंच म्हयन्याक कांयच न्हय म्हणल्यार सगळें वजा करून पस्तीस हजार तरी कठांय जातले असो विचार करत करत दोगांयनी आपली साठली-पोटली ांदली आनी गोरवांक भरिल्ल्या दोळ्यांनी पळोवन गोंयची बस धरली.

एक नवो वाठार, नवो गांव, नवी जीण आनी एक नवीन जोडपें. पांच म्हयने ंबितो करपाचो वाठार पळोवन तिचे आंग शिरशिरलें. तोंडार पदर धरत ती ंतर सरली. वांगडा हाडिल्लीं आयदनां थंयच मांडलीं. स्टोव एका कोनशाक वरून ती घोवाक तेंकून बसली.

“गंगळा, अजून विचार कर. तुज्यान हांगा रावपाक जमचें ना.” नागराजान ंका म्हळें.

“तुमी आसात थंय हांव. सीता गेली ना रामा वांगडा वनवासाक.” तुमचें ुख तेंच म्हजें सूख. तुमचें दुख्ख तेच म्हजें दुख्ख. हांव गेल्यार तुमकां रांदून ोण वाडटलो. सकाळीं उठून डबो कोण भरून दितलो? दिसभर काम करून ुमी थकून येतले. तुमच्या पांयांक तेल कोण लायतलो?” नागराज गंगळ्या ंडेन कवतुकान पळयत रावलो. घरा कडल्यान येतना वांगडा तांणी जोंधळो, ंल , मिरसांग हाडिल्ली. सांजचें वचून नागराजान पीठ दळून हाडलें आनी ंतना नुस्तेंय घेवन आयलो. ताच्या गांवान नुस्तें मेळप कुस्तार. नुस्तें पळोवन ंगळाक खूब खोस जाली. नुस्तें उजरायतां उजरायतां तिणें घोवाक म्हळें.

“आमी हांगा पयशे जोडपाक आयल्यांत. मोडपाक न्हय. नुस्तें, मटण पांच म्हयने हाडप ना.”

“आगो! हांगा नुस्तें एकदम सवाय. तूरडाळी परस सवाय म्हणल्यार जाता. खावया मदीं मदीं.” ताणें म्हणलें.

गोंयची पयली रात दोगांयनी नुस्त्याच्या कालवणाचे यादीन सारली.

सकाळीं बेगीन उठून गंगळ्यान रोटयो थांपून घेतल्यो आनी नागराजाचो डबो भरून दवरलो. आयज पयलेच फावट नागराज हेरांच्या कामांक वतालो तो लेगीत एक मानाय म्हूण. इतले दीस शेताचे मेरेर बसून फकत कामे-यां मनायां कडल्यान काम करून घेतालो. केंसार चपचपीत खोबरेल लावन, कपलाक

गुलालाचो तांबडोच तिबो लावन तो घरांतल्यान भायर सरलो. ताका त
मजुरेक वता तें पळोवन गगळाक कशेंशेंच दिसलें. ते चड वेळ हुम-यार उबे राव
ना.

मावशेभावान ताका आपलें वांगडा एक इमारतीच्या कामाक व्हेलो. ख
मजूर थंय तकलेक तुवालो बांदून तयार आसले. तातूंत नागराजाच्या गाव
कोणूच नाशिल्लो. ताका बरें दिसलें. सगळे कडेन रेव पसरिल्ली. इमारतीच
वणटीक गिलाव लावपाचें काम चालू आशिल्लें. सकयल आशिल्ली रेव आ
सिमेंटाच्या पिशव्या वयर पावोवपाचें काम मजुरांचें आसलें.

"सगळे ययात हांगा हजेरी लायात." मास्तराच्या आवाजान सग
बिल्डिंग खाला [illegible] यायले. [illegible] थयच एक बारीकशें कार्याल
उबारिल्लें. [illegible] मास्तराक थ
एक इंजिनेर आसलो. [illegible] मनीस मजुरांचे [illegible]. ह दान
[illegible] नागराजाक नात
[illegible] मजुरांची [illegible] ती ताका अजू
स्पश्ट [illegible] सुरवात केली. इ
[illegible] परमेश्वर [illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
पडूंक नाशिल्लो.

"[illegible] हांगा काम [illegible] " [illegible] मावशेभाव
म्हणलें.

"[illegible] आता सगळे ठीकेदार गे
आसातले. मजुरांचो [illegible] दिस तुजो बक
[illegible] नागराजान ताका त्या मास्तरा विश
सगळे सांगलें. [illegible] पूण ताणें सांगलें. तो लगीं
पळोवपाक गेल्यार मजुरूच. [illegible] उखलिना. कामा करून घेत
परमेश्वर आनी नागराजाची नदरा नदर जाली. तीयूय ताका राखडोच बळखलें

"सावकार, नशीब म्हणजे कशें तुका ? आयज पळय, तूं मजूर आनी हा
मास्तर. हांव सांगता तितल्यो कायली तुका उखलच्यो पडटल्यो." कुश्चित्रीपणा

ांसत ताणें म्हणलें आनी नागराजाक मुद्दाम चवथ्या माळ्यार रेंव ओंतपाचें काम देलें. सगळीं जाणां कामाक लागलीं. खोरीं, कायली हाचो आवाज आनी मदींच गंवड्याचो बोवाळ. हाका लागून सगळो वाठार एक कारखानो जाल्लो. हरशीं म्हण कन्नड भास मात्शी मोठ्यानूच उलोवचेली. सगळे कडेन उतरांचो गांज घुमत रावता. नागराजान पयली कायल वयर व्हेल्या मात ताका कळ्ळें काम सादें न्हय. ताकाय म्हण कश्टाच्या कामाची खंय संवय. राजा कसो रावतालो तो गांवान.

दनपार जाता मेरेन तो थकून गेल्लो. ताणें आपणाल्या मनाक समजायलें. दोन दिसा उपंरात संवय जातली. चडांत चड पांच म्हयनेच कश्ट करपाचें. मागीर आसाच न्हय कामेरीं लावन काम करून घेवपाचें. तेन्नाच ताका याद जाली खूबशा लोकानी उदारेचेर धान्य व्हेलां. तांकांच कामार आपोवपाचे. हेर कामेरीं हाडल्यार दिसवडो दिवपाक पयशे खंयच्यान हाडप. हांगाची जोड बियाक वतली. जेवपाक बसला थंय तो विचार करपाक लागलो. वेगळें कितें करपाक ताची तकली मात्शी बरी काम करताली. धा मिणटांक आपूण एक कायल वयर व्हरतां. म्हणजे वराक स कायली. आठ वरां आपली मजूरी. म्हणजे हाव अठ्ठेचाळीस कायली वयर व्हरतलों. चवथ्या मजल्यार चार मानाय आसले. म्हणजे एक हजार दोनशे रुपया दिसवडो आनी कायली पावतल्यो दोनशें. जेवण करून आड पडला थंय ताणे चितपाक सुरवात केल्ली. तो विचार करीत रावलो. सगळ्या वांगडा उठलो आनी कामाक लागलो.

तिनसांजचे सगळ्या वांगडा टांकयेच्या उदकान आंग निवळ केलें आनी मजुरी घेवपाक बेजमॅण्टांत गेलो. परमेश्वर सगळ्यांक मेजून पयशे दितालो.

“सावकार, आंखाणो लायता काय सायन मारता?” नागराजाक ताणें बेजार करपाक विचारलें. नागराजान ताचे कडेन आडनदर केली आनी हाजेरी पट्येचेर सायन करून शंबरांच्यो तीन नोटी हातान घेतल्यो. खूब बेळ ताणे त्यो नोटी पारखिल्यो. ताणे जिवितांत पयसो खूब पळयिल्लो पूण दोन वर्सां पावसान दड मारिल्ल्यान ताचे गणीत मात्शे चुकिल्लें.

“बिल्डर केन्ना येता रे हांगासर?” ताणे मावशेभावाक विचारले.

“येतलो आनी वरा भितर.” मावशेभावान म्हणलें.

“आयज तुवेन पुराय दीस काम करून तिनशें कमयले. फाल्यां जर हांवेन तुका दिसवड्याचेच सातशें दिले तर तुका कशे दिसतले.” नोटी बोल्सांत घालीत नागराजान म्हणले आनी ताका आपली येवजण सांगली. जंय कश्ट चड आसा

पूण पयशेय चड आसात. पूण ताच्या आळशी मावशभावाक ती घोस्ताक गेलिना

“तूं बस हांगा आनी बिल्डराक मेळ. हांव वतां फुडें. पूण कितें करता ते एकटोच कर. मेळटा तो दिसवडोय ना जायत.”

मावशेभाव गेलो तरी हाचो निश्चेव काय कमी जालो ना.

“पात्रांव, हांव आयजूच कामाक आयलां. म्हजें नांव नागराज. गांवात मोठो शेतकार. पूण दोन वर्सां जालीं पावसान घात केला. देखून हांगा कामाक येवचें पडलें. म्हजी एक येवजण आसा. ती अशी, चवथ्या माळ्यार रेव पावोवपाक तुमकां चार मनशां लागतात आनी दिसवडो बता बाराशें रुपया. म्हाका फकत हजार दिल्यार पुरो. हांव तितलेंच काम करतां. तितलीच रेव वयर पावयतां.” एका सुरान नागराजान बिल्डराक सगळें सांगलें. बिल्डरान ताका वयर सकयल पारखिलो. मनीस खानदानी अशें ताका जाणवलें.

“पूण तितली रेव पावयलिना जाल्यार, एकाच मनशाचो दिसवडो मेळटलो. मागीर काम कितलेंय जावं. जमता तर हय म्हण.” माळ्यांची सोपणां चडत तो बिल्डर उलयतालो.

“म्हाका मान्य आसा.” नागराजान म्हणलें आनी स्लॅब उबो करपाक हाडिल्ल्या दोन सरगच्च कोंड्यां कडेन पळयत तो म्हणपाक लागलो. “पात्रांव म्हका ते दोन कोंडे जाय.”

कोंडे घेवन नागराज भायर सरलो. घरा वचचे बदला तो लागसारच्या हॉलसेल मार्केटांत गेलो आनी ताणें ब-या जातीचे नाल्लेरांक बी वापरतात तसले बरे तीन साकाटे घेतले. हार्डवॅर दुकानांत वचून सुतळी, सुंब आनी दावण घेवन तो घरा पावलो. सगळे मजूर घरा पावले पूण आपलो घोव घरा पावलो ना म्हण आकूळ-पिकूळ जाल्ली ताची बायल भायरूच उबी आशिल्ली.

“पयलो दीस हो घरकी गाजात, कसलो अक्कलीचो ना. आनी तुमी गणयत रावल्यात बाजारांत. म्हजी मातूय चिंता ना?” नागराज भितर सरतनाच तिणें धेंगसो घालो आनी बडबडपाक लागली. ताणें कसलेंशें लक्ष दिलें ना. हात पाय धुवन तो भितर बसलो.

“थोडी च्या मेळ्ळ्यार बरें जातलें म्हजे राणये.” लाडान येवन ताणें म्हणलें आनी हांसपाक लागलो. ताचें हांसप पळोवन तिचो सगळो राग निवळ्ळो.

“हे साकाटशें घेवन आयल्यात. कितें करपाचें येवजिल्यात?”

"सांगता, सगळें सांगता. बस अशी म्हज्या म्ह-यांत." ताणें म्हणलें आनी तेका आपली येवजण समजावन सांगली.

"हॉस्पीटलानी लोंकाक व्हरपाक जे पाळणे करतात न्ही तसलो पाळणो नयार करपाचो. बिल्डींगे कडेन खूब पिशव्यो आसात शिमिटाच्यो. त्यो चार-पांच पेशव्यो भरपाच्यो आनी बाळंत बायलेक आमच्या गांवांत हॉस्पीटलान व्हरतात नशे आमी दोगांयनी व्हरपाचें. तूं फुडें हांव फाटीं. भरपाचें काम हांव करतां. चार मानायांचें काम आमी दोगांयनी करपाचें. स्वाभिमानान काम करपाचें. आयज त्या रमेश्वरान खूब फावटीं म्हजो अपमान केलो. रेंव अर्दी भरता म्हणपाक लागलो, रेंव वाटेर सांडटा म्हणपाक लागलो. ताचीं उतरां भाले कशे म्हाका तोंपतालीं. देखून हांवेन ही युक्ती लडयल्या. कश्ट पडटले पूण पयशेय चड मेळटले. हांव कितलीय रेंव व्हरूं, तो म्हाका विचारपाक शकचो ना. लोक साडेणवांक कामाक सुरवात करतात. आमी सकाळीं पांचांक भायर सरुया. सूर्य आयलो की कूड रोखडीच थकता. सांजेचीं लेगीत दोन वरां चड काम करुया. आमी आयज सावन धाकटीं काय जायना कॉन्ट्रेक्टर जावंया." सुमार अर्दवर तरी नागराज उलयलो. आपली सगळी येवजण ताणें तिका सांगली. पूण ती कांयच उलयली ना. पूण जेवतना म्हणपाक लागली.

"म्हज्यान जावचें ना तें काम. हांवेन केन्नाच कश्टाचें काम केलें ना. तुमी थोडे दीस एकटेच काम करात. परमेश्वर अपमान करता अशें दिसता जाल्यार दुसरे कडेन कामाक वचात."

नागराज कांयच उलयलो ना. हरशीं पांच रोटयो खावपी मनीस तो पूण एकूच खावन उठलो.

"म्हजो राग जेवणार किद्याक काडटात. आयज दीसभर तुमी कश्टाचें काम केलां. खायात न्हय. म्हाका समजून घेयात. तुमी जेवले नात जाल्यार हांवूंय जेवचें ना."

पूण नागराजाचेर तिच्या गजालींचो व्हडलोसो परिणाम जालो ना. ताका दिशिल्लें, ती हय म्हणटली. थंयच शेंदरी घालून तो आड पडलो. दोळे वयर पाख्या कडेन. कांय वेळान ती आयली आनी ताच्या आंगा कडेन खेळपाक लागली.

"आता खरे तेच कारण सांगता. जे तुमकांय पट्टलें."

"कितें तें आनीक?"

"म्हाका जर काम करतना हांगा कोणय आशिकुशींच्या आमच्या गांववाल्यान पळयली आनी जर म्हज्या भावांक सांगलें तर तें कितें म्हणटलें खबर आसा तुमकां? भावोजी म्हण तुमकां केदो मान आसा. तुमचे कडेन पळोवपाचो ताचो दृश्टीकोण लेगीत बदलतलो. माना परस पयसो मोटो?"

नागराज हाचेर कांयच उलयलो ना. पूण विचार मात करपाक लागलो.

"चल आयज बेगीन न्हिदुया. हांव पांच्या वाराकूच उठून कामाक लागतां. जाता तें जावं. पात्रावाक सांगता कितें सांगपाचें तें."

***

फांतोडेर चाराक उठून तो चलपाक लागलो. वांगडा कालचें साकाटें आशिल्लेंच. बिल्डींग सामकार पावता म्हणसर ताची चिंतना चालूच आसली. गुरख्यान ताका अटकोंना. ताणें सांगलें पात्रावान फांताड जाय मेरेन अर्दे काम जावपाक जाय म्हूण सांगलां. ताणें कांय विचारलें ना. तो बद्द आपल्या रुमांत न्हिदपाक गेलो. आतां इमारतीचेर कोण तरी आसा देखरेख करपाक हाचो ताका आनंद जालो. हरशी ताका सात मेरेन [illegible] पयलो पडटालो. स्लॅब घालपाक हाडिल्ल्यो मेळ्यो फळयो धयान पडिल्ल्यो. नागराजान तकली हालयली. फळयेच सगळे खिळे ताणें थापटून काडले. शिमिटाच्यो चार पिशव्यो भरून रेव घेतली. उदका खातीर हाडिल्ल्या ड्रमाचेर [illegible] तो [illegible] दवरली आनी चारूय पिशव्यो तिचेर दवरल्यो. [illegible] नुगलो बांदून [illegible] ते [illegible] आपले तकलेर घेतले आनी सोपणां चडपाक सुरवात केली. वयर पावता म्हणसर खरस लागली पूण एकाच धेपान चार पिशव्यो वयर पावयल्ल्याची एक [illegible] आशिल्ली. म्हणल्यार सुमार सोळा कायली. ताका हुरूप आयलो. तो नेटान कामाक लागलो. कितलोय त्रास पडूं रेव वयर काडपाचीच हो विचार ताचे मनांत प्रत्येक पावल घालतना येवपाक लागलो.

साडेणवाक हेर कामगार आनी मुकादम हाजर जाले. तो मेरेन खुबशी रेव ताणें वयर पावयिल्ली. एकल्यानूच इतली रेव वयर पावयली हाची सगळ्यांक तोखणाय दिसली. नागराजान [illegible] तुमानां [illegible]. एका ड्रमांतलें उदक सप-सप करून तोंडार मारलें आनी बायलेन दिल्ल्यो कालच्योच रोटयो खायत बसलो. हेर लोक कामाक लागले. वयल्या माळ्याचेर वयले गंवडेच कामाक लागले.

"आयज वयल्या माळ्याचें प्लास्टरींग पुराय जावपाक जाय. रेव उपी

डपाक जायना. रेंव कशी पावोवप हे तुजे काम." मुकादमान ताका शिटकायलो. ाणें थारायल्लें ताच्या मावशेभावाक हरशीं तिनशें दिसवडो मेळटा. ताका आपूण ाडेतिनशें दिवचे आनी आपलेच कडेन कामाक दवरचो. पूण आयज तो ायलोच ना. घडये मुद्दाम दुसर्या कामार गेला जायंत. वचुंदी. हांव रेंव व्हरपीच. वड्याक जाय तितली जाय तेन्ना. रातचो आडवो पडल्यार कोता येता. हार ानप ना. रोटी खावन तो आनी सुशेग घेवपाक रावलो ना. बेगी बेगीन चार ेशव्यो भरून ताणें फळकुट्यार दवरल्यो आनी वयर गेलो. सगळे गंवडे ताका वतुकान पळोवपाक लागले आनी तांणी नदरेनूच ताका सांगलें. "भियेव नाका. ामी आसात तुजे वांगडा घेतात तुका सांबाळून." मुमुरख्या हांसत तो सकयल वलो. सामकार पळयता जाल्यार ताची बायल आनी मावशेभाव रेंव पिशवेंत रपाच्या कामाक लागल्यांत. दोगांय नेटा-नेटान खोरीं ओडटात. घोव बायलेची दरा नदर जाली. तिणें मोन्यानीच म्हणलें,

"भावांक सांगपी हांव, आमी कंत्राटदार जाल्यांत. स्वताचें काम करपाक केतें कमीपण घेंवचें?" नागराज लेगीत मोन्यानीच उलयलो.

"सात जल्म म्हाका तूंच जाय."



खेमल्याचें सपन

“मेळ्ळो रे दादू तुजो?” सुकांतीन सांजेचो घरा आयिल्या पुताक विचारलें.

“मेळ्ळो. पुलिसांचे कादयेंत आसा.”

“कादयेंत? कित्याक? किदें केलें ताणें?”

“काय ना. सोरो पियून मार्केटान बोवाळ घालतालो म्हण केला पुलिसांनी.”

“तूं वचून आयलो पुलीस स्टेशनाचेर?”

“हांव ना. लज दिश्टीच. हवालदार सांगतालो सोरो निवळटकच सोडटले ताका. बरो मार घालपाक जाय पुलिसांनी.”

“तशें उलयनात. बापूय तुजो ना.”

“लजेक घालपी बापूय तो. कोणाक गर्व आसा.”

“चड उलोव नाका. पयली पुलीस स्टेशनाचेर चल आनी घेवन यो ताका.”

“हांव ना, मरूं ताका थंय.”

“दळिद्रि-या, कातरवेळार कितें उलयता? म्हज्या कुंकवाचो आदार तो. तूं बस हांगा. हांवूच वता.”

अशें म्हणत सुकांती भितर गेले आनी हाताक मेळटा ते पयशे घेवन भायर पडले. पुलीस कचेरीची वाट चलपाक लागले. चवथीच दीस आशिल्यान वाळपयचे पुलीस कचेरेंत लगीत गणपती पुंजिल्लो. चडशे पुलीस आपलीं कर्तव्यां विसरून चवथीच्या बोवाळांत मग्न दिसताले.

“हांव खेमल्याची बायल. ताका तुमी धरून हाडला न्ही? ताका व्हरपाक आयलां.” तिणें एका पुलिसाक सांगलें. पुलिसान तिका एका मेजा कडेन बोट दाखयलें. तें मेज रिकामें आसलें.

"सायब खंय गेला?" कुशीकच्या एका पुलिसाक तिणें विचारलें.

"सायब भजनी मंडळाक पावोवपाक गेला. येवपाक वेळ आसा. कितें काम आसा?"

"हांव खेमल्याची बायल. ताका व्हरपाक आयलां."

"व्हरपाक आयला म्हणजे कितें? शाळा ही, सुटली की व्हरपाक येवपाक. सार्वजनीक मालमत्तेचें लुकसाण केलां म्हण केस घातल्या ताजेर. आद्वोगाद घेंवन यो फाल्यां. रातच्यो आरती जाल्यो की ताका बरो प्रसाद मेळपाचो आसा." पुलिसान सांगलें.

"सायब, मारूं नाकात ताका. सोरो निवळटकच वोग्गी जातलो तो. हरशी मनीस वायट न्ही. म्हजे खातीर ताज्या आंगाक हात लाव नाकात. जाय जाल्यार हांव माफी मागतां. भंयान काकळुटेक येत तिणें पुलिसाक सांगलें. सगले जाण कुच्छित्रीपणान हांसले.

"कितले पयशे आसात तुजे कडेन?" एकट्यान विचारलें.

"चड नात. कळना फुडें हाताक मेळटात ते घेवन भायर सरलें. पाचशें आसात. दिवं तुमकां?" घोवाच्या हुसक्यान सुकांतीन भिंयेत भिंयेत विचारलें.

"पवार, त्यो धा सोर्ती हाड हांगा." पवारान आनी वेळ केलो ना. चराचरा धा सोर्ती पिंजल्यो आनी हवालदारा कडेन दिल्यो.

"हाड ते पाचशें रूपया. घे ह्यो सोर्ती. देवाच्यो त्यो."

सुकांतीन बेगीन बेगीन पाचशें रुपया दिले आनी सोर्ती घेतल्यो.

"ताका रातचे मारूं नाकात हां. फाल्यां जाय जाल्यार आनीक धा सोर्ती घेतां." ताणें पुलिसांक सांगलें.

"बरे! बरे!! चल तूं आतां. फाल्यां आद्वोगाद घेंवन यो आनी वांगडा एक जामीन लेगीत."

ताणें एकदा पिलिसांक नमस्कार केलो आनी गणपती कडेन येवन दोनदा पांयां पडलें. वदळच्यो धा सोर्ती मुठीन घेंवन तें सोंपणा देंवता मात. पुलीस स्टेशनाचो मुखेली मोठ्या मोठ्यान बडबडत भितर सरतना ताचे नदरेक पडलो. ताका दिसले होच मुखेल सायब. जाय जाल्यार हो खेमल्याक सोडवपाक शकता.

"हांव सायबाक मेळूं एक फावट." ताणें वदळच्या हवालदाराक विचारलें.

“सायब पयलींच बेजारला. खंयच्या तरी दिसाळ्यान आयज ताज्या विरुध्द छापून आयलां. वरिश्ठ ताजेर बेजार आसात. सगळो राग तुजेर काडीत. तूं फाल्याच या” हवालदारान सांगले आनी फायली घेवन तो इन्सपेक्टराच्या केबिनांत गेलो. भितर घें गाळींचो शिवर. तें चड वेळ थय रावले ना. काळोख जायत आयिल्लो.

सुकांतीच्या लग्नाक वीस वर्सां जाल्लीं. ताच्या साय-यां भितरल्याच खेमल्या कडेन. एका टूर एण्ड ट्रॅवल्स कंपनीन तो ड्रायव्हर आसलो. तशीं जाड तांच्या संवसाराक पावपा सारखी. फॉरेनरां कडल्यान टीप मेळटाली. वयल्यान कांय हॉटेल धनी खास भत्तो दिताले. पूण मन्त्याक बियर मारपाची संवय. बियरी वांगडा ताका चिकन चिलीय जांय पडटाली केन्ना केन्ना. ताचें एक व्हड सपन आसलें. एक दीस स्वताची मारुती व्हॅन घेवन भाडीं मारपाचें. पूण ते खातीर पयश एकठांय करपाची मनाची तयारी नासताली. दोन वर्सांनी गणेश जालो. व्हॅन घेवपाक डावन पेमेण्ट भरपाक [illegible] पयश खुबश फावटीं पाट्यांचेर खर्च जाताले. गणेशाच्या वाडदिसाक आनी पयल्या वाडदिसाक रीण काडचें पडिल्लें. क्रिकेट पळोवपाची ताका खूब रोस. मॅच पळयता पळयता सार्‍या नदरेर पेजी [illegible] आनी उरिल्ले पयश हेर ड्रायव्हरां वांगडा पाट्यांक [illegible] जाल्ले. [illegible] वयर एक रन चड काडूंक ना. पूण लोकांनी [illegible] फुल्लयल्लो [illegible] की जाले. “नेहरा आयज सेन्च्युरी मारता. लागली बेट. ”

अशे तरेन ताचें गाडी घेवपाचें सपन [illegible] लागले. पूण सदां भायर सरतना तो सुकांतीक म्हणटालो, “एक दीस [illegible] गाडी.” सोयाचें व्यसन ल्हव ल्हव वाडत गेलें तशें ताका [illegible] गाडयेर धाडपाचेंय ल्हव ल्हव कमी केलें. फकत इमरजन्सीच्या [illegible] ताका आपोवणें धाडपाक लागलीं. ह्या कारणाक लागून ताजी तिडक दिसान दीस वाडूंक लागली. घरा कडेन आयलो बराबर गाळी. झगडीं सदांचेंच जाल्ले. शेजारा पाजा-यांक ताज्या रख-यांनीच वीट आयिल्लो. पूण सुकांती कडेन पळोवन लोक वांग्गी रावताले.

खेमल्याक पुलिसांनी कांदयेंत घालो ही खबर ल्हव ल्हव ताज्या वाड्यार आनी कांय खिणां भितर आख्ख्या [illegible] पासरली. जण एकल्याचो सूर एकूच आसलो.

“बरें जालें. बरो [illegible] [illegible] पूण.”

“हय गे बाये, गणपतीच पावलो. चवथ तरी बरी जातली.”

“हय तर. उसरा भजन सुरू आसल्यार रातभर गाळी सवता आसलो.

“रातचो कोणूय कादयेंत उल्यार पुलिस यथेश्ट मारतात खंय.”

“बरो धाडायल्यार पुरो. आयुश्यांत आनीक सोर्याक हात लावपाक ·ायना.”

अशा तरांच्यो चर्चा पुराय गावांत सुरू जाल्यो. कांय उतरां सुकांतीच्या ·ानारूय पडटालीं. पूण ताणें लोंकाक कायच म्हळें ना. ताचेंच नाणें खोटे ·ासलें. घोंवाच्या हुस्क्यान जेंवचे बगर न्हिदलें. रातभर खेमल्याचेंच चिंतपाक ·ागलें. जेवलो आसतलो काय. सकाळीं खुटी च्या घेवन भायर सरिल्लो.

सकाळीं बेगीन उठून ताणें वकीला कडेन वचपाची तयारी केली. ·कीलाची फी दिवचे खातीर सरपळी लेंसान गुठलावन घेतली. गणेशूय तयार ·ालो वागडा येवपा खातीर. तिका मात्शे बरें दिसंले. हरशी म्हूण आतां तिका ·णेशाचोच आदार. तोवूय बापायवरी ड्रायव्हर जाल्लो. दोगांय भायर सरपाक ·ांयांनी चपलां रिगयतात मात, शेजराचो मुकूंद धांवत आयलो.

“गणेश तुज्या बापायक पुलिसानी पणजे हॉस्पीटलांत एडमीट केला. ·ातचो घुंवळ येवन पडलो खंय तो.” सुकांतीक बेठोच भंय दिसलो. दोगांयनी ·ांव मारली आनी पांय दवरपाक जागो नाशिल्ले पणजेचे बशींत कशीं बशीं ·ेगलीं. हॉस्पीटलांत भायर तांका सोर्ती दिल्लो पवार पुलीस दिश्टीक पडलो. मात्सो भियेल्लो आनी चिंतेस्त दिसतालो.

“कसो आसा घोव म्हजो? किते जालें ताका?”

“दोतोर तपासतात ताका. राती ताका आमी आग्रो केलो पूण तो जेवलो ना. घडये अशक्तपणान घुंवळ आयल्या आसतली” अशें पवार म्हणटा. इतल्यात ताका तपासपी दोतोर भायर आयलो.

“बॉडी पोस्टमार्टमाक धाडल्या. तीन वरां उपरांत मेळटली ताच्या गुप्तांगाक बरोच मार लागला अशे आमका दिसता. खरे कारण पोस्टमॉर्टमा उपरांत कळटलें.” दोतोरान केसीचे पेपर पवाराच्या हातान दिले. सुकांतीन एकूच हुयेल मारली घात केलो रे माज्या धनयाचो... माल्लो रे पुलिसांनी. घट्टण जावं तांचें. गेलो रे म्हजो कुंकवाचो आदार, गेलो हातपांय धाडायत ते बोबो मारपाक लागले गणेशान रोखडीच ही खबर वाळपय कळयली. इन्सपेक्टराचो वाळपयकारांक राग आसलो. आमदाराचे आयकून तो बेठोच

विरोधी पक्षाच्या लोकांची सतवणूक करतालो. तांकां राजकारण करपाक भांडवल मेळ्ळें.

"गणेश, तुमी बॉडी ताब्यांत घेवं नाकात. आमी पणजें मोर्चो हाडटात. मुखेलमंत्र्याच्या बंगल्याचेर खेमल्याक कोणी मारलो ताची चवकशी जावन सगळ्या पुलिसांक ख्यास्त जावपाकूच जाय. तो मेरेन बॉडी घेवप ना."

गणेशान लेगीत मान हालयली. दोन वरांनी पणजे धुमशेणां सुरू जालीं. सगळे पत्रकार, टिव्ही चॅनलवाले हांची धांवपळ सुरू जाली. आपल्या गाळी खातीर फकत वाळपय गांवांत नामना जोडिल्लो खेमलो पुराय गोंयभर फामाद जालो. लोकांचें एकूच मागणें आसलें. सगळ्या दोशी पुलिसांक निलंबीत करपाचें. पुलीस स्टेशना वयल्या विरोधी पक्षाच्या बरे मागपी एका पुलिसान विरोधी पक्षनेत्याक रातची घडणूक तिखट मीठ लावन सांगली. इन्सपेक्टर दीस भर बजार आसलो. तातूंत भूक लागल्या आनी जेवण दिनात म्हण खेमल्यान कादयेंत वावाळ घालपाक सुरवात केली. इन्स्पेक्टरान दीस भराचो सगळो राग पवाराक दांगडा घेवन खेमल्याचेर काडलो. खेमलो म्हणजे सारो पिवून पिवून वरगेल्लो वासो जाल्लो, कांय मिणां भितर जमनीर पडलो.

"खेमल्याला न्याय मिळालाच पाहीजे" म्हण पुराय पणजे हाल्ली. पोस्टमॉर्टम रीपोर्ट मेळटकच मुखेलमंत्र्याची खात्री पटली की खेमल्याक बरोच मारिल्ल्यान मरण आयलां.

दुसऱ्या दिसा सगळ्या दिसाळ्यांनी खेमल्याची हेडलायन केली. इन्सपेक्टर पवार आनी हेर दोन पुलिसांक निलंबीत जावचें पडलें. गणेश आनी सुकांती परस विरोधी पक्ष फुडाऱ्यांचे फोटो ठळकपणान छापून आयले.

मेलो जाल्यार कुत्राय येवचो ना लोकडो घालपाक." असो स्त्राप घेवपी खेमल्याच्या मरणाक पणजेच्यान लेगीत लोक आयले आनी ताच्या पेटिल्ल्या सरणाची लेगीत हेडलायन जाली.

दिस गेले तशें खेमल्याच्या मरणाचें दुख्ख ल्हव ल्हव कमी जालें. बाराव्याक खुबशा लोकांनी श्रद्धांजलीची जायरात छापून हाडली. खेमल्याच्या नांवान जाल्ल्या लोक आंदोलनाचें श्रेय घेवपाचो तो एक प्रयत्न आशिल्लो. गणेशाकूय बापायचो फोटो पळोवन कौतूक दिसलें. जितो आसतना ह्याच लोकांनी गाळी घातल्यो आनी आयज ह्याच लोकांनी तुज्या आत्म्याक शांती मेळूं म्हण जायराती दिल्यात. जायराती वाचतनाच ताचें लक्ष आनीक एके जायरातीचेर

तें. वाळपय पुलीस स्टेशना वयल्या सार्वजनीक गेणश मंडळाच्या सोर्तीचो ड्रा
ापून आयिल्लो. सुकांती कडल्यान ताणें सोर्ती मागून घेतल्यो आनी तो नबंर
ुळोवन पळोवपाक लागलो. चार सोर्ती फुकट गेल्यो पूण पांचवी मात नंबरांक
बर जुळून आयली आनी गणेशान आसा थंयच नाचपाक सुरू केलें. बापायच्या
ाराव्याक नाच करपी घडये गणेश पयलोच पूत आसतलो.

***

दारान स्वताची मारुती व्हॅन उबी करपाचें सपन खरें म्हणल्यार खेमल्याचें
ाशिल्लें. पूण पुराय जालें तें तो मेल्या उपरात. सोर्तीक फुटिल्ली व्हॅन आयज
ारा सामकार आसा. आपलो घोव आसलोच पुण्यवान अशे सुकांतीक लेगीत
ेसपाक लागलें. बाराव्याक गणेशान बापायच्या मरणाची बारीकशी जायरात
ेल्ली पूण 'मासीक स्मृती दिनांत' मात बरी व्हडली छापली आनी बरयलें
तुमच्या आठवणींशिवाय एकही दिवस सरत नाही. तुमचीच पत्नी सुकांती व
ुत्र गणेश...."



डार्लींग अबोड

हांव तो धवोफुल्ल शर्ट...

म्हज्या धनयान लग्नाक घेतिल्लो. ही कापणी म्हज्याच शर्टा सावन सुरू जाता. [illegible] कशी शानर शर्ट पळोवन मागीर म्हाका पसंद केल्लो. खूब खोस जाल्ली तेन्ना. पुण [illegible] खोस जाल्ली [illegible] घडी मोडिल्ली. खूब लोकांनी धनयाक म्हळें लगीत nice shirt ha!... तर आयज पुराय दोन वर्सां उपरांत म्हजी घडी परत मोडल्या. [illegible] आयज धनयाच्या लग्नाचो तिसरो वाडदीस. [illegible] खुबर ना. पुण घडी मोडिल्ली आनी परत [illegible]. [illegible] आनी मागीर या [illegible] "[illegible]" आयकून [illegible] दिसले [illegible] "How are you?"

[illegible] आनी तुमकां [illegible] समजून घेवपाचें स्वातंत्र्य दितां.

हा बरावेर धवोफुल्ल शर्ट घातिल्लो आरमांद. [illegible] मिरामाराच्या फोरपस हॉटेलांत मोठो बुक घेवन पावलो. [illegible] आसा. आरमांद हो तरणाटो आसात एक २० वर्सांचो. फामाद इंजिनियर. ताच्या काळजाचो कुडको ह्या हॉटेलांत आसा. पुराय दोन वर्सां जालीं. लग्नाचो पयलो वाडदीस लोक मोठ्या दबाज्यान मनयतात. पुण आरमांदाचो पयलो वाडदीस लगीत हांगाच जाल्लो आनी आतां दुसरो लगीत. ताच्या काळजाचो कुडको म्हणल्यार ताची मोगाची

घरकान्न पर्पेचुआ. पयल्या वयल्या बाळटेरपणांतूच ह्या संवसाराक अंतरली. व्ररो गोरो गोमटो भुरगो आरमांडाक दिवपाक मात विसरली ना. आपले घरकान्नीच्यो यादी तो आपल्या भुरग्याक खेळयतना मदीं मदीं विसरतालो पूण मोन्यानी रडप मात विसर नासलो.

"वेलकम सर, हाव आर यू?" रिशेप्शनिस्टान स्मीत हांस्य करीत आरमांडाक येवकार दिलो.

"फाईन ज्युली, सगळीं जाणां कशीं आसात?" आरमांडान बुके टेबलार दवरीत विचारलें.

"सगळीं बरीं आसात सर, ही तुमची चावी. तुमी फुडें वचात. रूमबॉय केक घेवन येतलो."

"थॅंक यू डियर. गॉड ब्लॅस यू." अशे म्हणत आरमांड चावी घेवन भितर सरलो. या हॉटेलांत सुमार शंभर तरी मडीं आसात. सगळीं सजयल्लीं. लग्नांतल्या भेसान. जण एकल्याक चावी आसा. प्रत्येक चावेक कोड आसा. चावी घातले बराबर धा मिनटां भितर प्रायवेट रुमांत तुमच्या मनशाची मेल्ली कूड पावता. तुमी कितलींय वरां हांगा बसू शकतात. कितलेय केल्यार भायले लोक विजीटर्स न्ही.

पर्पेचुआचो कांशाव रुमांत पावले बराबर कांय खीण आरम्गंड त्या काशांवाक पळयत रावता. ताचे एक मन म्हणटा फोड तो काशांव आनी मार वेग तुज्या मोगाक. दुसरे म्हणटा नाका सासणाचे मागीर वेग सोडाच ताका पळोवपाक लेगीत मेळचे ना. "हॅप्पी वॅडीग एनवर्सरी सर." रूम बॉय ताका मुजरत परबीं दिता आनी केक कुशीच्या टेबलार दवरून दार लावन तो भायर वता. त्या प्रायवेट रुमांत आतां तीं दोगांच. लग्नाचे पयले रातीक जशे काळीज धडधडटाले तशेंच आरमांडाचें जावपाक लागलां. भंयान न्हय. ताका दिसता पर्पेचुआ आतां उठ्ठलें आनी म्हणटले, "show my gift" म्हजी भेटवस्तू दाखय" तो त्या काशांवाचेर दोनूय हात दवरून ताका पळयतूच रावता. ते सुस्त न्हिदलां.

फाटलीं दोन वर्सां जालीं ते अशेंच न्हिदलां. ताका दिसता ताणें विचारचे, "म्हजो बाब कसो आसा? दांत आयल्यात एक - दोन? रडटा रातचो? म्हजे दूद ताका दिवपाक पावलेच ना रे?" पूण ते कांयच उलयना. हातांतलो बुके काडून तो ताच्या पांयां कडेन दवरता. ताचे पांय खरेंच सोबीत. मोव मोव ल्हव

ल्हव तो पुराय काशांवाचेर हात भोवडायता... जशी किते आयज लग्नाची पयली रात. दोळ्यांतली दुकां तो आडायता. किद्याक तर आयज बरो दीस आनी पर्पेचुआ सदांच म्हणटाले ब-या दिसाक केन्नाच दुकां काडचीं न्हय.

"मोंगा, कशें आसा? Missing me? डोण्ट वरी. बाव मांठो जावन लग्न जावंदी. हांगा तुजे कुशीक यंवन न्हिदतां पळय... तुका वेगेन धंवन ... सांगतां त्या मिराडांक एकाच काशांवान न्हिदय आमकां... पूण तेन्ना तुका हांव सोबचो ना डियर ... हांव आसतलो म्हातारो आनी तू हे अशेंच बावीस वर्सांचे...." अशें खूब किते आरमांड थंय बडबडत आस्सा.

हय, हांव तो बावन्स जाल्लो चेक...

आयज हांव तसो क्लिलन जाल्लों. बॅंकच्या साद्या क्लार्कान लंगीत म्हाका कुश्चित्रीपणान हांसून कुशीक श्वाटिल्लो. आतां काय खिणानी आरमांड घरा पावतकच वावाळ जातलो. जावपाचोच. नेमा प्रमाण मिरांडाचो एक लंगीत चेक परत ययपाक जायना. किद्याक तर ताच्या हॉटेलात वेटींग लीस्ट चालू आसा. नवो गॅस्ट आयलो की भाडे लगीत चड लायपाक मेळटा. आरमांडाचो चेक बावन्स जालो आनी मिरांडान ताका पर्पेचुआची कूड करपा खातीर नोटीस धाडल्या. सध्या हांव लजेन आनी भयान मांयशी कुशीक रावतां.

"मांय तुवेन चेकार कितले पयशे बरयिल्ले?"

"सोगले पुता."

"पूण हांवेन तुका सांगिल्लें न्हय, ह्या म्हयन्यात ऑडिटाक लागून पगार उसरा पडपा आहा. हॉटेलाचें पंधरा हजार भाडें दवर आनी हेर काडल्यार उपकारता म्हण."

"हांवे ते दुड्डू खंयच मोडले नात. म्हजे आलमारीत दवरल्यात हांवेन ते."

"मांय, मागीर जर तुका गरज नासली तर तुवेन म्हजे कडेन ब्लॅन्क चेक मागलोच किद्याक?"

"पुता, तातूंत म्हजो सुवार्थ आसा. हांव कितले दीस अशे वळवळे काडटली. हांव जाणटी जाल्यां. त्या सान बाळकाक सांबाळपाची शक्त ना रे म्हज्यांत. आनी जो मेरेन पर्पेचुआची कूड कॉरपस हॉटेलात आसा तो मेरेन तूं काय लग्न करपा ना! म्हाका जमता जाल्यार गुन्यांव भोगसं." आवयच्या दोळ्यांतली दुकां

ःका स्पश्टपणान जाणवली. त्या घरात खूब वेळ शांतताय पातळिल्ली....

ा, हांवूच तो मोबायल...

म्हजे काम कितें? लोकांक संदेश पावोवपाचें. आरमांडाच्या काजाराक ानी म्हाका ह्या घरांत तितलींच वर्सां. पर्पेचुआन गिफ्ट म्हूण म्हाका बॉक्सांत ालून, गुलाबाच्या पाकळ्यांनी सजोवन आरमांडाक दिल्लो. अजुनूय त्या लाबाचो परमळ नाकांत आसा. आरमांडाच्या हनिमुनाक ताच्या तवनास श्टांचे नाकाजाल्ले एसएमएस पावोवपाचें काम जशें हांवेन केलां तशेंच र्पेचुआक दीस गेल्यात ही खबर लेगीत हांवेनूच सगल्यांक सांगल्या.... आनी She is resting in peace" हो संदेश लेगीत रडत रडत हांवेंच सगल्यांक ांगला. पर्पेचुआ मेलां असो संदेश हांवें कोणाकूच धाडूंक ना. किद्याक तर ताणें यलींच थारायिल्लें ताची कूड हॉटेलांत दवरप. ताणें लोकांक, सोय-यांक ांगिल्लें, तें आसा. तें विसव घेता. न्हिदलां! केन्ना उठत सांगू नजो....!

" बाब, कितें चिंत्ता?"

"कांय ना मांय! हो चोय वतां हांव कूड हाडपाक. नोटिशेंत बरयिल्लें ासा. पांच जावचे पयलीं कूड व्हरपाक जाय. ताचे पयली सगळ्या सोय-यांक ानी इश्टांक एक एसएमएस धाडटां.

"She is no more..."

हय! हांवूच तो धवोफुल्ल शर्ट...

ही काणी म्हजे सावन सुरू जाता आनी म्हजे वांगडाच सोंपता. ते दिसा लग्नाच्या वाडदिसाक म्हाका खूब वायट दिसतालें. आनी आयज तीन म्हयन्या उपरांत हो खीण. आयज घडये आरमांड म्हाका निमणो घालत. आयज सांजचे पर्पेचुआचे निमणे संस्कार. मागीर ती पवित्र कूड अनंतांत विलीन जातली. हरशीं म्हण सैमाची वस्त ती. सैमाक परत करपाकच जाय न्हय! जितले वायट आरमांडाक, म्हज्या धनयाक दिसता न्हय! तितलेंच वायट आयज म्हाका दिसपाक लागला. खरें म्हळ्यार जेन्ना जेन्ना हांव धनया वांगडा त्या हॉटेलांत गेला तेन्ना तेन्ना हांव लजेन थरथरलां... पर्पेचुआच्या आंगार जो लग्नाचो धवोफुल्ल गावन आसा न्हय हांव ताच्या मोगांत पडलां. आरमांडाच्या लग्नाचे

पयले रातिकुच तसो हांव त्या गावनाच्या मोगांत पडिल्लों. रातभर आमी दोगांय सोप्याचेर वांगडाच बशिल्लीं. हो पळय हॉटेलाचो धनी मिरांडा आमची वाट पळयता.

"sorry Mr. Miranda. हांवेन मुदाम चेक बावन्स करूंक ना. म्हज मायन मात्शी पिशपणां केलीं. पुताच्या मोगान आनी नातवाच्या." आरमांडान मिरांडाक सांगलें.

"पुता, हांव तुकाच रावतालों. हांवेन सहज म्हूण व्हिजीटर्स डायरी पळयली जाल्यार एक गजाल लक्षांत आयली आनी ती म्हणल्यार हेर कुडीच नातलग वर्साक दोन वा तीन फावटीं हांगा आयल्यात जाल्यार तूं मात सदां हांगा येवन गेला. यू रियली मिस हर! रायट? चल फकत तुजे खातीर हांव म्हजो नियम कुशीक दवरतां. "You can keep the body."

"खर्यांनीच? देव बरें करूं मिरांडबाब."

"पुता, हो घे तुजो बावन्स आंतलो चेक. जाय तितले पयशे हाडून भर."

आरमांडाक हांसचें काय रडचें कांयच कळना जालें. तो धांवत पर्पेचुआच्या रुमा कडेन गेलो.

हय! हांव तो धवाफुल्लन शर्ट . हांव आतां दोन खिणां भितर म्हज्या मोगा कडेन आनी आरमांद आपल्या मोगा कडेन . बागडा जाचे खातीर कथा घडटा ती चेक आसा आनी मोबायल लेंगीत



...किंग निवस

भानुशालीक अटक केल्या हें कळना फुडें तिची धाकटी भयण फुलवंती ...खडीच मदेपुरा गांवान आपल्या भाचरां कडे पावली. बंगाल पुलिसांनी ...ानुशालीक एका मोठ्या प्रकरणात अटक केल्या. प्रकरण सादें सुदें न्हय तर ...काच वेळार त्या वाठारांतल्या धा आमदारांची हत्या जाल्ली. भानुशाली गांवांत ...के शाळेंत शिकयताली आनी एका बंगाली वर्तमानपत्राची ग्रामीण पत्रकार ...हूण काम करताली. धा आमदारांची हत्या हें प्रकरण पुराय देशांत गांजपाक ...ागलें. सगळीं चॅनलां, वर्तमानपत्रां हेच गजालीक ठळकपणान मांडपाक ...ागिल्ल्यो. भारत सरकारान हें प्रकरण खुबूच गंभीरतायेन घेतिल्लें. नक्षलवाद्यांच्यो ...ारवायो दिसान दिस वाडत चलिल्ल्यो. हरशीं सामान्य गरीब लोकांक मारपी ...ग्रा मनीस खायर्यानी आतां तर देशाचे लोकशायेच्या प्रतिनिधीक मारून ...उडयल्ले. सगळी यंत्रणा ह्या विशया फाटल्यान लागिल्ली. नक्षलवाद्यांक आठ ...देसा भितर काबार करपाची येंवजण सरकार करतालें आनी तेन्नाच तपास ...करपी यंत्रणेक तिसर्याच दिसा खबर कळ्ळी की आमदाराक मारपाच्या कटांत ...भानूचो आसपाव आसा. तेच रातीक पुलिसांनी भानुच्या घराक घेरो घालून ...भुरग्यांक कायच कळचे पयली उखलून व्हेले.

ती नक्षलवाद्यांक सामील आसा हें मदेपुर गांवांतल्या जण एकल्या ...मनशाक खबर आसलें. पुलिसांच्यो कारवायो पत्रकार ह्या नात्यान तिका कळटाल्यो आनी रोखडीच मागीर ती ही खबर नक्षलवाद्यांक पावयताली. पूण नक्षलवाद्यांच्या भंयान कोणूच ही खबर पुलिसाक सागूंक तयार नासले. पुलिसांक तिचेर संवशय आसलो पूण पुरावे नाशिल्ले. वयल्यान एक बायल मनीस. प्राव्या शिवाय अटक केली जाल्यार महिला आयोग फाटल्यान लागतलो. तिचे विरुद्ध साक्ष दिवपाक धा साक्षिदार मेळ्ळ्यार पुरो आसले. पूण प्रत्येकाक आपल्या जिवाचो भंय दिसतालो. लोकांक अजाप दिसताले ही

नक्षलवाद्यांचे भकीक पडलीच कशी.

दुस-या दिसा टिवीचेर भानूचें थेट प्रक्षेपण सुरू जालें. हे घडणुकेक राष्ट्रीय घडणुकेचें स्वरूप आयिल्लें. तिका कार्टान व्हरतानाचें 'फुटेज' लोकांक दिसपाक लागलें.

"म्हाका हांतून विनाकारण शिरकयलां. म्हजो कांयच गुन्यांव ना. ज्या नक्षलवाद्यांनी म्हज्या घोवाचें अपहरण केलां ताकांच हांव कशें कितें पालव दिवं शकतां. एक पत्रकार ह्या नात्यान हांवें तांचे कडेन लेख बरोवपा खातीर काय दिसां पयली भासाभास केल्ली." भानू पत्रकारा कडेन उलयताली. पत्रकारूच पेचान पडले. खरें कितें फट कितें हें ताकांच कळना जालें.

आपल्या आवयक टिवीचेर पळोवन चार वर्सांचो धनू, पांच वर्सांची सौमित्र खुश जालीं. पूण वडलें आठ वर्सांचें कान्तश्री काबावून जालें. फुलवतीन रावळेंच ताका गोपांत घेतलें आनी सांगलें, "तुमची आई बरी मनीस जाल्या. आतां ती सदां टिवीचेर दिसतली तुमी अभिमान बाळगात." दुसरो आमदाराच्या हत्ये खातीर गांवांन राजकीय दुख्खवटो जाहीर जाल्लो. शाळा व्यापार सगळें बंद आशिल्लें. सगळे कडेन शोकसभा चालू आशिल्ल्यो. फुलवतीक कितें दिसलें कोण जाणा. ताणें रातदीस भावाक बळयली आनी बॅग भरपाक लागल्यो. "चला वेगीन आदल्या रातीं जावया. मजून कारखान्याची दुसरी शिफ्ट सोंपूंक ना." फुलवतीक खबर आसा ते रातवी बाबा भरून गांवांत पैरादारी आसता. मागीर सगळी शुरशुराट जातली आनी पुलिसांक तोंड दिवप कठीण जातलें. भरणीची नावरा आनी शापाप जे जे आसलें तें घेवन ताणें भाचरांक घेवन आपली स्फुर्ती शुरु केली. मावशी अशी कित्याक करता हें तांकाय कळना जालें.

ताचो निर्णय बरोच वेळेर आसलो कारण जाण्विकाय ताका दुसऱ्या दिसा काळून अपघाती टिवीचेर ताच्या भावाचें घर धगधगीत उज्वांत जळटना दिसतालें. मेल्ल्या आमदाराच्या समर्थकांनी ताच्या घराक उजो लायिल्लो. त लोक ह्या पोराक लगीत सोडताले

"सोदात त्या नागिणीच्या पिलांक. तांसावून गव्बर करुया." पूण मावशेच्या शिट्टकपणाक लागून ती सांतवार जाल्ली. तांचें घर मुदपुरा सावन पन्नास किलोमिटर आनी ताच्या गांवात येवन ताच्या भाचरांक हात लावप कोणाकूच शक्य नासलें. तें त्या मतदारसंघातल्या एका राजकी पक्षाच्या युवा फांट्याचें अध्यक्ष आसले. राजकी फाटबळ आसलें तांचे कडेन. सगळ्या टिवी चॅनलाचेर

ॉन-स्टॉप भानूच्योच ब्रेकिंग निवस आसल्यो. ताका कोर्टांत सादर केलां.... ाका मेडीकल चेकपाक व्हेलां... ताचो जामिन अर्ज भायरायला.. तांचे घर ासलां....

टिवीचेर बंगाली बातम्यो लावप ना अशें फुलवंतीन घरांतल्या जण ्कल्याक शिटकायल्लें. फकत इंग्लीश बातम्यो लावप. आपले व्हडले धुवेचेर ायिल्लो आकांत सगळीं जाणां उगड्या दोळ्यांनी टिवीचेर पळयतालीं. सगळीं ॅनला ल्हव-ल्हव भानूक व्हिलन करपाच्या कामाक लागिल्लीं. त्यो बातम्यो ायकून भाचरांचेर परिणाम जांवचो न्हय म्हण तें घडपडटालें.

"मावशे, आई केन्ना येतली? अजून कितें करता ती टिवीचेर?" धाकटें वेचारतालें. तांची आवय तांकां सोडून गेल्यार आयज पांच दिस जाल्ले.

"हे पळय राजा, आईक बंगाली सिरीयलींत काम मेळ्ळां. सद्दां शुटींग चालू आसता. सिरीयल सोपतकच ती येतली. खूप पयशे हाडटली... कार हाडटली... मोठे घर बांदतली. सौरभ गांगुली लेगीत तुमगेर जेवपाक येतलो येदी व्हड जातली ती..."

ह्या असल्या गजालींचो परिणाक धाकट्या दोगांयचेरूच जाताल्यो. पूण व्हडलें घडये सगळें खबर आशिल्ले वरी करतालें. कितें तरी वेगळेंच घडटा हें ताका बेसबरें खबर आसलें.

"मावशे, आमचें घर सिरीयलवाल्यानी किद्याक जाळ्ळें?" सौमित्र मदींच विचारपाक लागलो.

"अरे, थंय आता व्हडलें घर बांधपाक जांय न्हय." अशे तरेन तें तांकां समजयतालें. पूण तांचे प्रश्न वाडत चल्ल्यात हें ताका जाणवतालें.

आयज दुखवट्याचो निमणो दीस. मागीर शाळा सुरू. फुलवंतीचेर आकांत आयलो. हांचे शाळेचें कितें करचें? मधेपुरांत आतां तांकां घर लेगीत ना. आतां हांगाच शाळेंत घालचीं पडटलीं तांकां.

"मावशे, बेगीन यो. पळय, टिवी पळय. आईक गुळयो घालपाचो सीन चल्ला." धाकट्यान ताका उलो घातलो. जिवाच्या आकांतान तें भितर धावले आनी टिवी पळोवन सोप्याचेरूच आडवें जालें. पूण रोखडेंच सादूर जालें. कांताश्रीच्या दोळ्यांनी दुकां आसलीं.

मेल्ल्या आमदारांच्या कांय कार्यकर्त्यांनी भानूक कोर्टांत व्हरतना ताच्या सामकार येवन ताका गुळयो घातिल्ल्यो. भानू वांगडा दोन बायल पुलीस लेगीत

वांगडाच कोसळिल्ल्यो. लोंक सैरभैर धांवतना दिश्टी पडटाले. ब्रेकिंग निवस म्हण्टाले भानूक चार गुळयो लागल्यात. ताका हॉस्पीटलांत व्हेलां. ताची जगपाची आस सामकी उणी आसा. हरशीं ह्या दिसांनी त्या घरांत नाका जाल्ली ताण आसतालो. पूण आयज सगळेच चड आक्रस्तायेच जाल्ले. "टिवी बंद करात." अशें भुरग्याक कशें सांगप हें विवंचनेंत आसतनाच फुलवंती उठून भायर गेलें आनी ताणें मॅन फ्यूज काडलो.

"आरे देवा! लायट गेली दिसता. आतां आईची ऍक्टींग चुकतली," सोमित्रान म्हणलें. घरातली बंगाली चॅनलां पुराय बंद आसलीं. फकत इंग्लीश बातम्यो आशिल्ल्या कारणान ताका उलयतात तें कळनासलें. देखून मादरेन सांगलां तें भशेन आईक सिरीयलान काम केल्लें अशेंच तो समजतालो.

भानूच्या मरणाची खबर दुसऱ्या दिसा ब्रेकिंग निवज जाली. आतां निमणे संस्कार करतलो कोण? [illegible] नक्षलवाद्यांनी पांच वर्सां फाटींच उखलून व्हेल्लो. तो जिवो आसा काय ताका मारून उडयलो हें कोणाकूच खबर नासलें. [illegible] आपल्या ताच्यांत [illegible] अशें फुलवंतीन [illegible] पूण निमणे संस्कार करतलें खंय? भानूच्या [illegible] शरीर ना [illegible] करपाक दिवचे नात. कुळारा लोक [illegible] [illegible] ताणें पुलिसांक पत्र बरयलें "[illegible] [illegible] [illegible] आमकां नाका. [illegible] नक्षलवाद्यांनी [illegible] ताका सोडून [illegible] [illegible]." फुलवंतीचें पत्र पावतें करतलोच पुलिस कडेन भानूच्या [illegible] वाट पळिल्ली. "भानूचें [illegible] दिवंक नात. दोन दीस वाट पळयात.

[illegible] सांगयता [illegible]." पुलिसांनी पत्रकार परिशद घेवन ही सगळी माहिती लोकांक दिली. फुलवंती विचार करपाक लागली. "[illegible] नक्षलवादी [illegible] [illegible] ही खबर आमकां [illegible] सांगलीना? [illegible] [illegible] गुपीत [illegible] लिपोवन [illegible]? पूण [illegible] नक्षलवादी जावंचे [illegible] [illegible] अशें [illegible] प्रस्न घेवन ते विचारचक्रांत घुंवत रावले.

पत्रकार परिशद जाले बरोबर पुलीस सक्रिय जाले. खास लश्कर मधुपुरा पावलें. [illegible] आमदाराक [illegible] शक्तीत ते घातक आसतात. ते कितेंय करूंक शकतात हाचो अदमास घेवन पुलीस सावधान दल, खास कमांडो आनी लश्कर हांणी मधुपुराच्या रानांत पिंजून काडपाक सुरवात केली. नक्षलवाद्यांचो पोरावण खरें म्हळ्यार काय राजकी पक्षांनीच केल्ली. पूण सद्याची परिस्थिती

यानक आसली. देखून सागळे वोग्गी आशिल्ले. 'ऑपरेशन मदेपुरा' अठरा रां चल्लें. सुमार दोनशें नक्षली मेले. कितलो तरी शस्त्रसांठो पुलिसांक मेळ्ळो. सुमार तिनशें नक्षली आपल्या बायल भुरग्यां वांगडा पुलिसांक शरण आयले. मदेपुरा गांव टिवीचेर गांजतालो.

फुलवंतीन वेळ केलो ना. तें मदेपुरा पावले. आनी पुलिसां कडेन वचून आपली वळख करून दिली.

"म्हणजे तूं तुज्या भावोजीची कुड व्हरपाक आयलां तर?" एका पुलीस अधिकार्‍यान विचारलें.

"ना. भावोजीच्या आंगार थुंकपाक आयलां. ताजे अपहरण जालां. तो ना जाला म्हूण आमी शोक करतालीं. ताच्या नांवान दुकां गाळयतालीं. पूण तो मात एक देशद्रोही थरलो.

आपूण मेलो आनी म्हजे भयणीची लेगीत वाट लावन गेलो." मोठ्या किंवाट्यान तें उलयलें. पुराय पुलीस स्टेशनाक खेळामळांचें आनी जाहीर सभेचे रूप आयिल्लें. लोक, मिडीया, पुलीस, समाज कार्यकर्ते हेवटेन तेवटेन धांव-धांवताले. सगळे कडेन रड आनी हुयेली चालू आसल्यो. गांवच्या खूबशा तरणाट्यांक पयशाचो हावेस दाखोवन त्या लोकांनी नक्षली केल्ले. तांच्यो कुडी मैदानाचेर दाळून दवरिल्ल्यो. तांचे सोयरे, घरचीं वचून थंय रडत बशिल्लीं.

पुलिसांक शराण आयिल्ल्या नक्षलींच्यो बायलो थंय आपल्या भुरग्यांक घेवन उब्यो आशिल्ल्यो. फुलवंतीचे वदळचें पुलिसां कडलें उलोवप आयकून ती ताज्या म्हर्यांत आयली.

"बांय तुजो भावोजी जितो आसा. ह्या आमच्या लोकांनी ताका एके घोलींत लिपोवन दवरला. आनी तुजी भयण लेगीत देशद्रोही न्हय. गांवकर्‍याच्यो, पुलिसांच्यो खबरो पावोवपाचें काम ती करताली. फकत आपल्या घोवा खातीर, आपल्या कुंकवा खातीर. ते तिका धमकायताले आनी जाय जाय ती कामां तिचे कडल्यान करून घेताले. पुलिसांक सांग, हांव तुका ती घोली दाखयतां." कांय खिणां खातीर फुलवंती भावनाविवश जालें. ताच्या ओंठांतल्यान उतरां फुटनात जालीं जोगलावरी तें भायर आयलें आनी मिडीयाक उदेशून ताणे हुयेल मारली.

"ये! कॅमरामन, हांगा येंयात. खरी ब्रेकिंग निवज हांव तुमकां दितां."



हनिमून तो एक...

'साडे दस बजे जानेवाली ट्रेन नं. ४४२९, कोंकण कन्या एक्सप्रेस पांच घंटे देर से जा रही है.' 'मे आय हॅव युवर अटेन्शन प्लीज ट्रेन नं...' निवेदकान अशी घोशणा दिली आनी पुराय दीस आपले सामान घेवन तिश्टत बशिल्ल्या प्रवाशांचे बेजारिल्ले चेरे एकामेकाक दिश्टी पडले. मुंबयचें सिएसटी म्हणल्यार एक म्हानगरूच कशें. एक मोठी जात्रा भरल्या अशें चित्र थंय खिणा खिणाक नजरेक पडटालें. लोकांची गर्दी सोसपाची न्हय. म्हज्या मनाक सदांच प्रस्न पडटात, इतले लोक वतात तरी खंय? येदोळ्याच्या घोशणेन लोक बेजार जाल्लेच. तांणी थारायले आतां पांच वरां मळ्ळ्यात थंय लवडचें. खुपश लोक बॅगां घेवन वेटींग रूमा वटेन गेले. हांवूय तांचे फाटोफाट पावला मारली. मदीच पांच वरां काडपा खातीर 'इंडिया टुडे' म्हयन्याळें घेतलें. वेटींग रुमांत लोकांची उपाट गर्दी पडिल्ली. पाय दवरपाक लेगीत जागा नाशिल्ली. दोन मनशां जाल्यार तांची चार पांच बॅगां अशें समिकरण जाल्ल्यान पुराय रूम भरून गेल्लें. हांवेन थारायलें ह्यागा रावपात अर्थ ना. पांच वरां ख्यूंयतरी भोंवून वेळ काडचो. इतल्यान निवेदकान आनी एक काळजाफुटी घोशणा केली. आमची ट्रेन सकाळीं साडेपांचांक सुटटली. रेल्वेच्या कारभारा विशीं म्हाका आतां मात तिडक येवपाक लागली. पुराय रातभर भोंवतलों तरी खंय?

"चल यार, ठाणा चलते है लोकल पकडकर. उधर का वेटींगरूम खाली रहता है." म्हज कुशीक उबो आशिल्लो तरनाटो उलयतालो. घडये तो सदा भोंवपी आसपाक जांय. म्हज खातीर ही सार्त आसली. लायनीत उबो रावून हांवेन तिकीट काडून ठाण्याची लोकल धरली.

ठाण्याचो वेटींगरूम तसो बराच व्हड आसलो. आसतल्यो एक पंदरा खुर्च्यो आनी दोन टेबलां. बेगीन वचून हांवेन एका कदेलाचो ताबो घेतलो. सामान कदेला पोंदा दवरून हांवेन वाचपाक कोमेंस केलें. थारायल्लें न्हीद

आयली म्हणटकच कदेलाचेरूच लंवडचें. इतल्यात दारातल्यान एका नवेंच भजारी जोडपें भितर सरलें. निकतेंच लग्न जालां म्हणपाच्यो सगळ्यो कुरवो दोगांयच्या आंगार आसल्यो. चलयेच्या हाताचेर ताज्जी मेथी, हातांत हातभर चुडो, जिवो तट्टटीत मेकअप, नवेच कपडे सगळें गवाय दितालें नव्याच लग्नाची. घडये चार दिसां पयलीं जालां जावं येत. भितर सरून तांणी नदर भोंवडायली. कदेलां सगळीं भरिल्लीं. बसपाक जागो ना.

"भाईसाब, हम इधर अपनी चादर फैलाते है, आपके कुर्सी के पास. आप को कोई तकलीफ तो नही ना?" त्या जोडप्यांतल्या दादल्यान म्हाका विचारलें.

"नो प्रॉब्लम" अशें हांवेन म्हणलें आनी वाचपाक सुरवात केली. बेगांतल्यान चादर काडून तांणी ती थंय हातरायली. बॅगो म्हज्या पांयां कडेन दवरून तांणी थंय पांय लांब केले.

ती दोगांय पंजाब साकून आयल्यांत. लग्नाक चार दिस जाल्यात. हनिमुना खातीर गोंया वतात. तीं लेगीत आठ दिसां खातीर, ह्या तरांच्यो खूबशो गजाली म्हाका तांच्या उलोवण्यांतल्यान जाणवल्यो. रातचीं बारां वरां जाल्ली. रुमांतले सगळे अर्दकुटे न्हिदिल्ले. ह्या नव्या जोडप्यान हातरिल्ले चादरीचेर तीं दोगांय आड पडलीं. दादल्यान बॅगांतल्यान आनीक एक चादर काडली आनी बायलेच्या आंगार घाली.

"थंड है इधर और मच्छर भी काटेगें, आप भी आ जाओ चादर में." ते बायलेन ताका ओडीत म्हणलें.

"पागल हो गयी क्या. लोग क्या कहेंगे? तो मात्सो लजलो आनी तसोच बसून रावलो. रात बरीच जाल्ली. भायर स्टेशनाचेर गाडयो येताल्यो वताल्यो. निवेदकाचे निवेदन वेळा प्रमाण चालूच आशिल्लें. हांवेन नदर भोंवडायली. आमचे भितर चार पांच तरणाट्यांचो एक पंगड आशिल्लो. घडये कॉलेजींतले आसतले. हांसताले, खिदळताले, मजा करताले. कांय जाण न्हिदिल्ले. कांय जागे आसले. हांवेन म्हज्या पांयां कडेन सकयल पळयलें. तो दादलो ल्हव ल्हव चादर आपले कडेन ओडटालो.

"ये। मैं आ जाऊ क्या तुम्हारे चादर में?"

"मैने कब मना किया है. आ जाओ" तो ल्हवूच ते चादरीन भितर गेलो आनी बरो भुरगो कसो वोग्गी न्हिदलो. म्हजी एक नदर परत परत त्या दोगांचेर वताली.

“ये क्या कर रहे हो? लोग देख रहे हैं ना. छोडो ना मुझे शरम आ रही है.” ते बायलेचो ल्हवूच अस्पश्टसो आवाज फकत म्हज्याच कानार पडटालो.

“लोग सो रहे हैं. और मैंने चादर जो ओढ ली है.” ताणें ताका विश्वासान घेत म्हणलें. काय खीण कसलीच चुळबूळ ना आवाज ना.

“क्या कर रहे हो? वहां से हात हटाओ प्लीज”

तांचो फुसफुसपाचो आवाज म्हाका येतालो. तिच्या नदरेन हांवेन सकयल पळयलें. घडय दोगाय एकामेकाच्या गोपांत आशालीं.

“हम लोग हनीमून पर हैं ना. कुछ भी कर सकते हैं.” तो

“मालूम है लेकीन यहां नहीं. होटल में पूरे आठ दीन कर लेना जो करना है.. पर अब प्लीज छोड दो.”

पुराय रातभर एका मर्यादीत बंदनांनी तांचो श्रृंगार चालू आसलो. कांकणाच्या खळखळशा आवाजा वयल्यान म्हाका सगळें कळटालें. म्हज न्हिदें कडेन कोणेंच लक्ष नाशिल्लें. पूण सगळ्या पांयांचें घाडसून जाय नासलें.

“कोंकण कन्या” एकदम “लेट” हो गया. उठो उठो.” अशें कोणेंतरी म्हणलें आनी त्या डब्यांतलो काळोख उजवाडाच्या 'नॉर्मल' परिस्थितीत आयलो. लोकांची गडबड सुरू जाली. म्हज्या पयस सामकारलें जोडपें बेगीन उठलें आनी चादर घडी करपाक लागलें. सगळ्यांनी बेगीन स्टेशनार देंवन पायलां उबारलीं. हांव त्या जोडप्याच्या फाटल्यान चलतालों.

“रातभर मजा आया यार. 'फुकट का पिक्चर.'” हीं उतरां आमच्या कानार पडलीं. आमच्या डब्यांतले [illegible] ते तरणाटे हिंड आशिल्ले. त्या जोडप्या कडेन पळोवन ते भोवल्या-भोवल्यान हांसताले. म्हणजे ते तरणाटे रातभर जागेच आसले तर? पूण पिक्चर कशें पळयलें. पुराय काळोख आसलो न्हंय? म्हाका कळ्ळें त्या तरणाट्यांनी ते बायलेच्या कांकणांच्या आनी पायजणांच्या आवाजा वयल्यान आपलें एक चित्र तयार केलां जावं येत.

“देखा ना, मैं बोल रही थी. छोड दो मुझे... सबने देखा.” ती बायल लजेन मान सकयल घालून पुटपुटाली.

“अरे! देखने के लिए मैंने क्या किया? बस तुम्हें लिपटकर तो सोया था बस एक दो किस लिये होंगे. वो भी अंधेरे में. वो बच्चे मजाक कर रहे थे.” ताणें तिका समजावपाचो यत्न केलो.

“कुछ मत बोलो. तुम लडके होते ही बेशरम हो.”

ट्रेन पलाटाचेर येवन थार मेरेन तांचें उलोवप आनी वाद घालप चालूच असले. हांवेन पळयलें उतराक उतर वाडत आसा. चड वाडचें न्हय म्हण हांवेन नदीं तोंड घातलें.

"गूड मॉर्निंग. कहा जा रहे हो?" दोगांय वोग्गी.

"गोवा" ताणे तितलेच म्हणलें.

"मैं भी गोवा. ये लो आ गयी ट्रेन" हांवेन म्हणलें आनी म्हजें सामान घेवन उबो रावलों.

योगायोगाची जगाल म्हणल्यार आमचो दोगांचोय बी-१ टू टायर आशिल्ल्या कारणान एका कंपार्टमेंटांत आमी चारूच प्रवासी. टिसी आयले उपरांत कळ्ळें आमचो चवथो येवंक ना. म्हणजे आमी तिगांच. मुंबय साडेपांचांक सुट्टिल्ली ट्रेन ठाण्या स वरांचेर पाविल्ली. हांवेन थारायलें णव जाय मेरेन न्हिदून सोडचें आनी हांव म्हज्या बर्थाचेर आडवो जालों. त्या नव्या जोडप्याचो राग निवळूंक नाशिल्लो. दोगांय उलयलीं नात. आपापल्या बर्थाचेर आड पडलीं.

" चाय वाला, चाय वाला." अशीं उतरां कानार पडलीं आनी हांव जागो जालों. णव जाल्लीं. रातच्या जागरणाक लागून दोळो बरोच लागलो. सकयल नदर मारली जाल्यार ती नवी व्हंकल ताका घोवाक खातकुतल्यो करता. पूण तो मात रागाचो शेक दाखोवपा खातीर वोग्गी आसा. कांयच प्रतिसाद दिना. "बेशरम" हे उतर ताका घडये बरेच तोंपलां आसतलें. ती ताका खातकुल्यो करताली, ताचे केंस ओडटाली पूण ताचो काय प्रतिसाद नाशिल्लो. हांव उठलां आनी सकयल देवपाक सोदतां हे तांकां कळपा खातीर हांव बेठोंच खाकरलों. व्हंकलेची नदर म्हजे कडेन वयर आयली. ती सदळ बसली. म्हजी पेस्ट आनी तुवालो घेवन हांव सकयल देवलो.

"थोडा मेरे बॅग की तरफ ध्यान देना. मैं नहाकर आता हूं." हांवेन त्या दोगांकूय म्हणले. दोगांनीय मानो हालयल्यो

"लेकीन ट्रेन में बकेट किधर है?" ते बायलेन विचारलें. "बकेट क्यूं चाहिए? ये मेरा मग है ना. बस बॉडी फॅश करना है." हांवेन म्हणले आनी पड्डो उगडून हांव भायर सरलो. भायर येंवन पळय जाल्यार बेसीना कडेन धाटयाची मोठी बसकण. हांवेन किदे म्हणचे पयलींच सवकळी प्रमाण एकटी उलयली." अगले स्टेशन पर उतर रहे हैं साब."

टॉयलेटीन गेल्या उपरांत नळाक उदक खुबूच बारीक आसा. एक मग

आंगार ओंतून दुसरो भरता म्हणसर पुराय आंग सुकतलें आनी मागीर थंडी जातली. आंगार उदक सुकोवपाचो म्हजो बेत हांवेन रद्द केलो आनी हेर सगळीं कामां करून म्हज्या सिटा कडेन आयलो. पडदो उगडपाक हात घाला मात म्हज्या कानार कांय उतरां पडलीं.

"ऐसा क्या कर रहे हो? हम लोग हनिमून पर आये हैं ना. घुस्सा छोड़ो ना अभी." बायलेचो आवाज.

"अभी तूम मेरे शरीर पर क्यूँ लेटी हो. वो आदमी आयेगा अभी और देखेगा. उठो मेरे शरीर पर से." "तो वो नहाने गया है. आधा घंटा तो लगेगा. तबतक मैं और तुम चलो एक कीस दे दो." तिचो आवाज.

"मैं नहीं देता किस. हम लडके तो बेशरम है ना." तो.

"मैं देखती हुं कैसे नहीं देते किस?" ह्या उतरां वरवीं ते बायलेच्या कांकणांचो खळखळ मोठ्यान म्हज्या कानार आदळ्ळो. काय खीण कांयच आवाज ना. हांव भायर स्तब्ध उबो.

"मिठास है तेरे होंठो में" ते बायलेचीं उतरां

"अब कहो ना की लडके बेशरम है!" धोवाचीं उतरां

"किसने कहा? लडकियां भी होती है ना बेशरम." अशें म्हणून घडय ते नव दंपत्यान ताच्या आंगार झोंपय मारली आसतली. तितल्यान तर कांकणां आनी पायजणां वागडाच वाजताल्याचो आवाज म्हज्या कानार पडलो. हांवेन थारायलें करुंदी ताका तांचो हनिमून. हांव पाटीं सरलो आनी फक्त बसिना कडेन घाटयाचो पार भायर जें दिसता तें तोखेताना ते वाहूंच तोखेवपाक लागलों.



सोर्त फुटली. पूण लागली ना.

"बाबग्या, हो सगळो कचरो आयज भायर उडोवया. हे रद्दीच्या बोवाळान खूब फावटीं बरीं कागदां सोदतां म्हणसर नाका शेवट जाता."

कामत भाटकारान बाबग्याक सांगलें. बाबगो ताच्या घरांत आनी पुताच्या प्रेसांत दोनूय कडेन काम करता. भाटकारान सांगना फुडें कागदां एकठांय करपाचें काम सुरू जालें. भाटकार कागदां पळयतालो. जाय तीं कामाचीं कागदां कुशीक काडून दवरतालो आनी भायर उडोवपाचीं बाबग्या कडेन दितालो. भाटकाराक सोर्ती काडपाची खूब सवंय आसली. सार्वजनीक गणपती उत्सवाच्यो सोर्ती तर राशींनी काडटालो.

"ही सोर्त घे. सांगेंच्या गणपतीची ती. पयलें बक्षीस ट्रक आसा म्हूण पांच काडिल्ल्यो. एकूय लागली ना. निकालाच्या दुसर्‍या दिसा पेपर हाडून सगळ्यो पळयिल्ल्यो हांवेन . एकूय फुटली ना. पूण तुंवेन चार उडयल्यो ही एकूच कित्याक दवरली? उडय ती." भाटकारान बाबग्याक म्हळें. सोर्तीच्या नंबरा कडेन खेळपाची खूप सवंय. कितल्या नंबरानी गेली? दिसाक शंबर सोर्ती खपतात अशें धरलें जाल्यार केन्ना काडल्यार ही सोर्त फुटपाची हाचो तो बेठोच खेळ करता आनी खंयचो खंयचो दीस लकी हाची मांडणी करता. मागीर तो खूब फावटीं भाटकाराक सांगता, अमको दीस बरो आनी तमको दीस बरो. भाटकार ताचें केन्नाच मनार घेना. बरे, म्हणटा आनी चालीक लागता.

दोन वरां उपरात सगळो कोयर वेगळो जालो. साकांनी भरून तो

बाबग्यान व्हरून प्रिंटींग प्रेसाच्या दारांत दवरलो. खूबश रद्दिवाले प्रेसातली रद्दी व्हरपाक येतात. बाबग्यान ताचे वांगडा हे कागदूय दिवपाचे थारायले. कामताच्या पुताची हो फामांद प्रिंटींग प्रेस. गोंयांतल्यो चडशीं मशिना तो हाडटालो. प्रिंटिंगाच्या मळार नवे-नवे प्रयोग तो करतालो. कमींत कमी वीस - तीस कामगार थंय काम करतात. चवथीच्या दिसांची चडशीं दिसाळीं बाबग्यान गणपतीच्या तरेकवार फोटो खातीर सांबाळून दवरिल्लीं. वदळ भाटकारान दिल्ली सोर्त घेवन तो आपल्या मदच्या खेळाक बसलो. सिरीयल ए बरोबर. पयलो नंबर बरोबर. दुसरो, तिसरो.... चौथो.... सगले नंबर बरोबर. बाबग्याक अजाप जाले. भाटकार म्हणटालो, 'ही सोर्त फुटली ना. पूण नंबर तर बरोबर आसात. ताणे धा फावटीं नंबर जुळोवन पळयले. घडये दिसाळ्यांत चुकीचो नंबर छापला आसतलो अशें समजून तेच तारखेचें दुसरें दिसाळें सोदून काडलें आनी नंबर जुळोवन पळयले. सगळें ज्युस्ताज्युस्त. बाबगो समजलो भाटकाराचें कितें तरी चुकलां. जें सोर्तीक पयलें इनाम मेळ्ळां नाद मुद्दे इनाम न्हय, आख्खो मिनाचो ट्रक. ती सोर्त भाटकार गळी म्हणटा. बाबग्याक दीस ले वयचे आनी भाटकाराक ही सोर्त दिवची आनी शाबासकी घेवची. भाटकार चार पांच हजार बक्षीस म्हूण दीत मागीर. पूण ताचें दुसरें मन ताका म्हणपाक लागलें. भाटकाराक ट्रक मेळ्ळो कितें आनी ना मेळ्ळो कितें. कितें फरक पडपाचो आसा. घरांत लक्ष्मी सदांच वसून आसा. पूण हो ट्रक आपणाक मेळ्ळ्यार घरातले सगळे दळिद्रेर पयस जातले. हांवूय पात्राव जातलो. ल्हंव ल्हंव एकाचे पांच आनी पांचाचे धा ट्रक करून हांव मोठो मनीस जातलो. मागीर भाटकारागेर नोकरी करप ना. भाटकाराक, जाकेक भाटकाराचे मांडयेक मांडी लावन बसपाचें. भाटकाराच्या तालार नाचप ना. आमच्या गांवांत आनी हेर भायल्या गांवांनी लोक आपणाक रेस्पेद दितले. बाबग्यान परत एक फावट सोर्त पळयली. दिसाळ्या वयले नंबर पळयले आनी दोनूय वस्तू काल्सांवाच्या बोल्सांत घालून तो भाटकाराच्या पुता कडेन गेलो.

"धाकटे सायब, थोडे पयशे जाय आसले."

'तुका आनी मदींच शे पयशे जाय पडले? कितले जाय?'

"शंबर, दोनशें मेळ्ळ्यार पुरो. पगारांतल्यान वजा करात." भाटकाराच्या पुतांन कांयच म्हणनासतना दोनशें रुपया काडले आनी ताच्या हातार दवरले. देव बरें करूं, म्हणून बाबग्यान थंय सावन कूंस मारली. वाटेर सदचो हटकुपाचो कार्यक्रम करचे पयली तो घरा पावलो. दनपार जायत आयिल्ली. ताका असो मदींच पळोवन ताची बायल लेगीत अजापली. ताचे कडेन बरे अशे दोन तीन शर्ट आशिल्ले. तांतुतलो एक काडून ताणें आंगार चडयलो.

"हुमण अजून जावंक ना. मात्शे रावतात काय वतात तुमी?"

बाबग्याचे बायलेन ताका विचारलें. खूब फावटीं भाटकार ताका असोच ऐनवेळार कोणा कडेन तरी धाडटालो. तिका दीस लें आयजूय अशेंच जालां आसतलें.

"आयज म्हाका भूक लागपाची ना. कशीच लागची ना." बाबगो शर्टाचीं बटणां लायत लायत उलयलो.

"कित्याक? आयज भाटकाण्णीन बरें खावपाक दिलां काय कितें? शेळें वाडटा ती तुमकां. रातचें खतखतें भुरग्यांनी खांवन उरले उपरांत सकाळीं तुमकां चाये वांगडा मेळटा. हांवें पळयलां खूब फावटीं."

"अगो, आतां चड दीस तें शिळें खावचें पडचें ना. आतां भाटकारागेर लेगीत हांव ताजेंच खातलों. तें लेगीत तांच्या वागडा बसून."

"भाटकारान कितें तुमकां पोसके घेता म्हण सांगलां काय कितें?" बाबग्याचे बायलेकूय ताच्या उलोवण्याचें अजाप दिसलें.

"पोसको जांवन इश्टेटींत वांटेकार कोण जातलो? हाव स्वता आतां थोड्या दिसांनी पात्रांव जातलों. मावोड्यां तुका गाडयेन व्हरतलो?" नाचत नाचत बाबगो उलयलो.

"सोर्त बीन लागली काय कितें?"

"हय, सोर्त लागल्या म्हाका. पूण हें तूं कोणाक सांगूं नाका. इतले बेगीन कोणाकूच सांगपाचें ना. सोर्तीचो ट्रक म्हूण सांगपाचे ना. लोनाचेर घेतला म्हूण सगळ्यांक सांगपाचें. लोक बरेंच जळटले." अशें म्हणत ताणें बोल्सांतली सोर्त काडून तीच्या सामकार नाचयली. बाबग्याचे बायलेन सोर्त घेवन देवा कडेन धांव मारली. देवाक पांयां पडून ती बेगी बेगीन बाबग्या कडेन आयली.

"पूण तुमकां एक खबर आसा? त्या मंडळाक डोनेशन म्हूण तुमका थोडे पयशे दिवचे पडटले. तुमचे कडेन आसात तर? म्हज्या मावशेभावाक दोन वर्सां पयलीं चाळीस हजाराची मोटरसायकल लागिल्ली. ताणी खय धा हजार मागिल्ले. म्हज्या भावान तांका सांगले, इतले पयशे म्हजे कडेन नात. मागीर दोन हजारांचेर सा जाले." बाबग्याचे तकलेंत ही गजाल येवंक नाशिल्ली. ताकाय हे खबर आशिल्ले. पूण सोर्तीच्या आंनदान तो विसरुनूच गेल्लो. धा लाखाचो ट्रक म्हळ्यार एक लाख तरी मागतले. आवा शिवा करून धा हजार तरी दिवचेच पडटले. भाटकारा कडेन मागल्यार भाटकार कित्याक काय म्हूण विचारतलो. ताचे मुखार प्रश्नचिन्न आयले. मुखेल अडचण म्हळ्यार सोर्तीचो निकाल जावन आयज तीस दीस जाल्ले. आयज निमणो दीस 'देवान दिला आनी देवचार आता हे करता' अशें बाबग्याक दिसपाक लागले.

"हे घेयात म्हजें मंगळसुत्र. शेटी कडेन दवरात आनी धा हजार घेयात. ट्रकाच्या पयल्याच भाड्यान सोडोवन हाडूया." बाबग्याक कितें उलोवचें कायच कळना जालें. कितली बरी बायल आनी आपूण मात तिका उठटां बसतां धगश घालतां. म्हजी मोगाची बायल ती अशें म्हणून बाबगो तिका वेंग मारपाक फुडें सरलो. पूण तिणें ताका धुकलीत म्हळें.

"हीं नाटकां करशात जाल्यार हांगाच सांज जातली. चलात बेगीन शेटी कडेन. मागीर तो दुकान बंद करतालो तो बंद सांजेचे उकतें करतलो." बाबग्यान हातान एक पास्त घेतलें आनी धांव मारली.

“आरे! बाबग्या, इतले ताकतिकेन धा हजार कित्याक रे?” शेटीन ंगळसुत्र जोखीत विचारलें.

“मेवण्याक मुखेलमंत्री रोजगार योजणेंतल्यान प्रिंटींग मशीन मेळ्ळां. भायजूच पंदरा टक्के पयशे बँकेंत भरपाक जाय.”

“जूर कितलें खबर आसा मरे? म्हयन्याक हजार रुपया.”

“हांव तें दोन म्हयन्यां भितर फारीक करतलों.”

“लॉटरी बी लागल्या काय कितें रे? काय मेवण्याक मशीन येंवचे पयलींच मोठी ऑर्डर मेळ्ळ्या?”

बाबग्याक दिसलें सांगचे हाका. एक दीस येवन पन्नास हजारांचो हार घेतां काय ना पळय बायलेक खातीर. पूण ताणें थारायलें. इतले बेगीन नेट मारप ना. शेटीक मागीर पळोवया. शेटी कडल्यान पयशे घेवन तो स्टॅण्डार पावलो. रखरख वाडिल्लो. पाळयेंच्यान फोंड्यां, फोंड्यांच्यान सावड्डें आनी सावड्डेंच्यान सांग्यार पावतां म्हणसर चार जालीं.

गणेशोत्सव मंडळाच्या अध्यक्षाचे घर ताका रोखडेंच मेळ्ळें. मुखेल गजाल म्हळ्यार तो घरा आसलो. आपूण कित्याक आयलां हें सांगपाची ताका उमळशीक लागिल्ली म्हणल्यार जाता.

“पत्रांव, म्हाका तुमच्या गणेशोत्सव मंडळाची सोर्त लागल्या. पयलें बक्षीस.” बाबग्यान उचांबळ जायत अध्यक्षाक सांगलें.

“सोर्त दाखंय.” अध्यक्षान खर आवाजान ताका फर्मायलें. बाबग्यान ताकतिकेन थरथरत सोर्त फुडें केली.

“आयज निमणो दीस. आनी दीस पांचांक सोंपता. हांव हेर वांगड्यांक सांगूं शकतां तूं पांचां उपरांत आयलो म्हूण.”

“हांव समजलों ना तुमी कितें म्हणटात तें.”

“खरें तेंच सांगतां. तुजें नशीब बरें म्हूण हांव तुका मेळ्ळों. कामा खातीर भायर गेल्लों जाल्यार मेळटा आसलों? ना, मागीर तूं कितें करता

आसलो?"

"तुमचें म्हणणें कितें? सोर्त हांवें पिंजून उडोवची? देवान म्हाका प्रसाद दिला तो उडोवचो तर?" बाबगो आतां काकळुटेक आयिल्लो. ताका बायलेच्या मंगळसुत्राचें पडिल्लें. धा हजार आसा तशे परत व्हरून दिल्यार लेगीत शेटी म्हयन्याचें व्याज वजा करून पैशे मागतलो. एका म्हयन्याचो पगार गेलो. आनी म्हयनोभर पोटाक कितें खावप? पात्रांवाचें एडवॉन्स दोनशें रूपया. म्हणजे पगार कमी. खूबशे प्रश्न ताका सतावपाक लागले.

"हें पळय सभाग्या मनशा, आमी मांडणी करुया. ती सोर्त म्हाका दी. हांव तुका ट्रकाचे अर्दे म्हळ्यार सात लाख दितां. तूं पयशे घे आनी फुज्यो काड. हाव तुका वळखना आनी तूं म्हका वळखना. बेगीन सांग आयज स वरांचेर मिटींग आसा आमच्या मंडळाची. म्हाका वेळ जाता. चिंतपाक फकत पांच मिनटाचो वेळ आसा. चिंत आनी बेगीन सांग."

पात्रांव जावपाचें बाबग्याचें सपन मातयेभरवण जाल्लें. वयल्यान रिणांत पडपाची वेळ आयल्या. बायल वचना फुडें खेपतली. ताणें चिंतलें. हाचे कडेन वाद घालपांत अर्थ ना. मांडणी केल्यार निदान सात लाख तरी मेळटात. एक ल्हानशें प्रिंटींग मशीन घेवचें आनी पात्रांवाच्यो ल्हान व्हड ऑर्डरी मारपाच्यो.

अध्यक्षान भितर वचून हजार नोटींचीं सात बंडलां हाडून ताच्या हातार दवरलीं. एकाच वांगडा इतले लाख पळोवन तो काचाबूल जालो. हे लोक कितलो म्हूण पयसो घरांत दवरतात. आपले जिपीन अध्यक्षान ताका वाड्यार सोडलो. बाबग्यान बशींत आनी वचपाचें धाडस केलें ना. तडक वचून पायलटाच्या फाटल्यान बसलो आनी ऑर्दर सोडली, "चल, पाळये या.... दिवचल पाळये."

रातभर दोगांय घोव बायल पयशे मेजतालीं आनी कितले शुन्य हाचो मेळ बसयतालीं. सकाळ जायना फुडें तो भाटकारागेर पावलो. पोन्नें धाकटें प्रिंटींग मशीन आनी पोन्नेंच कटर मशीन घेवपाचें उतर आयज

घालपाचेंच म्हूण तो मनाची तयारी करून आयला. कितें कितें बंडलां मारपाचीं हाचीय तजवीज चालू आसा. इतल्यान पेपर हातांत घेंवन धाकटो पात्रांव आयलो.

"हें पळय, हेच खातीर मुंबय वचून हांवें खास कलर तयार केलो. हे जांताच. सगळे कडेन फटींगपणां. देवा कडेन लेगीत?"

"किते जाले रे?" भाटकारान पुताक विचारलें.

"सांग्यां गणपती मंडळाचो ट्रक खंय दोगा मनशांक लागला. तातूंतलो एक अध्यक्षाचो मेवणो. आतां दोगूय झगडटात नबंर बरोबर आसात म्हूण. म्हाका खबर आसा तातूंतली एक फट आसा. तेच खातीर हांवें खास असो कलर तयार केला आनी नंबरींग मशिनान बोगस सोर्तीची झॅरोक्स काडल्यार हेर सगळें येतलें पूण नंबर आसात ते सुवातेर कांयच येवचें ना. पूण तुमच्या टेबलार सुकपाक दवरील्यो सोर्ती तुमी काडून भायर मारल्यो."

"आरे! आमकां दिसलें त्यो सोर्ती गेल्यो म्हूण. आमकां खंय खबर आसलें त्यो सॅमलींग कॉपी म्हूण. आसूं, आतां परत करून हाड. आता तुका मार्केटींग करपाक मात्शें बरें पडलें ना?"

दोगांचेंय सभांशण आयकून बाबगो धांवत घरा आयलो आनी कालचे सोर्तीची झॅरोक्स पळयली. ती खर्यानीच नंबराच्या जाग्यार ब्लॅन्क आशिल्ली.



चि. जनार्दन

"हलो! आयकुपाक येता?" एक थरथरतो आवाज.

"हय, हय, येता म्हाका. तूं कोण उलयता?" एक [illegible] लुडबो आवाज.

बारावर्तीच्या लायन्स क्लबान [illegible] स्नेहमंदीर ह्या वृद्धाश्रमात मोफत टेलिफोन सेवा सुरू केल्या. महाराष्ट्र आनी गोंय ह्या राज्या भितर खंयसरूय फोन लावपाक मेळटा. [illegible] [illegible] [illegible] टेलिफोन नंबर खास आसात. थंय ते आपाणी सुख-दुख्खा [illegible] मनशां कडेन [illegible] शकतात. दुसरे [illegible] मनशाक लेगीत हाची सवय जाल्या. ताच्या दुख्खात ते लेगीत भरसून वतात आनी तांचें दुख्ख पयस करपाची [illegible] करतात. दोन वर्सां आदीं जनार्दन कामत ह्या स्नेहमंदिरान आयला. ताका लागचो असो मनीस कोण ना. ज्या दिसा तो हांगा आयलो त्या दिसा [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible]. पूतान सांगिल्लें [illegible] [illegible] [illegible] [illegible], पूण [illegible] [illegible] ह्या [illegible] ना. पूतान [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] लागून [illegible] [illegible] हाची [illegible] [illegible] दिसता. ज्या [illegible] ताच्या [illegible] अनुभव दुका [illegible] आसात. [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] दोन [illegible] दोस [illegible] दिसतानी [illegible] आवाज [illegible] [illegible] [illegible] [illegible], नातवाचें [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] पूण [illegible] [illegible] [illegible] ना.

"हलो! म्हाका आयकुपाक येता. [illegible] तू. कोण तू?"

जनार्दन कामत चिंतपाक लागलो कोण आपूण? [illegible] भाटा-बेसा [illegible] गेलो. पूण कामत [illegible] [illegible] मॅनेजर म्हूण [illegible] [illegible] आशिल्लो. [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] करपाक लायले. कामत जसो आफिसांत [illegible] [illegible] तसोच तो घरांतूय [illegible]. [illegible], पुताक ते [illegible] [illegible]. पूण नवी सून घरा [illegible]. नव्या

विचारांची नव्या जगातली. तिका ताचें शेक गाजोवप आवडना जालें. कामतबाबाक दिसतालें घर आपलें. आपल्या घरांत आपणाक जाय तशेंच जावपाक जाय. घरांत अदीं मदीं मांव-सुनेचें वाजपाक लागले. पूत मंगेश सगळें पळयतालो पूण तो कांयच करूं शकनासलो. कोणाची बाजू घेवप ह्याच चिंतनांनी तो घुसपून वतालो आनी दोगांचीय तोडां वाजलीं की मोन्यानी बसतालो.

"ह्या घरांत एक तर म्हाका दवरात नाजाल्यार तुमच्या बापायक" हीं उतरां सदांचींच जाल्लीं.

जाणटो बापूय आसा मात्सो हट्टी. वतलो खंय? आनी सांगचें म्हणल्यार तांचीं कितलीशीं वर्सा उरल्यांत आतां. हें चिंतून मंगेश ओग्गी रावलो. ताका सोडून दुसरे कडेन वतलो जाल्यार आईचो आत्मो वळवळटलो अशें ताका दिसतालें. एकलो रावलो जाल्यार खातलो कितें आनी रांदतलो कितें? जाणटी पिराय. दुयेस बी पडलो जाल्यार पळयतलो कोण? अशे हजार प्रस्न मंगेशाक पडटाले. सगले वटेन ताचो घुसमटमार जातालो.

मंगेशाक पूत जातकच लोकांक दिशिल्लें जाणटो मात्सो मोव जातलो, पूण जाले भलतेच. नातवाक अशेंच तेल लावपाक जाय. असोच न्हाणोवपाक जाय. अशीच दिश्ट काडपाक जाय. अशे तरेन तो सुनेक सांगपाक लागलो. नातू मातसो जरी रडलो तरी सुनेचेर उतरांचे बाण पडपाक लागले. आनी एक दीस आयतारा सुनेन मांव आनी मंगेशा सामकार आपलें बेग आदळ्ळें.

"तूं खंय वता?" मंगेशान काचाबूल जावन विचारलें.

"तुमचें घर सोडून वतां. म्हज्यान जायना आतां सोंसपाक. हांगा रावल्यार पिशें जातलें हांव. खंयचेय बॅंकेंत नोकरी मेळटली म्हाका. घेतां म्हज्या पुताक आनी रावतां वेगळें. तूं आनी तुजो बापूय रावात ह्या महालांत." फणफणत ती उलयली. मंगेश ओग्गी आसलो.

"नाटकां पुरो. कामताली सून घर सोडून गेली म्हण नाक कापू नाका आमचें. हांवूंच चल्लो. वृद्धाश्रमांत. रावात तुमी. पूण एक सांगतां परत तोंड पळोवचो ना तुमचे, एकदा गेल्यार. म्हजे सगळे पयशे वृद्धाश्रमाक दान करतां. माथ्यार बसोवन दवरतले ते लोक म्हाका."

आनी खर्यानीच ताणें आपुणूचली आपली सगळीं कागदपत्रां तयार केलीं आनी पयस मुंबयच्या वृद्धाश्रमांत आपलें नांव घालें. भावूक, मायेस्त आनी भावार्थी मंगेशाक हो एक व्हड धक्को आसलो. ताणे चितिल्ले बाबा रागाच्या

भारार उलयला. पूण फाल्यां बाबाचो वचपाचो दीस. मध्यान रात जाली तरी ताका न्हीद येनासली. तो तसोच उठून बाबाच्या रुमांत गेलो. पळय जाल्यार बाबा आईच्या फोटया कडेन उलयत बसला.

"काशीबाय, तूं नशीबवान. सुनेचीं जहाल उतरां तुज्या वांट्याक येवंक नात. वतां हांव फाल्यां. परत केन्नाच येवचो ना. तुज्या आत्म्याक सांग म्हजे वांगडा मुंबय यवपाक. म्हजे भोंवतणी भोंवत राव. म्हाका दिसता हांव आतां चड दीस काडीन कसो. येतां तुजे कडेन. इतले बगीन दुसरो जल्म घेवंया नाका."

मंगेश कांयच उलयलो ना. बाबाचे मांडयेर तकली दवरुन तो ल्हानपणातलो मंगेश जालो. आईन मारतकच तो असोच येवन कामतबाबाले मांडयेर न्हिदतालो. मोठ्यान रडप ताका केन्ना जमलेंच ना. कितलेंय दुख्ख जावं, तो सगळें मान्यानी सोसतालो. आईच्या मरणा दिसा लेगीत ताणे एक दूक काडले ना. ताका रडावपाचो खूबशा लोकांनी यत्न केलो. पूण ना. आईचे कुडी कडेन निस्तब्ध मनान तो पळयतूच राविल्लो. कामतबाबाली बोटां ताच्या केसांनी भोंवपाक लागलीं. आपल्या स्वभावाक लागून पुताक त्रास जातात हें ताका जाणवतालें. पूण सुने कडेन हार मानप ताका मान्य नासलें.

"बाबा, वचप गरजेचें आसा?"

"हय पुता. आतां फाटीं सरचो ना हांव. हांगा रावून हरशी म्हण तुका मानसीक त्रास दिवप म्हाका मान्य ना. जितलो पयस तितलो बरो. तूं यो अदी मदी म्हाका मेळपाक. चवथीक येतां हांव गोंया परत."

"बाबा, पूण आईचो आत्मो तळमळटलो. आई ह्या घरात भोंविल्ल्याचो म्हाका सदांच भास जाता. फाल्यां ती थतर पितर जातली. फाल्यांच्यान तिचीच सासाय ना जाल्यार."

"ती म्हजें आयकतली. सांगतां हांव तिका तुका माफ कर म्हण. हातूंत तुजी कांयच चूक ना."

सकाळ जाय मरेन तो तसोच मांडयेर न्हिदून रावलो.

घरच्या सगळ्या देवांक नमस्कार करून कामतीन सगळ्या घराक एक मोठो भोंवाडो मारलो. खूब वेळ नातवाक घेवन बसलो. ताका दिसताले घालचो बॅगान आनी व्हरचो हाका मुंबय. आयज घर सोडटना ताका दिसपाक लागले बेठाच रागान उलयलो. मात्शें पाशियेंस काडल्यार जातालें. पूण आता माघार घेतल्यार सून सदांच थोमणे मारतली. हरशी म्हण हांगा काम किते आसा?

हांगा बसून रावतां तसो थंय रावप. मंगेशान बॅगो हाडून गाडयेंत दवरल्यो. कामतीन आपलो अंहकार मात्सो पयस केलो आनी सुने कडेन गेलो. "जमता जाल्यार म्हाका माफ कर. म्हजो स्वभाव सुदारप केन्ना जमलेंच ना. काशीबाय म्हणटाली, हांव उबे शिरेचों. वतां हांव. जगलों जाल्यार येतां चवथीक." "बरें करून." सुनेन इतलेंच म्हणलें आनी ती भितर गेली.

कामतीक बशीन मुंबय वचपाचें आसलें. पूण मंगेशाच्या आग्र्या खातीर ते विमानान येमवपाक तयार जाले. कपंनीच्या कुस्तार कामतीन तसो खूब फावटीं प्रवास केला विमानान. पूण चल्या वांगडा पयलेच फावट. मळबात विमान रिगले बराबर कामतबाब मात्सो भावूक जालो. मंगेशान ताचे कडेन हळूच पळयलें. ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतालीं.

"बाबा, वायट दिसता? अजुनूय विचार कर, वचप गरजेचे? मुबंयच्यान मेळटा त्या विमानान परत येंवया."

"ना, वायट दिसना रे. करात तुमी संवसार. हीं व्हड व्हड कापसाचे गुळे कशीं कुपां पळयलीं. खिडकेंतल्यान भायर पळयतना बेठेंच दिसलें काशीबाय त्या कुपांचेर बसून आमचे वांगडा येता. आता खरें तर ती धर्मसंकटांत सापडल्या. कोणा कडेन रावचें, पुता कडेन काय घोवा कडेन. लग्न जाले उपरांत केन्नाच तिणें म्हज्या सामकार ब्र काडलें ना. आयज ती म्हाका तापयता कशी दिसता. म्हाका धेंगसायता. पुताचेर खूब जीव तिचो.

काशीबाय भियेव नाका. तुजे कडेन येवपाचे दीस लागीं पावल्यात. दिसता सर्गार आतां व्हडलें घर बूक करून दवर. कामत स्वता भितर उलयलो आनी बोल्सांतल्या लेंसान दोळे पुसले. मुंबय-गोंय हो विमान प्रवास म्हणल्यार पणजे स्टेण्डा वयल्यान मार्केटांत वचपा सारखें. विमान केन्ना सकयल देवलें कळ्ळेंच ना.

"बाबा, निमणें विचारतां. खरेंच वृध्दाश्रम गरजेचो?"

"जनरेशन गॅप. तुका कळचें ना पुता. नव्या विचाराचें चली तें. सगळें आयकून घेवपाक काशीबाय न्हय."

सगळे सोपस्कार करून कामतीच्या रुमान ताणें ताचें सामान वेवस्थीत लायलें. "चल तूं आतां. म्हजी काळजी करूं नाका. चवथीक येता हांव. म्हज्या नातवाक तुज्या सभावाचो कर."

कांय खीण त्या रुमान शांतताय पातळ्ळी. दोगूय कांयच उलयना जाले.

मोन्यानीच मात हजारांनी संवाद जाले.

"बाबा, काळजी घे. येतां हांव." अशें म्हणत मंगेशान कामतीच्या पांयांक हात लायलो. आनी मोन्या दुकांचो अभिशेक सुरू जालो. ल्हव ल्हव रडपी मंगेश मोठ्या मोठ्यान रडपाक लागलो. खूब वेळ रडलो. घडय जिवितांत पयलेंच फावट तो असो रडलो आसतलो.

"काका, उलय न्ही. कितलो वेळ जालो हांवें फोन कानाक लावन धरल्यार." येदोळच्यी फोन लायन चालू आशिल्ली.

"हांव जनार्दन कामत. तुजें नाव कितें?"

"हांव प्रभव मंगेश कामत." ते वर्टेतल्यान आवाज आयलो. मंगेश कामत हें नांव आयकना फुडें कामतीच्या डोळ्यां भरून आयले. नाकातलें शेंबूड पातळ जावन मिशयांचेर आयलें. मंगेश आसा खंय ह्या संवसारांत. तो आसा थंय कोणाशींच वागडा. मुखार सादन दाबून विमानतळार पावले बरोबर तांणे पार्कींग लॉटांतल्यान आपली कार भायर काडली. ती कार ताच्या घरा पावलीच ना. वाटेर पुलाचेर गाडी ... तांणें उदकांत ... घातलें. ताका कित्याक जिवितांचो वीट आयलो? ताका जियेन सगळ्यांक असह्य जाल्ले. "काका तुमी परत बोल्पी शायद आसयात न्हीं." प्रभव

"प्रभव, हांव तुजो काका न्हीं. हांव तुजो आजो, तुज्या पापालो बाबा." आपल्या गिळीत कामत सांगलो.

"पूण मम्मा म्हणटा पापा खंय देवाघरा गेला." मम्माक जडलें घर जाय तें हाडपाक गेला खंय तो. तो खंय इतलो वेगीन येवचो ना. हांव व्हडलो जातकच येतलो. आयज म्हजो बर्थडे. तू भाग्यवान आसा. तू लगीत देवाघरा आसा?" प्रभवाची निशपाप उतरां सुगी जावन कामतीक तोप्पाक लागलीं.

"ना रे! हांव देवाघरा उरपा सारखो म्हजें नशीब ना. हांव येवं तुज्या बर्थडेक! तुका नवेंनवें कपडे घेवन दितां, केक हाडटां आनी खूबशो चॉकलेटी हाडटा."

"पूण, तू खंय आसा तर"

"हांव मुंबय आसां. खूब पयस. हांवें खूब पापां केल्यांत तांची ख्यास्त भोगतां, एकटोच. . कोण ना..."

मुंबय! पयस! इतलेंच प्रभवाच्या बालमनाक कळ्ळें. पूण मागीरचें कळ्ळेंच

ना. पूण ताका एके गजालीचो आनंद जालो तो म्हणल्यार ताचो आजो खंयतरी आसा. आनी ताच्या वाडदिसाक येंवपाचो आसा.

"आज्या, तूं येता न्ही वाडदिसाक म्हज्या? खूब भुरगीं येतलीं. मम्माच्या ऑफिसांतलो काका येतलो. खूब खावपाक घेवन यो हां!"

"हांव येवपाक तयार आसा राजा. पूण तुजे मम्माक आवडना रे हांव. तिका म्हजे खातीर खूब सोंसचें पडलां. सगळो गुन्यांव हांवेन केलो आनी ख्यास्त मात भलत्यांनीच भोगली. तुंवेन लेगीत भोगल्या आनी भोगीत आसा."

प्रभवाच्या लुडब्या आवाजा वांगडाच कामतीक फोनाचेर एके बायल मनशेचो अस्पश्टसो हुंदको आनी मागीर रडपाचो आवाज येवपाक लागलो. इटरकॉमाचेर बेडरुमांत ताची सून येदोळच्यान दोगांचेंय सभाशण आयकताली.

"बाबा, हांव उलयतां. आतां आसा तशे तुमी थंयसान भायर सरात. दर वरांक गौंयां एक विमान आसा. सगळ्याच गजालींक तुमीच जबाबदार नात. हांवेनूय मात्शी तडजोड करपाक जाय आसली. बाबा प्लीज येतात न्ही?"

कांय वेळ कामतीक कितें उलोवं कांयच कळना जालें. हांगा लेगूत तेंच जिखलें. दोन वर्सां हांवें म्हज्या अंहकारा खातीर पावल मुखार घातलें ना. आनी आयज ताणें एका उतरान सगळो इतिहास बदलून उडयलो.

"बाबा, सात वरांचेर केक कापुया. येतात न्ही? म्हाका तुमची गरज आसा. प्रभवाक आजो जाय. वाट पळयतां." अशें म्हणून तांचे संभाशण सोपलें.

सांजेचीं स वरां जायत आयिल्लीं. कामतीचे सुनेक दिसतालें कामतबाब आपलो स्वभाव सोडचे नात. एक मन म्हणटालें ते येतले, दुसरे मन म्हणटालें ते येवचे नात. पूण कामत खर्यानीच साडे संक सुमाराक घरा पावले. येतना हाडिल्लो पिशवेतलो हार काडून काशीबायच्या फोट्याक घालपाक म्हूण मुखार सरलो जाल्यार सुनेन पयलींच पुताच्या आनी मांयच्या फोट्यांक हार घातिल्ले. मंगेशाच्या फोटवाक हार पळोवन ताचे काळीज चर्र जाले. ताचे जाणटें मन आनी जाणटी कूड दोन वर्सां उपरांत आपल्या घरात मेकळेपणान भोंवली.

"बाबा, तुमी न्हावन घेयात. गरम उदक तयार आसा. आपले सामान दवरून तो बाथरुमांत पावला मात पळय जाल्यार ल्हान प्रभव बालदेत हात घालून उदक गरम काय थंड हाचो अदमास घेतालो. ल्हान भुरगो उदका कडेन खेळटा ते पळोवन ताची शीर सट्ट जाली. "सूनबाय, तुका मात तरी अक्कल

आसा काय ना? ल्हान भुरगो तो, बालदेन पडलो जाल्यार." हीं उतरां ताच्या ओंठां मेरेन आयलीं पूण जिबेर आयलीं नात. "प्रभव पुता, कितें करता हांगा उदकांत खेळप बरोबर न्हय हां. मम्मा तापयतली."

प्रभवाक आवाज वळखीचो दिसला तरीय ताणें विचारलें, "तूं कोण?"

"हांव तुजो आजो. जनार्दन कामत. प्रभवाक सगळें याद जालें. टेलिफोन, उलोवप सगळें. ताणे म्हजो आजो आयला म्हण भायर धांव मारली. सगळ्या जगाक सांगपा खातीर. खूब दिसांनी त्या घरांतलें वातावरण बदलिल्लें आनी खेळटें आशिल्लें. सगळेंच उत्साही आनी खोशयेचें.

केक कापलो, सगल्यांनी हाडिल्लयो भेटवस्तू प्रभवाक दिल्ल्यो. प्रभव खूब खूश आशिल्लो.

आतां सगळीं इश्ट, बरे मागपी आपल्या घरा परतिले उपरांत कोणें कोणे किते दिलां हाची उस्तवारी चालू आसली. कामतान येतना पुता खातीर हाडिल्ल्या चॉकलेटीचो डबो आनी बॅटबॉल मुखार केलो. प्रभवान ते हातांत घेतलें. पूण...

"आज्या, म्हाका बॅट आनी चॉकलेटी नाका. म्हाका पापा जाय. पापाक आपय देवा कडल्यान." हीं उतरां आयकतले बरोबर सून आनी मांव दोगांय कांय खीण वोग्गीं पडलीं.

"हे पळय प्रभव, ह्या वाडदिसाक तुका हांव मेळ्ळों. "प्रॉमीस, फुडल्या वर्डदिसाक तुका हांव पापा दितां." आंवडो गिळून आनी सुनेच्या उकत्या कपाळा कडेन पळयत कामत उलयलो. सुनेन अस्पश्ट अशी न्हयकारी मान हालयली.

दोन वर्सां उपरांत कामत आज आपल्या बेडरुमांत न्हिदिल्लो. "काशीबाय, हांव आतां बदल्लां हां! हांव आतां म्हजें तेंच खरें करचों ना. मात्सो वेळ वचत पूण उरिल्लें आयुश्य कामतबाब म्हण न्हय तर आमचें लग्नपत्रिकेर छापिल्लो चि. जनार्दन म्हण घालयतलों." कामतीन उलयता उलयतां शबनम पिशवेंतली मोगर्‍याआटी कडली आनी काशिबायच्या उशार दवरली.

"घे आतां परमळ जाय तितलो...."

संध्या छाया ती

नाना आनी उमाबाय दोगांचेंय मन आयज तांच्या ताब्यांत नाशिल्लें. खिणा-खिणाक थतरवितरपणा जाणवतलो. भायर नितळ चान्नें पडिल्लें. घराचें फुडलें दार उगडून नाना आंगणांत आयलो. भोंवतणच्या फुलां कडेन गजाली चलिल्ल्यो. दोळे भरून ताणें सरभोंवतणी पळयलें. सगळें शांत-शांत. घडये आयज पुनव आसत देखून नखेत्रां चडूच आशिल्लीं. उमाबायच्या हट्टा खातीर नानान घर ल्हान पूण बाग मोटी केल्ली. तातूंत सगळें रोयिल्लें.

"थंय कितें चल्लां? दंवान चड वेळ रावूं नाकात, भितर सरात." उमाबायन नानाक उलो मारलो.

"तूं बॅगो काडून दवर, येता हांव. हीं झाडां-पेडां, फुलां-फळां म्हजीं भुरगींच न्हय! आतां कशें जातलें हांचें देवाक खबर? एकामेकांची काळजी घेयात रे बाबानो. आमी चल्लीं आतां भुरग्यां कडेन. हांव ऑस्ट्रेलियेक आनी तुमची नानी अमेरिकेक." इतले मजगती खंयच्यान तरी काटांदर धांवून गेलो. "आतां हांची मजा. तुका कोण विचारपी ना. जाय तें खा. पूण घराची चड वाट लावं नाका हां शाण्या. कोणाक खबर भुरग्यां कडेन ना जमलें जाल्यार हांव परत येवपाक आसा. तेन्ना म्हाका घर जाय न्हय."

"वेळ कितलो जालो. अजून सामान भरूंक ना आमी. भितर येता आतां काय बॅग आनी कपडे घेवन हांव खळ्यांत येवं?" उमाबायन नानाक घडये निर्वाणेचो इशारो दिलो.

"येतां! येतां! तूं हांगा येवं नाका." अशें म्हणत मेळटा त्या फुला-पानाक हात लायत तो घरांत पावलो. बॅडरुमांत उमाबाय कपडे एकठांय करताली.

"ह्या घरांत आयज आमची निमणी रात. पाल्यां फांत्यापारार आमचें विमान आमकां घेवन मुंबय उडटले. मागीर तुजो आनी म्हजो मार्ग वेगळो. तूं धर्तरेच्या एका तोंकाक आनी हांव एका तोंकाक. केन्ना फोनाचेर उलोवप जातलें तितलेंच. आयज

पोटभर उलोवन घेवया. तूं म्हणटाली म्हय हांव कमी उलयता म्हूण. आयज हांव तुका वाज येयसर उलयतलों?" नाना मिस्टर शरना फुडें उलयलो.

"कुशीकच्या रुमांनी भूना, नातरां आनी चले निदिल्यात. धड बोवाळ घालून नाकात. फाल्यां दीसभर प्रवासाचो शीण आसतलो. ल्हव उलयात. चलात पयलें बॅग भरून घेवया. दीसभर सगळ्या वागड्याक भोंवून आयलें. बॅगा भरपाच्यो उरल्यो." उमाबाय नानाक [illegible] लागली. ते [illegible] आतल्या वयल्या बॅगा सकयल काडल्यो. तांचेर बरोच धुळ साचिल्ली. बॅग सकयल खाटीचेर आदळिल्ले बरोबर धुळीच्या [illegible] लागून [illegible] शिंको आयल्यो. दोगांयनी एकमेकाक [illegible] आनी [illegible] लागली. [illegible] सामान आता ती [illegible] खाटीचेर अस्ताव्यस्त [illegible]. [illegible] अश [illegible] घालपाचें आशिल्ले. जें उरतें तें घडये [illegible] ना. [illegible] अमेरिकेक [illegible] आस्ट्रेलिया. दोगूय जाण त्याच देशांच्या [illegible] संस्कृतायेंत [illegible] आसली. जाणट्या [illegible] दिसनाशिल्ले. आनी [illegible] संस्कृतायेचो [illegible] भारतांत [illegible] दोगांय जाण ह्या [illegible] दोन म्हयने. त्या [illegible] दोन म्हयने [illegible] आशिल्लो. पूण आतां [illegible] ते शक्य ना. [illegible] दोगांतीय [illegible] ही रात [illegible] निमणी रात.

"आमी अशें [illegible]? [illegible] तुजें बॅग भरतां. तूं [illegible] बॅग भर." नाना उलयलो.

"हांव तुमचें बॅग [illegible] भरीन. तुमी [illegible] शासांनी [illegible] तातूंत तुमचे बॅग भरताली. पूण आतां बॅग भरपाक तुमकां जमतलें तरी. वायलाक कितें लागता तुमकां खबर आसा मूय?"

'तातूंत कितें, खाटीचेर तूं सगळें पासरून दवर. तातूंतलेंच एक एक काडटा आनी दाखयता. तूं सांग [illegible]!"

"आमच्या ह्या खेळांत पुराय रात सोंपतली, निदप केन्ना मागीर? काय जागीच रावुया पुराय रात?" नानाची पुराय दीसभर धुमशणा चालिल्ली. उमाबायक घडये ताचें करता म्हणसर पुरो जाल्ले. तिका निदपाचें आशिल्ले.

"तुका कशें समजना. आयज आमी निदपाचें ना. फाल्याच्यान आमी वेगळा जात. ह्या आमच्या बेडरुमांत आमच्यो कितल्योशो तरी यादी आसात, तांचो उगडास

करुया. ह्या वणटींचे उपकार आसात आमचेर. जमलें जाल्यार तांचे कडेन दोन गजाली करुया. भुरग्यांच्या यादीनी न्हीद पडनाशिल्ली तेन्ना ह्या सिलिंगा कडेन पळोवन आमी राती जागयल्यात. ताचे लेगीत उपकार मानचे आसात. फाल्याच्यान मागीर न्हिदपाक वेळूच वेळ आसा. एकमेकाची तोंडां परत पळोवपाक मेळटलीं अशें दिसता तुका? मरणाक सगळे लोक निमणें दर्शन घेंवपाक येतात. आमच्या नशिबान तें लेगीत नासतलें." नानाचो गळो भरून आयिल्लो. ताचे कडेन फुडें उलोवपाक जालें ना. उमाबायन हे वटेन ते वटेन भिरभिरते नदरेन सगले वटेन पळलयलें. तिच्याय दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवपाक लागलीं. खूब वेळ दोगांय जाणां वणटी आनी वयल्या पांख्याक पळयत राविल्लीं. घडयाळीर इकरांचे ठोके पडले आनी दोगांय भानार आयलीं.

"चलात, भरात म्हजें बॅग तुमी. हांव भरतां तुमचें बॅग." उमाबायन नानचें बॅग आपले कडेन ओडलें.

"आमी एक खेळ खेळुया. मोन्यांनी बॅगो भरल्यार मजा येवपाची ना. जसो आयज आमचो निमणो वेळ तसोच ज्यो ज्यो वस्तू आमी बॅगांनी भरतलीं तांचोय निमणो खीण हो. तुजी खंयचीय गजाल म्हाका परत दिसपाची ना. आनी म्हजीय खंयचीय वस्तू तुका परत दिश्टी पडची ना. तेन्ना प्रत्येक वस्तुचे आयज आमी उपकार मानुया. घडये दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतलीं. येवं दी,! कांयच जावपाचें ना. ह्या बॅडरुमांत तशीं आमी भुरग्यांच्या यादींनी खूब फावटीं रडल्यांत न्हय. आयज पडटलीं तीं हांगा सरलीं निमणीं दुकां. थंय अमेरिकेक मोन्यांनी दुकांविरयत रडचे पडटले एकमेकाचे यादीन." नानान उमाबायचें बॅग उकतें केलें. दोन-तीन साडयो घडी करून बॅगेत दवरले उपरांत नानाच्या हाताक शालू मेळ्ळो.

"हो पळय तुज्या लग्नांतलो शालू. कोण म्हणटलो हाका पसतीस वर्सां जाल्यांत म्हूण? आसा तस्सो आसा. याद आसा तुका? तूं माटवांत सजून बशिल्ली तेन्ना म्हजी नदर पयलीं ह्या शालूचेरूच पडिल्ली. ह्या निळ्या शालूंत तुज्या आंगलोटाची सोबाय आनूकूय वाडिल्ली. तुज्या वांगडा सप्तपदी चलतना तुज्या ह्या शालूची गांठ बांदिल्ली. आयज तशे पळोवंक गेल्यार ही गांठ सुटटली. सासणां खातीर. तुजे कुशीक बसून देवकार्या करतना ह्या शालूची उबसाण मनाक थकाय दिताली. दिसताले शालूच्या रुपान तुका पळयत रावचे."

"आनी होच शालू लग्नाचे पयले रातीक तुमचो दुस्मान जाल्लो. तुमी दार लावन भितर सरले म्हजे काळीज मोटमोट्यान धडधडटाले. तेन्नाय तुमी आयचेवरीच

म्हजे कडेन खूब गजाली केल्ल्यो. हांव भंयान आनी लजेन हय आनी ना इतलेंच म्हणटालें आनी तुमी मात उलयत रावित्लें. उलयतां उलयतां म्हाका तुमी केन्ना गोपांत घेतलें कायंच कळ्ळें ना. शालूचे गांठी कडेन तुमची चलिल्ली धडपड म्हाका अजुनूय याद आसा." सांगतां सांगतां उमाबायचे गाल तांबडेच जाल्ले. पयले रातीचे यादीन आनी ते गांठीचे यादीन नाना लगीत मातसो लजिल्लो.

"आयज अशेंच मनसोक्त उलोवया. लज भीड धरिनासतना." नानान मोगान उमाबाय कडेन पळयत म्हणलें.

"तुमचीं कितलीं पुडवीं घेवं?" उमाबायन विचारलें.

"थंय ऑस्ट्रेलियेंत खंय मेळटलीं पुडवीं? सगळीं घाल."

"ना, सगळीं ना. एक म्हजे खातीर दवरतां." उमाबाय उलयली.

"तूं आनी थंय वचून पुडवें न्हेसतली काय किते?" नाना हांसपाक लागलो.

"याद आसा? पयलो चलो पोटांत आसतना, म्हज्या पोटांत अचर्कीत दुखपाक लागिल्ले. सरकारी दवखान्यातल्यो सगळ्यो खाटी भरिल्ल्यो. दोतोरान म्हाका भायर बांकड्याचेरूच न्हिदपाक सांगिल्लें. हांव थंडेन कुडकुडटा ते पळोवन तुमी लजनासतना तुमचें पुडवें सोडोवन म्हजेर घाल्लें आनी एक गुरूजीं आसुनूय पट्टयाचें चड्डूर तशेंच पुराय रात बसून रावित्ले. थंय अमेरिकेक तुमी खंय आसतले म्हजे कुशीक. केन्नाय तुमची याद आयली जाल्यार आंगाचेर ओड्डून घेतां. पुडव्याचे उबेन तुमची उब अणभवतां आनी मरचे पयली पुताक सांगून मरतां. म्हजे कुडीचेर हार घालपाक विसरल्यार चलतां. पूण हें पुडवें कुडीर पडपाकूच जाय."
आनी उमाबायन आपले बॅगेंत घालपा खातीर एक पुडवें काडून नाना कडेन उडयलें. बरी घडी करीत नानान तें उमाबायचे बॅगेंत घालें

"ही पळय, ही तुजी नथ हांव म्हजे बागडा दवरतां. पयले रातीक हे तुजे नथी खातीर म्हाका खूब त्रास जाल्लो."

"नाका, नथ ही सवायशिणीचें आभूशण. मरतना घालची पडटा. व्हरपाचें आसत जाल्यार ही म्हजी दोन कवचेंचीं कांकणां व्हरात. जेन्ना म्हजी याद येतली तेन्ना तेन्ना ही दोन कांकणां एकमेकाचेर वाजोवन किण्ण! किण्ण! आवाज करात. हांव तुमचे भोंवतणी आसा म्हणपाचो तुमका भास जातलो."

लक्व-लक्व करून दोगांच्योय बॅगो भरत आयल्यो. खाट मेकळी मेकळी जाली. उरिल्लें सामान तांणी कपाटांत घालून दवरलें. एकेक वस्तू कपाटांत दवरतना दोगांच्याय दोळ्यांनी दुकां येतालीं. दर एके वस्तूक ती सांगतालीं, आमचो तुमकां

हो निमाणो स्पर्श. तुमी आमचे खातीर जें केलां ते खातीर आमी तुमकां केन्नाच विसरचीं नात. एक एक वस्तू सांठोवन तांणी आपलो संवसार उबो केल्लो. आयज तो पुराय संवसार हांगाच सांडून तीं एकामेका पसून पयस वतालीं. परत केन्नाच येनासपा खातीर.

घडयाळीन तीन जालीं म्हणपाची सुचोवणी दिली. उठपा खातीर पुतान साडेपांचांचो गजर लायिल्लो. सात वरांचेर विमानाचो वेळ. तांच्या घरा कुशिकूच विमानतळ आशिल्ल्यान अर्दा वरा भितर सुटूं येतालें. ल्हान आसतना चले म्हणटाले, 'बाबा, आमी व्हड जातकच तुमकां विमानांत बसयतले आनी पयस व्हरतले.' तेन्ना हड्डें भरून येतालें. भुरग्यांच्या हावेसाचें कवतूक दिसतालें. घरा वयल्यान उडपी विमानाची घरघर काळजाक उर्बा दिताली आनी आयज तो हावेसाचो खीण आयलो जाल्यार दोगांय धतरवितर जाल्यांत. दोगांचोय आंवडो भरून आयला. दोगांकूय वच्चें न्हय अशें दिसता. पूण हांगा रावून तरी कितें करतलीं. जाणटेपणांत दुयेंसां फाटोफाट येतात. घरांत बरें वायट काडपी आनीक कोणूच ना. एकल्याक कोणाक होस्पिटलांत दवरल्यार घरांत कोण? रांदतलो कोण? अशे हजार प्रस्न आसात. वृद्धाश्रमांत रावपाक जातालें. पूण पुतांचो स्टेटस आड येतालो. दोगांचींय बॅगां कोनशाक उबीं रावलीं. घडयाळीचेर चार जालीं. फकत एक वर उरलां. मागीर सासणाची ताटातूट आनी वियोग. मेळप जातलें मागीर सर्गाच्या दारार. दोगांचींय दुकां व्हांवतालीं.

"म्हाका तुजे वेंगेंत घेता? फकत एक वर मेळटा आमकां." नाना आंवडो गिळीत उलयलो.

"घेतां, पूण एके अटीचेर. तुमी दार बंद करून भितर सरात. हांव खाटीर एका कोनशाक बसतां. म्हजी जाणटी कूड पूण तरणे मन तुमचे सुवादीन करतां. तुमी लेगीत भितर सरतना पंचवीस वर्सांचे जावन भितर सरात." आनी खरेंच उमाबाय खाटीच्या कोनशाक बसली.







नांव : अजय ज्यो. बुवा (आप्पा बुवा)

पत्तो : ड/३, रिश्वा रेसीडेन्सी, कला मंदीरा फाटल्यान, दुर्गाभाट - फोंडे - गोंय. ४०३ ५०६.

प्रकाशित साहित्य :
१. एस.एम.एस. (कथा झेलो)
२. प्रस्नाचिन्नां सासणाचीं (एकांकी)
३. बांवरी राधिका (कथा झेलो)
४. म्हज्या कवितांची डायरी (कविता)

पुरस्कार आनी भोवमान :

- भारतीय भाशा परीषद - कलकत्ताचो युवा कथाकार (राष्ट्रीय पांवड्यावेलो) पुरस्कार २०११
- भावनगर - गुजराथ हांगा जाल्या खाशेल्या कार्यावळीत साहित्य अकादमीच्या वतीन कथा सादरीकरणाची खास कार्यावळ.